कुळागर

जानेवारी १९८९

कुळागर

जानेवारी १९८९

वर्स : अकरा

अंक : १

ह्या अंकाचे मोल : २ रुपया

वर्सुकी पटी : २५ रुपया

संपादक :
नारायण बादोळकार

जायरात विभाग प्रमुख :
अनिल पै

छापणावळ :
एस. जे. हुंद्रे
रवि मुद्रणालय, कडोलकर गल्ली,
बेळगांव. फोन : २३०७९

छापपी आनी उजवाडावपी :
चंद्रकांत केणी
कुळागर प्रकाशन,
पो. बॉ. नं. ७८
मडगांव–गोंय–४०३६०१

मांडावळ

कोंकणी : अितिहासीक भाशा–शास्त्राच्या संदर्भात/माधवी सरदेसाय/३

गोंयची समाज–बांदावळ–
क्रिस्तांव उपसमाज–सामाजिक जीण/डॉ. ओलिव्हीन्यू गोमिश/८

गोंयची संस्कृतीक दायजां रंगमाची/ प्रकाश थळी/१२

प्रोव्हिजीनल/अभयकुमार/१६

आयची शकुंतला/ बरोवपी : आद्यरंगाचार्य
अणकार : गोदूबाय केळेकार/२०

कविता : उत्पत्ती आनी तिचें प्रयोजन/राम बाळकृष्ण प्रभूचोडणेकार/३२

सोद/शशांक सीताराम/३४

ह्या अंकांत परगटायल्ली मतां त्या त्या बरोवप्यांली. हातूंतले, बरपावळीचो उपेग करचो जाल्यार बरोवप्याची लेखी मान्यताय घेवप गरजेचें.

कोंकणी : अितिहासीक भाशा-शास्त्राच्या संदर्भात

– माधवी सरदेसाय

भाशाशास्त्र भाशे कडेन दोन नदरांनी पळेता :

१) काळा वांगडा भास कशी बदलत वता ताजो अभ्यास करपी अितिहासीक भाशाशास्त्राचे – डायक्रॉनिक वा हिस्टॉरिकल लिंग्विस्टिक्सचे नदरेन

२) काळाक कुशीक दवरुन भाशेची आयची वा अितिहासांतल्या अमक्याच अेका काळांतली बांदावळ नियाळपी सिंक्रॉनिक लिंग्विस्टिक्स्चे नदरेन.

कंपॅरेटिव्ह फिलॉलजी आनी आर्विल्लें भाशाशास्त्र

अठराव्या शेंकड्यां (१७८६ त) सर विलियम जोन्स हांकां संस्कृत भाशेचो अभ्यास करतना संस्कृत भास लातीन आनी ग्रीक भासांक खूब लागिंची म्हणपाचो सोद लागलो. ह्या तिनूय भासांच्या अुतरांच्या नादां–अर्थां मदीं तांकां अितलें लागिचें नातें दिश्टि पडलें कि ह्यो भासो अेक रगताच्यो, म्हळ्यार, अेकेच आवयच्यो धुवो आसूंक जाय ह्या अदमासाचेर ते पावले. ह्या सोदा अुपरान्त भाशेचो अभ्यास करतल्यांक नादां–अर्थांनी लागीं लागीं आशिल्ल्या अुतरांची अेकांमेकां कडेन सर करून तांच्या मुळांचो थाव घेवपाचें आनी भासां भासां मजगतच्या नात्यांचो अदमास घेवपाचें पिशें लागलें. हातूंतल्यान ' भाशे–कुळा ' चो (लँग्वेज फॅमिलीचो) विचार जल्मलो.

अिकुणिसाव्या शेंकड्याच्या सुरवेच्या काळांत रास्क, बॉप, ग्रिम सारकेल्या विद्वानांनी अिण्डो- यूरोपियन भाशे–कुळाचेर खूब वावर केलो. ह्या वावरान अितिहासीक भाशाशास्त्राची बुन्याद घाली. पूण त्या काळार भाशेच्या अभ्यासाची खाशेली अशी शास्त्रीय बसका बसूंक नाशिल्ली. हाका लागून भाशेच्या मळार जाल्ल्या ह्या अितिहासीक अभ्यासाक जाणकार वाङ्मयविद्येचो म्हळ्यार फिलॉलजिचोच वांटो लेखताले.

श्लॅयशॅर ह्या विद्वानान भाशे–कुळाच्या ह्या सोदाक वंश रूखाचें (जिनियोलॉजिकल ट्री मॉडलचें) रूप दिलें. हे माण्णेच्या हिसबान संस्कृत, ग्रीक, लातीन ह्यो भयण भासो. तिगीय प्रिमिटीव्ह अिंडो–यूरोपियनच्यो धुवो जाल्यार तांच्यांतल्यान आयिल्ल्या भासांच्यो आवयो. फॅंच, पुर्तुगेज, स्पॅनीश, अिटालियन ह्यो अेकिमेकिंच्यो भयणी जाल्यार लातीनच्यो धुवो.

ह्या सगळ्या अभ्यासांतल्यान ' तरनाट्या वैयाकरणी ' लोकांची (नियोग्रॅमेरियन) विचारसरणी भायर सल्ली : भाशेंत काळा वांगडा जावपी बदल कश्याय कशे जायनात, तांतूंत वेवस्ता आसता– बदलांक नेम आसतात, नेमांक आडवाद आसले जाल्यार आडवादांकूय नेम आसतात. हें मत मांडप्यां भितल्लीं दोन मोटीं नावां ऑस्तॉफ आनी ब्रुगमान हीं.

विसाव्या शेंकड्याचे सुरवेच्या कांय वरसां मेरेन आर्विल्या काळांतलो भाशेचो अभ्यास ह्या अितिहासीक बारीकसाणिनीच घुस्पून अुल्लो

१९१६ त कंपॅरटिव्ह फिलॉलजिचेच हे परंपरेत वाडिल्ल्या फेर्दिनांद द सोस्यूर हांगेल्या cours de Linguistique Generale ह्या पुस्तकान आर्विल्या भाशा–शास्त्रा ची बसका घाली. भाशेंत जावपी बदलांत वेवस्ता आसता तशी भाशेंतूय वेवस्ता आसता. भासांची अितिहासीक सर करचे पयलीं अितिहासाक पेल्यान दवरुन भाशेंचें वर्णन करप गरजेचें हो विचार मांडून ताणी भाशेच्या अभ्यासाची परंपराच बदल्ली भास म्हळ्यार कितें ? भाशेची वेवस्ता बदलता म्हळ्यार कितें बदलता ? भाशेच्या पाळां मुळांचो सोद घेवपांत गुल्ल आशिल्ल्यांचें लक्ष ताणी ह्या प्रस्नांकडेन ओडलें.

सोस्यूराच्या वावरान सिंक्रोनिक लिंग्विस्टिक्साक मूळ घालें आनी अिकुणिसाव्या शेंकड्यांत भाशेच्या मळार जाल्ल्या अितिहासीक अभ्यासाक फिलॉलजींतल्यान सोडोवन हाडून भाशाशास्त्राचो संदर्भ मेळोवन दिलो. सिंक्रोनिक लिंग्विस्टिक्स्चे घट बुन्यादिचेर डायक्रॉनिक हिस्टॉरिकल लिंग्विस्टिक्सूय अुबी जाली.

अिण्डो–युरोपियन आनी अिण्डो–आर्यन

कोंकणी अिण्डो–युरोपियन कुळांतली आविल्ली अिण्डो–आर्यन भास.

अिण्डो–आर्यन भाशेक भारतांत तीन ते साडे तीन हजार वरसांचो अितिहास आसा. साडे तीन हजार वरसां आदीं हे भाशेचो अितिहास अिराण, अिराक आनी पूर्व आशिया मायनरांत हजार भर वरसां पळोवंक मेळटा. (हो अिण्डो–अिरानियन काळ) ताजे आदिच्या पांचशें ते हजार वरसांच्या अितिहासाचोय अदमास काडूं येता. (हो अिण्डो–युरोपियन काळ)

अिण्डो–युरोपियन भाशे कुळाच्या लोकांचे म्हालगडे कोण आनी कशे आशिल्ले, ते खंयचे मुस्तांत अेकठांय रावताले, कशे रावताले, तांगेलो मूळ वाठार खंयचो आशिल्लो, लिंग्विस्टिक्स पॅलियन्टोलजिच्या (अुतरांच्या अभ्यासांतल्यान मनीस कुळ्यांच्या अितिहासाचेर आनी संस्कृतायांचेर अुजवाड घालपी शास्त्राच्या) आदारान अिकुणिसाव्या शेंकड्यांत आनी विसाव्या शेंकड्याचे सुरवेक जाणकारांनी खब अदमास काडले. ह्या वावराक लागून कितलींशी अितिहासीक तथ्यां वयर सल्लीं. पूण खूब कडेन ह्या अदमासांचें खरेंपण तपासून पळोवंक वाव नाशिल्ल्या कारणान ह्या अदमासांक अदमासांच्याच अंतराचेर दवरचें पडटा.

ख्रिस्ता आदीं देड हजार वरसांच्या अदमासाक आर्य पयलेच अिराणांतल्यान पजाबा वटयां भारतांत भितर सरिल्ले आसूंक जाय अशें म्हणटात.

आर्य भारतांत येवन रावंक लागचे पयलीं हांगा हेर भाशे कुळांचे लोक येवन वशिल्ले. ह्या अनार्या कडल्यान आर्यांनी खूब कितें कितें घेतलें. तांकांय खूब कितें कितें दिलें. हांतूंतल्यानच भाशे कुळांच्यो आनी वंशाच्यो शिमो मेरो हुपून भारतीय संस्कृताय घडली. जाणकार म्हणटात, भारतीय संस्कृतायेच्या घडपांत आर्या परस अनार्यांचो वांटो चड : कर्म आनी पुनर्जन्माचो विचार, योगाचें शास्त्र हिन्दू पुजा, हिन्दू भेस (साडी, पुडवें), हें सगळें मुळांत अनार्य.

पुविल्ल्या काळा सावन भारतांत चार भाशे–कुळां सांगातान जियेतात :

१) ऑस्ट्रिक (खासी, कोल वा मुंडा बोलयांचें कूळ)
२) द्रविड (तमीळ, मलयाळम, कन्नड, तेलुगु, गोंडो बी बोलयांचे कूळ)
३) टिबेटो – बर्मन (मणिपुरी, नागालँडांतल्या बोलयांचें कुळ)
४) अिंडो – आर्यन (पंजाबी, हिन्दी, बंगाली, अुडिया, आसामी, गुजराती, मराठी, कोंकणी बी बोलयांचें कूळ)

ह्या चारुय कुळांच्यो भासो पुविल्ल्या काळासावन अेकांमेकांकडेन दिवप घेवप करुन वाडल्यात. हे घोळणुकेक लागून तांचेर जायते अखिल भारतीय (पॅन अिंडियन) संस्कार जाल्यात. ह्या भौ–भाशिक वाटारांत वेगळ्या वेगळ्या कुळांच्या ह्या भासां भितर आशिल्ल्या थळाव्यापणाक लागून भाशा–शास्त्रज्ञ भारताक ' भाशिक वाटार ' लिंग्विस्टिक अेरिया) लेखतात. (०)

आर्य भारतांत आयले तेन्ना तांगेली भास अिंडो–अिरानियन पांवड्यार आशिल्ली. पोन्ने परशियन भाशेक आनी अवेस्तन भाशेक खूब लागींची आशिल्ली. भारतांत येतकच तिजो वेगळो प्रवास सुरु जालो. अिंडो– आर्यन पांवडो सुरु जालो.

भारतांत आयिल्ले त्या काळा सावन आर्यां भितर बोलिंचे फरक आशिल्ले जावंक जाय अशें म्हणटात. ब्राह्मण बरपाच्या काळांत (ख्रिस्ता आदीं १००–६०० वरसांच्या अदमासाक) वेदांतल्या कविताचे बोलये (छांदस) भायर संस्कृत भाशेच्यो तीन थळाव्यो बोलयो आर्याभितर घोळटाल्यो – अुदिच्य (अुत्तरें कडली), प्राच्य (अुदेंते कडली) आनी मध्यप्रदेशीय. ह्या थळाव्यांभेदांतल्यान मुखार प्राकृत बोलयो भायर सल्ल्यो अशें आमच्यांनी म्हणूं येता. अुदिच्य बोली छांदसाक लागिंची जाल्यान तिका शुद्ध लेखताले. ख्रिस्ता आदल्या पांचव्या शेंकड्यांत अुदिच्याचेर आदारुन पाणिनीन संस्कृत भाशेचें व्याकरण बरयलें. बुद्धान प्राकृताक वयर काडली. पूण संस्कृत आनी प्राकृत हांचो खेरीतपणान विचार करूंच नज. दोगीय अेकामेकांकडल्यान पोसवण घेत आयल्यात. आदलें सरस्पत राखून दवरूपाचे गरजेक लागून संस्कृत बरपांत थिरावली प्राकृत जिबेर जियेलो हें खरे पूण अुतारावळिच्या मळार दोगीय अेकांमेकांक गिरेस्त करीत आशिल्ल्यो.

पोरण्या संस्कृत नाटकांनी (मगळयांत पयलीं नाटकां पयल्या शेंकडयाच्या अदमासाक बरयल्लीं मेळटात) शौरसेनी, मागधी महाराष्ट्री, पैशाची बी प्राकृत बोलयो पात्रांच्या तोंडांत घाल्ल्या मेळटात. पोरण्या संस्कृत व्याकरणकारांच्या बरपांतूय ह्या बोलयांचो पालिचो बी अुल्लेख मेळटा. आविल्ल्या अिण्डो आर्यन भासांच्या पाळांमुळांचो थाव घेताना ह्या प्राकृत बोलयांचो वाटार खंयच आशिल्लो जांवंक जाय ताजो अदमास लावपाचो जाणकारांनी यत्न केला. हाजे खातीर शिलालेखांचोय आदार घेतात. पूण शिलालेख तजंय मेळिल्लो आसता, थंयचे थळावे बोलयेंतल्यानूच बरयल्ल आसता हाजें खरेंपण नासता देखीक, मध्यभारतांत मेळिल्ल अशोकाच्या काळांतलें शिलालेख अुदेंते कडले प्राकृत भाशेंत बरयल आशिल्ले. हीच प्राकृत अशोकाचे राजवटींतली राजमान्य भा आशिल्ली सुनितीकुमार चटर्जी (१९६९) म्हणटात, प्राकृत काळा तल्यान आविल्ल्या अिण्डो–आर्यन बोलयांचो थाव घेवचे पर आविल्ल्या अिण्डो–आर्यन बोलयांतल्यान प्राकृत काळाचो अदमा लावप चड शाणेपणाचें.

अिण्डो–आर्यन अुप–कुळ आनी कोकणी

अिण्डो–आर्यन अुप–कुळांत कोंकणिची सुवात खंयची थारायतना डॉ. सुमित्र मंगेश कत्रे (१९६६) हाणी केल्लो वा नदरेंत भरता. ताणी कोंकणिच्यो स बोलयो पतीक घेवन आविल्ल भाशा–शास्त्राचे पद्दतेन तिच्या अितिहासाचेर अुजवाड घाला.

कोंकणिचे बांदावळिच्यो बारीकसाणी नियाळून पळो जाल्यार तिका मराठी, गुजराती आनी सिंहालीस भासां वांग आविल्ल्या अिण्डो–आर्यनाच्या दक्षिण–पश्चिमेकडल्या वांटा

बसोवची पडटा. मध्यदेशीय वांटग्याचींय कांय आंगां आमकां कोकणींतं पळोवंक मेळटात. देखीक– का हो कोंकणी विभक्ती प्रत्यय (म्हाका, तुका)– को ह्या हिन्दी प्रत्ययावरी मझको, तुझको...)

मराठीक लागिची आसून लेगीत कोंकणी अेक स्वतंत्र भास म्हणपाचें तिगेले बांदावळीची मराठी कडेन सर करून दाखोंव येता. देखीक,

पुल्लींग नामांतल्या कोंकणी – आँ चे सुवातेर मराठींत आमकां –आ मेळटा :

कोंकणी	मराठी	संस्कृत	प्राकृत
दिवो	दिवा	दीपक	दीवओ
किडो	किडा	कीटक	कीडओ
घोडो	घोडा	घोटक	घोडओ
कांटो	कांटा	कण्टक	कण्टओ

गुजरातींतूय आमकां कोंकणीवरी–ओ मेळटा. हे तरेच्या नामांच्या भौवचनांत मात कोंकणी मराठी वरी चलता :

कोंकणी	मराठी	गुजराती
अे. व. घोडो (–ऑ)	घोडा (–आ)	घोडो (–ओ)
भौ. व. घोडे (–अॅ)	घोडे (-अे)	घोडा (–आ)

२) मराठी सादया वर्तमानकाळांतल्या अेकवचनांत लिंगाचे भेद दाखयता. कोंकणी दाखयना. हांगा कोंकणी गुजरातीवरी चलता. ही चलणूक संस्कृत भाशेचे चलणुके वरी :

कोंकणी	मराठी	गुजराती
(हांव) करतां	करतों/त्यें/तें	करूं छुं
(तूं) करता	करतोस/त्येस/तेस	करे छें
(तो/ती तें) करता	करतो/त्ये/ते	करते छे

३) कोंकणीत आनी मराठींत दिसपट्टीं घोळपी खूबश्या अुतरांची मुळां वेगळी वेगळीं :

कोंकणी	संस्कृत	मराठी
आपय	आव्हय	बोलव
धवें	धवल	पांढरं
हडवें	हरिद्रा	पिवळें
जोर	ज्वर	ताप
कुळार	कुलागार	माहेर
फातर	प्रस्तर	दगड
गीम	ग्रीष्म	उन्हाळा
व्हर	हर	नेणे

अेकेच प्राकृतेच्यो बोलयो आसून लेगीत कोंकणिचो आनी मराठिचो विकास बेगळे वेगळे बशेन जाला म्हणपाचें असल्या बारीकसाणींतल्यान आमच्यांनी दाखोवन दींव येता. आर्विल्ले अिण्डो-आर्यन भाशेच्या विकासांतलीं खुवशीं आदलीं रूपां कोंकणीन सांबाळून दवल्ल्यांत अशें डॉ. चव्हाण (१९२३), डॉ. कत्रे (१९६६) सारकेल्या जाणकारांनी आपणाल्या अभ्यासांतल्यान दाखयलां.

अितिहासीक भाशाशास्त्राची वावरा – पद्दत

अितिहासीक भाशाशास्त्र दोन तरांनी आपणालो वावर करता

१) पोरणी बरपावळ नियाळून

२) भाशेच्या बोलिंचो अभ्यास करून.

१) साहित्याचें गिरेस्त दायज आशिल्ल्या भासांनी हे पद्दतेन वावर करपाक वाव आसा.

सतराव्या शेंकड्या सावन आमकां कोंकणींत साहित्य मेळटा. ह्या साहित्याच्या आदारान त्या काळार कोंकणिचें रुप कशें आशिल्लें जांवये हाजो आमच्यांनी अदमास काडूं येता. पूण बरपावळ नियाळून केल्ल्या ह्या वावरांत कांय अडचणी आसतात. सगळ्यांत मोटी अडचण लिपयेची. नादनिष्ट लिपी मेळप भौ कठीण. नाशिल्ले नादांभेद दाखोवपाच्या आनी आशिल्ले लिपोवपाच्या लिपयेच्या सभावाक लागून तिचेर आमच्यांनी चड पातयेवन रांव नज. आयज लेगीत ह्यो अडचणी आमकां जाणवतात. देखीक ऋ, ष हे नाद कोंकणींत नात. तरी आसतना कोंकणी बरपांत आमकां हीं अक्षरां मेळटात. कोंकणींत ' अ ' दोन ' अे ' आनी दोन ' ओ ' नाद आसात.

देखीक : ती तेंफळ , तें तेंफळ
ती आंतेर , तें आंतेर
ती बोर , तें बोर

बरोवपाची तरा अेकूच आसली तरी ' तेंफळ ', ' आंतेर ' आनी ' बोर ' ह्या अुतरांतल्या – फ – , –ते– आनी वो – ह्या अक्षरांतले अ, अे आनी ओ दोन तरांचे म्हणपाचें अुलयतना आमी विसरनात.

लिपयेंचें आनीक अेक अुणेपण म्हळ्यार तिगेलो रूढीवादी सभाव. जिबे वयली भास बदलता. लिपी तशीच अुरता. हो सभाव जायतीं अितिहासीक सतां लिपोवन दवरता.

२) बोली भासांच्या अभ्यासांतल्यान भाशेचो अितिहास अुक्ताडा हाडूं येता. देखीक,

i) ' दिवन ', ' शिवन ', ' करून ', ' हाडून ' हीं अुतरां गोंयच्या सारस्वतांच्या बोलिंनी बरंजनांनी सोंपतात जाल्यार मंगळूरकार सारस्वतांचे बोलयेंत अु स्वरान सोंपतात : ' दिवनु ', ' शिवनु ', ' कोर्नु ', ' हाडगु ', हे बशेन हांतलें अुकारान्त रूप आदलें रूप. पुर्विल्ल्या साहित्याच्या आदारानूय आमच्यांनी हें दाखोंव येता. फा. मिगेल–द–आल्मैद हांगेल्या ' वनवाळयाचो मळो ' (१६५८) ह्या पुस्तकात ' मागुनु ', ' येअूनु ' सारकेलीं अुतरां मेळटात. ' अु ' अुरप वा गळुन पडपवयले वयर पळेल्यार ही सामकी ल्हान गजाल. पूण हे गजालेचो भाशेच्या रूपाचेर, सिलविक पॅटर्नावरवीं भाशेच्या तालाचेर परिणाम जाता. भाशेच्या अभ्यासांत असल्या सगल्या बारीकसाणींक म्हत्व आसता.

ii) गोंयच्या कांय कोंकणी बोलिंनी अे, अॅ, ओ, ऑ, अ, अ ह्यो स्वरांच्यो जोड्यो वचन लिंगाचे व्याकरणी भेद दाखयतात देखीक,

देर	(अे. व.)	,	दॅर (भौ. व.)
मोर		,	मॉर
फातर		,	फातर
पेर	(स्त्री.)	,	पॅर (नं.)
बोर		,	बॉर
तेंफळ		,	तॅफळ
पोर	(पु.)	,	पॉर (नं)
माकड		,	माकड

गोंयांभायल्या कोंकणी बोलिनी आमकां ह्या स्वरां भितर हे बशेंचें नातें पळोवंक मेळना. हाजो अर्थ, हो गोंयचे कोंकणीत आविल्या काळांत जाल्लो बदल.

अितिहासांतल्या घडणुकांक लागून कोंकणीक बोलयांचे गिरेस्त दायज मेळ्लां. बोलयांच्या आदारान अितिहासीक सतां सोदपाच्या वावराक कत्रेंनी नमन घालां. हो वावर आनीक मुखार व्हरपाक खूब वाव आसा.

भाशेचे बदल : तरा

भास दोन तरांनी बदलत वता :

१) आपले आपूण.

२) हेर भासांकडेन संबंद आयिल्यान– 'बॉरोंअिंगा'क लागून.

१) 'कर्ना' (करना) चें 'कन्ना' जावप हो भाशेंत आपले आपूण जाल्लो बदल 'अॅसिमिलेशना'क लागून घडला. र आनी न दोनूय दांतये नाद पूण ह्या नादांच्यो जाती वेगळ्यो. अुच्चारपाच्या सोपेपणाक लागून अेक नाद आपणाली जात सोडून दुसऱ्या नादाचे जातींत भरसून वता. हें अॅसिमिलेशन वयर दिल्ले देखींत 'र' न आपणाली जात सोडिल्ल्यात 'न' चो अुच्चार दोट्टी जाला. अॅनेलॅजीक लागुनूय भास बदलता. (लेखाचो निमाणो वांटो पळोंवचो.)

२) हेर भासांकडेन संबंद आयिल्यान अेक भास दुसरे भाशेचे नाद, अुतरां, बांदावळीची मांडणी आपणायता– 'अुश्णी' घेता.

लेखाच्या दुसऱ्या वांटयांत सांगिल्लेप्रमाण भरसणूक ही कोंकणीक तिच्या कुळाच्या दायजानूच मेळ्ळचा. आविल्या काळांतूय कोंकणिचो जायत्या भासांकडेन लागसल्लो संबंद आयला. कोंकणी अुतरावळींत तर अुशण्या अुतरांची रास भल्ल्या. देखीक, 'बरय,' 'दुडू' हीं निजाचीं द्रवीड अुतरां (कन्नड 'बरी' 'दुड्डू' 'बिकार– भासो' 'वोगोत' हीं मुदलांतली अरबी अुतरां 'बेकार• बहस' वक्त).

पुर्तुगेजीकडल्यान कोंकणीन जायतें अुश्णे घेतलां. अुतरां सुमारा भायर घेतल्यांत. अुतरां घडोवपाची माण्णीय घेतल्या, देखीक, 'पिकासांव,' 'फुगासांव' ही अुतरां पुर्तुगेजीत आसात. पूण ह्या नमुन्याची 'गुड्डिलासांव,' 'कातकिसांव' हीं अुतरां कोंकणी. तीं घडोवपाची कळाशी मात पुर्तुगेज. क्रिस्ताव समाजाचे कोंकणीचेर पुर्तुगेजिचो चड प्रभाव. हो वावयाचे बांदावळींत लेगून दिश्टी पडटा. देखीक, 'वोर्तोता जो नीज गोंयकार, कुरू ताजी शेतकार, 'हो जावन आसा घातकी आनी न्हूंय तुमवें बरें मागतो'

मेसर्स अनंत नरसिंह नायक असोसिएटस्

मडगांव–गोंय.

▣ तार : बाबू

▣ फोन : ऑफिस : २२१७१, २१३३५
घर : २२३१२

✻ मुडीस च्या ✻ प्रेस्टीज प्रेशर कूकर ✻

✻ क्वालिटी बिस्कीट आनी बाऊन्स दूध पावडर ✻

ह्या उत्पादनाचे गोंयचे एकमेव वितरक

दोतोर राम मनोहर लोहियांची चीट गोंयकाराक.' कत्रे म्हणटात, कोंकणीक आपणालें अशें साहित्य त्या काळार नाशिल्लें देखून हें अशें घडिल्लें आसूंक जाय. पुर्तुगेजांआदीं कोंकणीत सरस्पत आशिल्ली ताका पुरावो ना.

अंक्विजिसांवरा वेळार गोंया भायरे जाल्या गोंयकारांचे कोंकणीचेर त्या त्या थळाव्या भासांचो प्रभाव पडलो. मंगळुरांतले कोंकणीचेर कन्नड भाशेचो छाप पडलो आनी कोचिनांतले कोंकणीचेर मलयाळम भाशेचो. भाशेच्या हेळयांतूय (अिंटोनेशनांत) हो प्रभाव दिश्टी पडटा.

मुंबयकार गोंयकाराचे कोंकणीक खूब फावटी मराठिची सया मारता. 'तूं म्हाका तें दी न्ही' सारकेली वाक्या मराठी निजाचेर वेतिल्लीं.

हेर भारतीय भासांवरी आज कोंकणीय अिंग्लेजिच्या प्रभावांत आयल्या.

खंयची भास/बोली खंयचे भाशे बोलयेकडल्यान कितें, केन्ना, कित्याक अुणे घेता हें समजून घेवपाक आमकां सामाजिक भाशा-शास्त्राचो (सोश्यो लिंग्विस्टिक्स्चो) आदार घेंवचो पडटा.

भाशेच्या बदलाच्यो दिको :

भास केन्ना अेका रूपांत थिरावना. ती बदलत आसता. बोलयांच्या अभ्यासावयल्यान तिज्या बदलाच्या दिकांचो अदमास लांव येता. देखीक आयज गोंयचे कोंकणींत 'करना' 'कर्ना' 'कन्ना' ही तिनुय रूपां घोळटात. फाल्यां हांतुंतलें खंयचेंय अेकूच रूप तगून अुरून बाकिचीं रूपां अितिहास भरवण जांव येतात. 'कन्ना' हे रूप तगून उरपाचो चड संभव. उच्चारपाच्या सोपेपणाक लागून. पुण हें सगळें बोलयेच्या स्भावाचेर आदरिल्लें आसता. 'करना'चें 'कर्ना' जाता तेन्ना बोलयेचो सिलबिक पॅटर्न बदलता. तिजो ताल बदलता. ताल सोडपाक बोलीसपसप तयार नासता.

नवेंच भास शिकपो भुरग्याच्या अुलवपांतल्या चुकींतल्यायूय केन्ना केन्ना बदलांच्यो दिको झळकतात. भुरगें भाशेंतले नेम आत्मसात करता आनी अशें करतना खूब फावटी आडवादांकूय ह्या नेमांनीं बांदून हाडटा. वा ह्या नेमाचेर आदारून नवीं अुतरां घडयता (अॅनलॉजिकल क्रियेशन्स). देखींक, 'हाव करतां हांव करना' ह्या नमुन्याचेर आदारून भुरगें हांव करतलें : ना' म्हणटा. 'रावप : रावव्प,' 'तापप : तापवप' हाजेर आदारून 'भिवप : भिववप (भेष्टावप)' 'जेवप : जेववप (लावप) 'फुटप : फुटवप (फोडप) म्हण्टा. हीं रूपां फुडाराक घोळणुकेंत येंव येतात.– सांव लावन केल्लीं 'गुडिलासांव' कातकिसांव 'हो अुतरांय अशीच घडल्यांत. क्लिनर' ह्या अुतराचें कोंकणीत' किलींडर जालां. हें अुतर 'कंडक्टर' अुतराच्या नमुन्यावयल्यान आयिल्लें आसूं येता.

संदर्भ साहित्य

कोंकणी : केळेकार, रवीन्द्र : ९७४ भौ भाशीक भारतांत भाशेचें समाजशास्त्र : कोंकणी भाशा मंडळ.

मराठी : केळकर, अशोक रा. १९८३ वैखरी मॅजेस्टिक बुक स्टॉल.

अिंग्लीश : Benveniste, Emile. 1971 Problems in General Linguistics Uni of Miami Press– 1973 Indo-European Language and Society. London : Faber.

Bynon : Theodora, 1977 Historical Linguistics Cambridge Uni. press

Chatterji : S. K 1969. Indo-Aryan and Hindi Firma K L. Mukhopadhyay

Chavan : V. P. 1923. The Konkan and Konkani Language Anthropological Society of Bombay, Vol, XII 853-907.

Emeneau : M. B. 1956 India as a Linguistic Area in Language in culture and society ed. D Hymes Allied Publishers 1964.

Katre : S. M. 1966 The Formation of Konkani, Deccan College Poona

Rcbins : R. H. 1982 A short History to Linguistics Longman

Sardesai : Madhavi 1986 Some Aspects of Konkani Grammer M. Phil Thes's Dept. & Linguistics, Oeccan College, pune.

x आविल्ल्या भाशा-शास्त्राची नदर आनी मोख समजून घेवपाक हे दोन लेख वाचचे :

1971' A Look at the Development of Linguistics, – Emile Benveniste. 'आधुनिक भाशाविज्ञानाची परंपरा, - आशोक रा. केळकर १९८३. ह्या मळार अॅमिल बॅवेनिस्त (१९७३) हाणी केल्लो वावर भौ मोलाचो.

x x सगळ्यांत पयलीं भारतांत नेग्रितो लोक आयिल्लो अशें म्हणटात. आंदामानीस भाशेंत तागेल्या भाशे-कुळाचे अंश मेळटात. पूण संस्कृतायेचे नदरेन भौच फाटीं आशिल्ल्या कारणान आर्या आदीं आयिल्ल्या ऑस्ट्रिक आनी द्रविड कुळां मूखार नेग्रितो आपणालें खाशेंलपाण सांबाळून दवरुंक पावले नांत. आर्याकि ते मेळिल्ले म्हणपाचेंय खरेपणान सांगू नज.

[0] India As a Linguistics Area हो M. B. हांगेलो लेख वाचचो.

गोंयची समाज-बांदावळ-क्रिस्तांव उपसमाज-सामाजीक जीण

– डॉ. ओलिव्हीन्यू गोमिश्

गोंयचो समाज म्हळ्यार सावार वंश्यांच्या मेळगरांतल्यान तयार जावन आयिल्लो थाळावीक जमो म्हणूं येता. असो मेळून मिसळून ताका सर्वसाधारण अेक रूप अशें आयिल्लें, मुसलमानाचें थोडें प्रमाण कुशीक दवल्लें जाल्यार, ज्या काळार फिरंगी हांगा पावून सल्लें. जरी ताणीं गोंयकारांच्यो रीत–रवीसो राखून दवरपाची भास दिल्ली आनी कांय मापान ती पाळ्ळी, तरी १५४१ वर्सा थावन गोंयांत जाबन आयिल्ल्या ख्रिस्ती धर्मांतरांक लागून, ह्या अेका समाजांतल्यान आनीक अेक ' क्रिस्तांव ' उपसमाज निर्माण जालो.

सोळावो शेंकडो सोंपता म्हळ्यार, त्या काळांत गोंयांत उरिल्ल्या रावतल्यांनी चडश्या प्रमाणात राज्यकर्त्यांचो धर्म आपलो केल्लो. जरी बाटयल्याचे -अशे पुरावे अजून बरोवपांत सांपडलेनांत, तरी नव्या धर्मांत भितर सरपाचे सूक्षीम दबाव चड करुन वयल्या जातींच्या गांवकाऱ्याचेर हाडिल्ल्याची सुचोवणी मेळटा. ताणी घेतिल्ल्या थारावणे प्रमाणें, ह्या उंचल्या जातींतले लोक पयले-वयले क्रिस्तांव जाले म्हणपाचें त्या वेळच्या कागद पत्रावेल्यान कळटा. ताचे फाटोफाट खंय हेर जातींतल्या लोकांनी क्रिस्ती धर्माची दीक्षा घेतली. हे धर्मांतरीत नव-क्रिस्तांव जाती–भायरे जांवचे न्हय म्हणपाच्या हुस्क्यान, तांका वेगळे काडून संघटीत करचे खातीर म्हणून Confraria de Santa Fe म्हळ्यार ' पवित्र धर्माची संघटना ', ह्या नांवाचो, १५४१ वर्सा, अेक संस्था स्थापली.

अशे रीतीन, आमच्याच लोकांतल्यान गोंयांत धर्माचेर आदारून नव्या क्रिस्तांव उपसमाजान आंग धोतलें, जरीय फिरंगी येवचे आदीं हांगा काय क्रिस्तांव लोक आशिल्यांची नोंद मेळटा. कित्याक तुमकां खबर आसतली कि येवरोपाक पावचे आदीं, ४२ वर्सा, संत थॉमस आनी बार्तोलोमेव, ह्या जेझु क्रिस्ताच्या शिष्यांनी भारतांत क्रिस्ताचो संदेश पावयल्लो पुण फिरंगी पाद्रींनीं ह्या नव-क्रिस्तांव लोकांक कायदे हुकूम काडून आडे-वेडे घालून दवल्ले, ताणीं आपल्या अजून हिन्दू आशिल्ल्या सोयऱ्यां धायऱ्यां कडेन आनी भटां-गुरवां लांगीं कसलेच संबंद दवरचे न्हय, हे हेतून. तशेंच तांज्या न्हेसपांत–वागपांत, जेवणा–खाणांत गावपा –नाचपांत, आचार विचारांत ताणी सामके बदल करचे म्हणपाचें 'अिकिझिसांव' ह्या चौकशी–मंडळान कडक हुकूम काडिल्ले. ह्या नव्या उपसमाजाक आपल्या नीज पाळां मुळांतल्यान ताकता तितलो पयस करपाचे सतत प्रयत्न जाले, लग्न–कार्यांत ते चालीरीती मेरेन. पुण चडशे सुफळ जालेनांत, जरी समाजाचो भावनीक अेकचार दोळ्यात भरी-सारक्या प्रमाणान भंगलो.

हो नवो धर्म आपल्या शास्त्राप्रमाणें सगळ्या मनश्यांचें अेकसारखेपण मानतालो. तरी हांगाची जाती वेवस्ता अितली कडक आशिल्ली पळोवन, तो तिका शरण पावलो. तिच्यो आडे–वयों मोडपाच्या कामांत पाद्रींक येस आयलेंना. निमाणेकडेन ताणी ही वेवस्ता आपली येवजण फुडें व्हरपाक उपकारावपाची तजवीज केली गोंयच्या क्रिस्तांव उपसमाजांत सुमार तीनशें वर्सा पाद्रीं जावपाचे उमेदवार फकत बामण आनी चाड्डी आसचे पडटाले, हेरांक ती मेकळीक हालिच्या काळार मेळ्ळ्या कांय अपवाद सोडले जाल्यार धर्मांतर जाल्याउप्रांत ही वेवस्ता कायम उल्ली, धर्मांतर करतना फिरंग्यांनी ३३ बामणांच्या आनी ४५ चाड्यांच्या गांवकाऱ्यांक क्रिस्ती धर्मांत भितर घेतिल्लें. त्याभायर हेर गांव-काऱ्योय क्रिस्तांव जाल्ल्यो जांतूंत हेर जातीचेंय भागलेपण ' गाव-कार ' जाल्ल्या नात्यान आसलें. ह्या उपसमाजांत वयल्या पांवडचार ह्यो दोनूय जाती मिरयताल्यो आनी तांच्या सकला ' गावडो ' म्हणून वैश्य जातीत सरी करपाची जात आसली. ताच्या खाला वावर धांध्याचेर आदारिल्ल्यो सावार सुदीर जाती आसल्यो. त्या भायर आदिवासी जमातींतल्यान आयिल्ले कुणबी जे ' गावडी ' हाचें क्रिस्तांव रूप आसा. ही वेवस्ता चडशी बदल्ली ना, जरी काम-धंध्यांत आनी शिक्षणांत चित्र जायते बदलत आसा.

हे वेवस्तेचें पडबिंब शेतां–माटां–बेसां वांटपांत दिसतालें. वयल्या तीन जातींतले लोक जमनीचे धनी जावन आसात, चड्उण्या प्रमाणात जांवये. हेर लोक तांचे पांगेक वो तांचे मुंडकार म्हणून तांच्या भाटा कडक्यांत रावताले. तरी गरजे–ताकतिकेक अेकामेकाक पावपाची पंरपरा चलत आयिल्ली. हें चित्र फाटल्या २५ वर्सां–काळांत बदल्लां. सकयल्या मानिल्ल्या लोकांकडेन दूडू आयला तशेंच ताका शिक्षण फाव जालां आनी राजकी आनी समाजीक मळार तांची परिस्थिती सुधाल्ल्या.

लग्नाच्या वेळार जाती भितरूय लग्नाचे बांदपास जावपाक लागल्यात आनी सकयल्या पांवडचाचेर आशिल्या उप–जाती मदीं लग्नां जावंक लागल्यांत आनी तशीच परिस्थिती उत्तम आसल्यार वयलें–सकयलें अंतर लेगित ना करपाचे भोव थोडे अशे सुफळ प्रयत्न जाल्यात. जातीचें बंधन आतां आदल्या अितले कडक उल्लें ना. अितलेंच न्हय, हिन्दू क्रिस्तांव लग्ना जावपांत आदीं समाजा कडल्यान आनी धर्मीक अधिकाऱ्यांकडल्यान जो विरोध आशिल्लो तो आतां उणो जाला.

जाती-वेवस्तेचो प्रभाव अजून अिगर्जेक लागतल्या Confraria चेर आसा. ही अिगर्जेक परब आनी सगळ्यो विधी पळोवपी सांगडयांची संस्था. ती गांवकारपणाचेर वो थारावीक जातीचेर आदारिल्ली आसा. आदल्या हिन्दू म्हाजन-मंडळ वा देवस्थान समितीचें तें क्रिस्ताव रूपांतर. मुखेल कोंफ्रारीक म्हळ्यार वयल्या जातीच्या वो गांवकार भावांची आशिल्यान, त्या त्या अिगर्जेच्या पातरोनाचें (म्हळ्यार ग्रामदेवता) फेस्त करपाचो हक तिका आसा. हेरांनीय तो मागिल्ल्यान गांवचे समाजीक जीणेंत आतां तणाव निर्माण जाला. वयल्यो जाती आपल्या पूर्वजांकडल्यान पसून आयिल्ले हक सोडपाक तयार नात कित्याक कोंफ्रारीय बरवीं तांका धर्माच्या विधींनीं कांय सवलती मेळटात ज्यो तांका बरोवन दवरिल्ल्या कायदयां प्रमाणें फावो जातात.

कोंफ्रारीय गांवां-गांवची मुखेल फेस्तां करता, तशेंच सगळ्या क्रिस्तांवांक लागतल्यो मुखेल परबो. तांतलीं पयल्या पांवडयाची म्हळ्यार नातलांचो जेझू क्रिस्ताचो जल्म दिस जो वर्साच्या देझेंब्र म्हयन्याचे २४ वेरच्या मदयान रातो समारंभनात. जशें भाकणारांनी आदींकुडेंच सांगून बरोवन दवरिल्लें त्या प्रमाणे देवालो पूत जेझू क्रिस्त मनश्याचो अवतार घेवून संवसारांत जल्माक आयिल्लो तो दिस ते मदयान राती बरे बरे लोक अिगर्जेक मिसाक तावेत आनी भव्य वातावरणांत ती विधी पाळ्ळ्या उपरांत अेकामेकाक भेळून, हात दिवन वा पोल्यार उमो घेवन परबीं दिनात. थय नातलांचीं गितां म्हणत गावपी पांड लांनेर्नाचे दिवे घेवन घरां-घरांनी भोंवतात. समाजीक नाच आनी हेर पार्टी करपाच्यो कार्यांवळी जातात. दुसरे दिसा म्हळ्यार २५ तारखेक धरून कुंस्वार म्हणून तरेतरेच्यो खावपाच्यो वस्तू देखिक नेवच्यो, केक, फोली. बेबिक, दोदल आदी धाडतात. नाताळांची रूतू जानेराचे सवेर मेरेन चलता, जेन्ना रायांची परब गोंयांत रायतुरा, रेयश माग, कांसावली आनी चांदरा घणवणान जाता.

नातलां उपरांत म्हत्वाची परब म्हळ्यार पास्कां वो Easter जो दीस जेझु क्रिस्ताच्या पुनर्जिवंतपणाचो जावन आसा. त्या आदीं चाळीस दिसांचो कोरेस्म म्हणपाचो प्रायश्चित्ताचो काळ आसता जो गोवरा -बुधवारा (Ash Wenesday) सुरू जाता, आनी पवित्र सातोळ्यांत सोंपता. त्या सातोळ्याच्या बिरेस्तारा जेझूच्या कश्ट-दगदगांचो काळ सुरू जाता. हाका निमणो बिरेस्तार म्हणून वळखतात. त्या दिसा, जुदेयांनीं ताचेर बगलांट घालून ताका धरून व्हेलो आनी धर्मगुरु आनी अधिकाऱ्याचे सुवादीन केल्लो. ते सांजे अिगर्जेत लांबदीक विधी जाता, जांतलो म्हत्वाचो भाग म्हळ्यार शिष्याचें पांय-धूवप, जें त्या काळार जेझून केल्लें, ताचो अर्थ म्हळ्यार हेरांची आमी सेवा करची खालती जांवचे, हो. त्या आदल्या आयतारा, जो रामाचो आयतार म्हणून वळखतात, पांचव्यो चुट्टचो बेंजेर करतात म्हळ्यार त्यो पवित्र करतात आनी लोकां मदीं वांटटात. जेझू क्रिस्त जैतिवंत रीतीन जेरुझलें शारांत लोकांच्या जयजयकारान भितर सरिल्लो, ताची ही विधी याद करता.

जेझुच्या कष्टांची काणी व्हडल्या मूर्ती आदारान आनी माचयेर हाडिल्ले भशेन दाखयतात. ती सगळी खबर निमाण्या सुक्रारा (Good Friday) सांगतात. खुर्सार खिळायल्ल्या जेझू मूर्ती मुखार ह्यो दुखेस्त घडणुकांचेर गंभीर रीतीन आनी मौन पाळून नियाळ करतात. मागीर मूर्तीचें अनावरण करतात आनी उपरांत प्रार्थना करीत खिळे काडून घेवन, खुर्सायल्ली जेझू-मूर्त देंवयतात. उपरांत ते कुडी-मूर्तीचो उमो घेवपाक आनी कोमुन्याव वा प्रसाद घेवपाक रांगो लागतात. उपरांत, शेनवारा मदयान राती ती पास्कांची परब, जेझु खुर्सार मेल्या उपरांत तीमरे दिसा जिवंत जाल्लो तो दिस.

त्या उपरांत म्हत्वाची परब म्हळ्यार आगोस्ताची पंद्रा तारीख, ज्या दिसा मायबीण- मायचें कुडी रुपान सर्गार वचप समारंभात. ताच्या उपरांत देझेंब्राची तीमरी तारीख जी गोंयच्या सायबाची म्हळ्यार संत फ्रांसीस झावेराची परब करतात. थंय गोंयचो आनी गोंयां-भायलो ' नोवेना'च्या नव दिसांनी आनी फेस्ता दिसा चडूच गर्दी करतात. हेर फेस्तां गांवांगांवांनी पातरोनाचीं आनी हेर थळावीक परबो जातात. त्या भायर क्रिस्तांव समाजीक जिणेंत ' लादीन ' म्हणपाची, आर्धा दिवपाची विधी आसा जी घडये हिन्दु ' सत्यनारायण पूजेचें क्रिस्तांव रुपांतर जांवये. एक धर्मीक-समाजीक रुपाची परब म्हळ्यार सां जुयांव जो जुनाचे २४-वेर येता, जेन्ना पावसाच्या उदकान बांयों भरिल्ल्यो आसतना, आंबयापाना ताळे न्हेसून बांयत उडी मारून न्हावपाची चाल आसा.

तशें क्रिस्ताव समांजीक जीणेंत मुदलच्या धार्मीक संस्काराचें म्हत्व भोव वर्ते जावन आसा. तांतलो पयलो म्हळ्यार बौतीस्म वा बाल्तीम, जाचे वरवीं क्रिस्तांव पर्जेचें वांगडी जाता चड करून जल्माच्या अेका म्हयन्या भितर ही विधी करतात दोग गवाय घेवन, अेक दादलो आनी अेक बायल, जाकां पोदोर्न आनी मोदोर्न (god father & godmother) म्हणतात. पाद्री त्या भुरग्यांक उदकान भिजोवन आनी तेला थेंबो लावन, नांव दिता. पूत जाल्यार तीन फुगटयांचे मारान आनी धूव जाल्यार दोन मारपाचो नेम आसा. तशेंच तेन्ना गोडा-कातलेचो वांटपाची चाल आसा. आदीं वव्या दिसा ' मटी 'चीं जाग्रणां करपाची चाल आसली ती उणी जायत आसा. पयलें भुरगें जल्माक हाडपाक बायल कुळाराक बेताली आनी अजून बेता. बाल्तीम जाल्या उपरांत, ओजें घेवन ती घोवा घरा येता.

भुरगें आठ-अेक वर्सांचें जाता म्हळ्यार ताका क्रिस्ती धर्माचे मुळ धडे येवपाक जाय. ते नदरेन ताका अिगर्जे-कपेलाच्या अिस्कोलांत आयताराचें अेक दोन वरां हें शिक्षण घेवपाखातीर धाडटात, तशेंच घरांत शिकयतात. बरी-वायट करणी पातक-पूण्य, ह्या गजालींची ताका गरजेची वळख दितात, तशेंच बरे चाल-चलणूके विशीं धडे दितात. कुमसार कशें जावचें, हे विशीं शिकयतात. ही तयारी जाल्या उपरांत, भुरग्याक ' कोमुन्यांव ' वो क्रिस्त-प्रसाद घेवपांक लायक आसा म्हणाची ताची परिक्षा घेवन सांगतात. तेन्ना पिराजिताचो (प्रायश्चित) संस्कार वो कुमसार करून, जंय

ायट करण्यो वा पातकां केल्ली तीं सोपुता–खाल पाद्री कुमसरींत ायकून घेता आनी पातक्यान तांचो दुख धरून आनी ताका श्चाताप भोगून तांतल्यान ताका मेकळें करता वो भोगशिता. ागीर, धवीं–फुल्ल आंगवस्त्रां न्हेसून (नवरो आनी व्हकल कशीं), टयल्ली वात घेवन, सामुदायक रीतींन कोमुन्यांवचो संस्कार ेतात. ही विधी आनी ताचे भोंवतणच्यो समाजीक रीती घराव्याच्या ानी सोयऱ्यां–धायऱ्यांच्या रासवळ जीवितांत हो भोव म्हत्वाचो दवाजो.

ताचे उपरांत, भुरगें १६–१७ वर्सांचें जांवच्या सुमाराक, धर्माचे शिकोवणेंत आनी संवसारी जीवितांत बरे भशेन वागचे खातीर, ताका अखंड सभावाचें करचे खातीर क्रिस्म वो आयचे भाशेंत थिरावणी हो संस्कार दितात. तो फकत भिस्म–सायब दिता. आलोव तेलाचो थेंबो लावन भुरग्याची माखणी करता.

पांचवो संस्कार म्हळ्यार 'संतेमांव वा (Extreme Muction) जो मर्णा–तडीर पाविल्ल्याक दितात, ताका अध्या–त्मीक नदरेन आपल्याक रचतल्या देवाक मेळचे खातीर. सवो संस्कार पाद्री जावपाचो यजीकपणाचो, जो फकत भिस्म–सायब दिवंक शकता. जाचे वरवीं सेमिनारींत लांबदीक कोर्स केल्ल्या आनी पाद्री जावपाची बुद्धीक आनी नीतीक लायकिच्या मनश्याक मीस सांगपाचो आनी हेर धर्मीक विधी करपाचो अधिकार फावो जाता. सातवो संस्कार जाल्यार लग्नाचो वा काजाराचो संस्कार वा साक्रामेंत जो न्हवरो आनी व्होकल अेकामेकाक दितात, पाद्री आनी देवा मुखार दुखांत तशीं सुखांत, भलायकेंत तशीं पिडेंत, मरमर अेकामेकाक विस्वाशी रावतलीं म्हणपाचो, दोगां गवायां मुखार तीं सोपून घेतात.

हो सातवो संस्कार घेवचे आदीं जायत्यो राटावळी लागतात त्यो तुमकां सांगपा गरज ना. पयली सोयरीक, मागीर वाटाघाटी करचे खातीर हेर बारीकसाणी उलोवन थारावचे पामत न्हवऱ्याच्या घरा 'उतर' म्हणून जाता मागीर 'मुदी' म्हणपाच्या दबाज्यांत थारायल्ली दोत–वर्दक्षणां, देणें भांगार, दुडू मेजतात. व्हकल आनी न्हवरो अेकमेकाच्या बोटांत मुदी घालतात.

धर्माची आनी घर–गृहस्थींची शिकोवण घेवचे खातीर देतात.

लग्नाची तयारी दाखयल्या उप्रांत अिगर्जेत पाद्री मुखार तशीच आदीं–फुडें तांचे विशी पाद्री चौकशी करता कि लग्न जांवचे खातीर तांचेर कोणें दबाव ना आनी तीं नीतीक आनी हेर नदरेन लायक आसात तेन्ना 'registo civil' कचेरींत वचून, गवांयां सांगातीं, अधिकाऱ्या मुखार आपली लग्न–जावपाची अिस्मा पर्गटा–यतात. ती सांगणी अधिकारी गांवच्या पाद्रीक धाडटा. तेन्ना व्हकले न्हवऱ्याच्या राबित्याच्या अिगर्जेत पाद्री मभेमाजार अेक 'चीट वाचता. व्हकल न्हवऱ्याचें नांव, गांव आनी आवय–बापूय, हे विशीं म्हायती दिता आनी ह्या लग्नाक कनलीय आडखळ आसल्यार ती कळोवपाचें कर्तव्य आसा म्हुण सांगता.

व्हकलेन 'चुडो' घालमाचो दबाजो जाता. थंय तिच्या मनगटाक वळार (कांकोणकार) चड करून सात काकणां घालता. वयले जातींत ती सगळीं पांचवी आसतात आनी हेरांत सात रंगांची. तेन्ना फुलां माळटात आनी खासा पदां म्हणटात आनी व्हडील मनशां येवन 'बेंसांव' म्हळ्यार आशिर्वाद दितात. कांय कडेन हो दबाजो व्हकलेच्या मामागेर जाता. तेन्ना मामा 'ओजें दिवन भाचेक घरा पायता. मागीर चडश्या गोंयच्यां भागांत, साष्टी सोडून, 'साडो' म्हणपाचो दबाजो जाता, जंय अेका सुपुल्ल्या बाळक जेझुच्या मुर्ती मुखार, दर्जी व्हकलेचें काजाराचें न्हेसण शिवता आनी लोक येवन 'नमन' घालून 'जोती' म्हणपाचीं पदां म्हणटात. तसोच न्हवऱ्याचे केंस मारपाचो समारंभ आसा. उपरांत, लग्नाच्या आदले दिसा, न्हवऱ्याक तशो व्होकलेक, आप–आपल्याक घरा नाल्लारोस लायतात आनी न्हाणयतात.

त्या भायर 'भिकाऱ्या जेवण' दिवपाची चाल आसा. घरच्या मेल्ल्या-गेल्ल्यांनी आपल्या घरांतल्या दबाज्यांत वांटो घेवचो हे विधी फांटलो हेतू आसा. तेन्ना ताका प्रतिनिधित्व करतलीं भिकारी म्हणपासारकीं, गांवांतली गरीब मनशां आपोवन तांकां भरपूर वाडटात सांबराची कडी, सांजी, फळां, तेल, विडो, सोरो आनीक जायजाय तें दितात, खासा न्हवऱ्या–व्हकलेच्या हातांतल्यान.

लग्ना–दिसा, न्हवऱ्याली भयण आनी सांगातीण व्हकलेची धवी न्हेसोवण घेवन व्हकले–घरा वेतात आनी तिका थंय न्हेसयतात, मागीर घरच्यांचे आशिर्वाद घेतल्या उपरांत, काजराचो वर अिगर्जे वेता थंय न्हवऱ्याचो 'घोडो' फुलाचो तुरो घेवन व्हकले हातांत दिता आनी ताच्या पोल्याचो उमो घेता. उपरांत पाद्रीच्या आपो-वण्यान, व्हकल–नवरो अिगर्जेत भितर सरतात. आदीं जेन्ना तीं लहान पिरायचीं आसतालीं तेन्ना, तांका हाताक धरून वेदी मुखार व्हरपाची चाल आसली, व्हकलेक तिचो बापूय नाल्यार तिचो व्हडलो भाव व्हरतालो आनी न्हवऱ्याक ताची आवय नाल्यार व्हडली भैण व्हरताली.

वेदी (altar) मुखार दिबयेर पडून प्रार्थना करून, तांचे हात 'अेस्तोलान' बांदून, व्हकल–न्हवरो अेकामेकाक उतर दितात कि आपुण संदांच विसवाशी रावतलीं, जशें, वयर सांगला आनी आशिर्वादिल्ल्या मुदियो ती सांगणी करून अेकामेकाच्या बोटांत खोयतात. लग्ना–संस्काराची धार्मिक विधी सोंपल्या उपरांत, इर्ग-जीचे पटयेंत (parist Register) तांची नोंद करपाक जाय, गवाय आनी तांची निशाणी ते टटयेंत घालची पडटा. ताची कळो-वणी पाद्री मागीर Civil Registrar क धाडटा आनी लग्न कायद्यान पूर्ण जाता. मागीर थंयच्यान वर न्हवऱ्यागेर घरप्रवेश करता. जंय आगीं दिवपाची विधी जाता मागीर सालांत–हालांत–माटवात नाचपाचो दबाजो. थंय wedding march म्हणून सुरवात करुन सामाजीक नाच जातात आनीं लोकांत खाणापिवणां दितात. तांतलो मुखेल वांटो म्हळ्यार केक कातरपाचो आनी न्हवऱ्या–व्हकलेच्या भलायके खातीर वरें मागपाचो.

लग्नाच्या संस्कारा वरवी जर नवो संवसार घडोवक येता, तर ताचो अंत जोडियेच्या अेका मनश्याच्या मर्णांतल्यान सुरवात

जाता. मेल्या मनश्याक मात्येक लावचो, हो घरच्यांचो आनी शेजाऱ्या-सामाऱ्यांचो कायदो जावन आसा. मर्णाच्या आदीं तर 'मतेसांव' लायतात. मर्णा उप्रांत, न्हांवून-धुवून मेल्याक न्हेसयतात आनी लाकडी काशाबांत (पेटींत) घालतात आनी अेका उंच आसनाचेर दवरतात, सगळ्याचे नदरेक पडचे खातीर. घरांत रांदिनांत न्हय म्हणून चुलींत उजो लेगित करींनांत पुण भायल्यानच्यान घरच्यां-सोयऱ्यां शेजाऱ्यां कडल्यान जेवणाच्यो भुतयो येतात. तांतलें घरा आयिल्ल्या लोकाक वाडटात. पुण हाका साष्टींत आडवाद आसा. हांगा, घरा आयिल्ल्या लोकाची सोय करचे खातीर, त्या दिसा व्हडलें जेवण घरांतूच रांदतात.

पाद्री येवन, प्रार्थना करून, प्रेत-यात्रा अिगर्जेमेरेन वेता. थंय कांय जाण मीस करतात कांय जाण करींनांत, आनी मागीर सिमितरींत व्हरुन, प्रार्थना करून कूड फोंडांत देंवोवन, पुरतात वो निकिपितात. उप्रांत, जशीं हिन्दू 'श्राद्ध' आसता, तशें तीन दिसांचें, णव दिसांचें, म्हयन्याचें, तीन म्हयन्यांचें, स म्हयन्याचें आनी वर्साचें मीस मेल्याच्या आत्म्या खातीर भेटयतात. उप्रांत, वर्साक अक फावटीं.

मेल्या उप्रांत, जांच्यो संबसारांतल्यो अिस्सा पुऱ्यो जाल्योनात, तो भुतां-खेतांच्या रुगांत धर्तरेचेर भोंवडी करपाक येतात म्हणपाचो लोकां मदीं भावार्थ आसा. कांय भुतां लोकांचेर चड्डात आनी मागीर तो लोक झाकूंक लागतात म्हणपाचो विसवास वसता. हेर गजाली, म्हळ्यार घरांत भितर सरतना, उजवो पांय फुडें घालप, खंय भायर सरतना, मांजर दिसल्यार अपशकून मानप, दीश्ट बीश्ट जाता म्हणपाचो विश्वास, म्हाराक हाडून बखद मारप, दीश्ट काडपाक मीठ आनी तांबड्यो मिरवागो उंवाळप, आमच्या गोंयच्या समाजांत क्रिस्तांवां मदींय जाल्यार तशेच आसा. नाटुक रडल्यार कोणाचें वायट जावपाचें आसा वा कोण मरपाचो आसा, आनी घुघुम रडल्यार कोण मरपाक पावला वा कोणागेर चलीं-भुरगो जावपाचो आसा वा कावळो रडल्यार बरी खबर येतली आनी तो हागल्यार नशीब बरें म्हणपाच्यो खबऱ्यो ह्या उप-समाजांत मानतात. तीगां पुतां फाटल्यान अेका घराव्यांत धूव जाली जाल्यार तिका 'तिकलें' म्हणटात. ती जरी आपल्या आबय-बापाय्च्या घरांत सुखी जाली तरी ती घोवा-घरांत दुवी जातली, असोय समज चलता, पुण साष्टींत न्हय. आपल्या आडखळींक आनी प्रस्नाक जाप, असल्या गजालींनी थाकाय मेळचे खातीर, कांय लोक घाडियांकडेनूय आनी देवस्पण करतल्या लोकांकडेन वेतात.

असले आदल्या, पुर्वजांचे समाजीक-धार्मीक रुगाचे आचार-विचार आनी हेर गजाली क्रिस्तांवां मदी अजून वसतात. ताचेविशीं चड सांगपाची म्हाका गरज दिसना. पुण न्हेसपांत आनी जेवणा-खाणांत 'अिकिजिवांवान' फर्मायल्ले बदल घडोवन आयले ते उल्ले. हांतूंत फिरंग्याचें अनुकरण करपाची फेशन जाली. चली आंकवार आसतना विस्तीद घालतालें आनी लग्न जाल्या उप्रांत साडी नाल्यार कापड. पुण वयल्या जातींतलो शिकिल्लो-सवलेल्लो लोक लग्न जाल्या उप्रांतूय विस्तीद घालतालो. तांची देख घेवन शिकूं नाशिल्लो सकयल्या पांवडया-वेलो लोकूय लग्ना-उप्रांत विस्तीद घालूंक लागलो. पुण मुस्ती-उप्रांत जाल्यार, शिकिल्लो-सवल्लेलो वयल्या पांवडयाचो लोक आतां व्हवू व्हवू साडी न्हेसूंक घालूंक लागल्यात. दादले तर कालसांव खोमीस आनी फेस्ता-परबेक आनी लग्ना-कार्याक वा दांमाक सूटां घालतात.

जेवणा-खाणांत तर मासाचें पमाण क्रिस्तांवां मदीं चड भितर मळ्ळां जरी नुस्त्याक प्राधान्य आसा. सकाळी उंडो, मस्को, तातीं, चपाती, जेम आनी पेज आसल्यार दनपारां सोप, मास, भाजी आनी शीत-कडी नुस्तें आनी फळां खावपाची चाल आसा. दनपारचें तशें रातचें जेवण आमता मांजचे च्याये वांगडा कितेंय फराळ खावपाचो वा गोडशें असले कितेंय पदार्थ आसतात. जेवणा-खाणांत दूदाचे पमाण भोव थोडें, तशेंच भाजीपालाचे. दुद फकत पुडिंग, बेबिक असल्यो वस्तू करपाक वापरतात.

वयर सांगिल्ल्या प्रमाणें तुमकां कळून येतलें कि चडश्यां गजालींनी ह्या क्रिस्तांव उप-समाजान आपल्या आदल्या मुळच्या समाजांतल्यो समाजीक सस्माच्यो चाली-रीती राखून दवल्ल्यो, जरी हेर कांय गजालींनी त्यो दवाबाखाल बदलून घेतल्यो. आतां समाजीक-भावनीक पातळीचेर तरी हो उपसमाज आपल्या पाळा-मुळांकडेन अदीक अेकरुप जावचे खातीर फुडलीं पावलां पडपाक सगळ्यांची मदत मेळपाक जाय.

-✱-

संदर्भ : 'Village Goa' ' A study of Goan structure & change) by oliveira & f. Gomes
published by S. Chand & co.
Bombay - Calcutta, Madras etc

प्रस्नावळ : १) क्रिस्तांव उप-समाज केन्नाच्यान गोंयांत संघटीत जालो आनी कसो ?

२) गोंयच्या क्रिस्तांवांत जाती-वेवस्ता कशी उल्ली आनी तिचे परिणाम कितें ?

३) गोंयच्या क्रिस्तांव उपसमाजांत मोटचा घणघणान खंयच्यो दोन म्हत्वाच्यो परबो करतात ?

४) सात संवस्करांचो अेक-अेकल्याचो आपरोस सांगात.

५) लग्ना-कार्यां संबंदीं मुखेल समाजीक धार्मीक चाली रीती विशीं थोडचा भितर बरयात ?

६) गोंयच्या क्रिस्तांवां न्हेस्पाचेर आनी खाणा-जेवणाचेर तुमी कितें सांगू शकतात ?

७) गोंयच्या क्रिस्तांवाच्यो जायत्यो चाली रीती हिन्दू भाशेनच ते कशें तें सांगात.

गोंयचीं संस्कृतीक दायजां रंगमाची

– प्रकाश थळी

गोंयची रंगमाची ही गोंयचे अस्मितायेंचें एक म्हत्वाचें आंग. गोंयच्या मराठी नाटकाक खूब व्हडली परंपरा आसा जी महाराष्ट्राचे मराठी रंगभूयें वांगडा घडये मर्त करीत. नियात्राक सुमार शंबर वसांची परंपरा आसा. आधुनिक कोंकणी नाटक मात फाटल्या २०–३० वसांचें. तांतले तातूंत गोंय कला अकादमीच्या फाटल्या १०–१२ वरसाच्या महोत्सवांच्या निमतान कोंकणी नाटक चड फुलूंक पावलें. स्पर्धांनी तियात्र आनी गोंयच्या मराठी नाटकाकय कसदार करपाचो प्रयत्न जावंक लागलो.

गोंयची मराठी रंगमाची

महाराष्ट्राक नाटकाचें व्यसन आसा अशें अभिमानान सांगतात. एका काळार गोंयच्या हिंदूनी इतिहासीक कारणांक लागून आनी काळाची गरज म्हणून मराठी संस्कृताय आपणायली, आयजूय गोंयचो हिंदू समाज संस्कृतीक नदरेन महाराष्ट्राक सगळ्यांत चड लागीं रावला. गोंयची मराठी रंगमाची अजून ही परंपरा सांबाळटा. महाराष्ट्राच्या, चड करून कोंकणांतल्या खेडेगांवांनी नाटकां जशीं बसयतात, ताचेकय चड उत्साहान तीं गोयांत जातात. महाराष्ट्रांतल्या कंपनीच्या नाटकांकूय गोंयकार हिंदू गर्दी करतात. एका काळार कोंकण हो गोंयचो वांटो आशिल्लो हेंवूंय विसरूंक फावना

गोंयांन महाराष्ट्राक कलाकारांची आजवेर पुरवण केली, अजून करता. १९१३ त गंधर्व कंपनी चे पयले पड्डे रंगवनी! रघुवीर रामनाथकारांमाकून फाटल्या पाउणशीं वरसांच्या काळांत गद्य आनी संगित नट, पेटी, सारंगी, तबलें वाजोत्रपी, मेकपमेन आनी पड्डयाफाटले हेर कलाकार आनी कारागीर हांची हिस्पाभायर पुरवण केली

आतां एक मात जालां. हातूंत गोंयकार समर्थ मराठी नाटकां बरोवपाचे बाबतींत मात गोंयान महाराष्ट्राक नांव घेवपासारकें कांयच दिवंक ना. गोंयची खरी लोकभास वा मायभास मराठी न्हय, हें म्हत्वाचें कारण म्हणूंक जाय. नाजाल्यार अण्णा किर्लोस्करांक नाटक बरोवपाची जंय स्फूर्त मेळ्ळी त्या गोंय प्रदेशांत नाटककार कित्याक निर्माण जाले नात ?

ना म्हळ्यार फाटल्या शंबरेक वरसांत गोंयकारांनी जायतीं मराठी नाटकां बरयलीं तांतलीं खूब छापूनूय उजवाडा आयलीं. कांय नाटकांचे प्रयोगूय जाल्यात. पुण मराठी रंगमाची समृद्ध करपाची तांक मात खंयच दिसली ना. खुद्द गोंयांत अपवादात्मक अशें सखाराम बर्वेनी केले तशे अवघे प्रयत्न जाले. कांय गोंयकारांनी थोडेभोव लेखनांत येस जोडलें तें मुंबय स्थायीक जावन, देखीक वसंत कामत, भालचंद्र मडकयकार, गोप लक्ष्मण भोंबे आदी.

१९६१ उपरांत गोंयां मराठी नाटककारांची एक पिळगी उदेली पुण जात्राकाले अमल्या प्रसंगावेळार करपाचे लायकेचींच अनुकरणशील नाटकां ताणी कालबाह्य मराठी नाटकांचे भितोडेक रावून बरयल्यांत. तातूंत साहित्यिक कस वखदाक लेगीत मेळपाक कठीण. तातूंत गोंयचेपरस अडेचें महाराष्ट्रीय जिवितूच गोंयचे मराठीसयत नदरेक पडटा.

गोंयचे नाट्यकलेचे कल्पनेक मूळ प्रवर्तक अशो गजाली म्हणजे लोकांगितां, कांय वाठारांनी धोळपी कथागान, रास, गोफ, धालो, जागर बी लोकनृत्यगान प्रकार आनी शिगम्या–कार्नवाला सारकिल्या वेळार रोमटां मेळांच्या निमतान जावपी खेळ.

पयलीं गोंय नाट्य अकादमी आनी उपरांत कलोंअकादमीच्यो मराठी नाट्यस्पर्धा सुरू जाल्यो. आंतर विद्यालयीन, आंतर महाविद्यालयीन कोंकणी, मराठी, हिंदी, इंग्लीश एकांकी, मराठी नाटक (अ आनी ब गटांत) कोंकणी नाटक आनी नियात्रांच्यो स्पर्धा

दरवर्सा जातात. मराठी नाट्यस्पर्धा महाराष्ट्र राज्यस्पर्धेकडेन संबंदीत आसा. गोंय हे ह्या खातीर एक केंद्र अशें थारावन 'अ' गटांतलें एक वा दोन नागरी सर्तीखातीर आनी 'ब' सर्तेंतली अ-नागरी स्पर्धेखातीर अंतीम स्पर्धेंक धाडतात. खूब फावटीं महाराष्ट्रांतली नाटकांपरस गोंयची स्पर्धेंतली नाटकां खूब बरी जातात. विद्यालयीन म्हाविद्यालयीन एकांकीय महाराष्ट्राकडेन गुणांचे नदरेन सोपेपणी सर्त करतात.

तियात्र :

तियात्र हो एक गोंयचो खाशेलो नाट्य प्रकार. ताका लोक-नाट्य मानतात. गोंयच्या किरिस्तांव समाजांत हो लोकप्रिय. ताका लागीं लागसार शंबर वरसांची परंपरा आसा. सरळ सादी कथावस्तू आनी अदींमदीं प्रासंगिक गितां असो हो प्रकार. गीतांची आनी कथानक जो केन्ना तो कांयच संबंद नासता. जेन्ना तो आसता तेन्ना ताका खेळ तियात्र वा non – stop म्हणटात. किरिस्तांव भौसाची सांस्कृतीक भूक तियात्र भागयता. त्या समाजाचें पडबिंब तियात्रांत पळोवंक मेळटा. तियात्र हो लोकनाट्यप्रकार इटालियन ऑपेराटा आनी गोंयचो जागर हांच्या मिश्रणांतल्यान आयला अशें म्हणटात गोंयचो पूर्वापार जागर चलत आइल्लो. जागर हो फ्रेंच 'खू' प्रकाराभाशेन आसता. ताकालागून तियात्राची फ्रेंच 'खू' वांगडाय मर करूं येता.

जागरांत गांवांतले ठराविक अशे लोक हजेरी लायतात. शिंपी (दर्जी), सोनार, वाडीलें चली, नवीच लग्न जाल्ली चली (सून) संबकळीचो चोर, रस्त्यावेले टवाळखोर तरनाटे आदी. गोंयच्या धर्मांतरीत गावड्याच्या चडश्या गावांनी जागर जाता. संबंद रात जागोवपाची आसता म्हुण हाका जागरणावेल्यान जागर हें नांव पडलां अशें म्हणटात.

चडशा जागरांनी सुरवेक फुलकार वा माळी येता. उपरांत रेंदेर येता ताका फुलां उटणी जाय आसतात मागीर•कित्याक लागून तरी दोगांय भितर तीड निर्माण जाता. उपरांत 'निखणदार' येता. तो गांवचो मुखेली तो लांब कोंडे वा कोटींगे बांदून ताचेर वयर उबो रावता वा नाचता. मागीर 'तेंडली' एक आंकवार वली आनी तिगेलो मोगी तांचीं फकाणां मारता. 'गराशेर' म्हुण येता तो झगमगीत पोशेग घाल्लो आसना. लग्नाक उत्सुक जाल्ली 'इमिनेशूय' येता. गराशेर तिका मागणी घालता. ती ताका भुलता. गराशेर मागीर शेटीक आपावन भांगराच्यो वस्ती करूंक लायता.

केन्नातरी एक 'रणराव' म्हणुन येता. आपणाल्या पराक्रमाच्यो बडायो मारपी आनी चोरांनी बायलेक उबारली म्हणटच रडत बसपी. उपरांत दोन निग्रो खाप्री आनी खापुल्लें ताचे बायलेक सोडून हाडून ताचे सुवाद्दीन करतात.

त्या भायर घोव परदेसा वेतकीर परकी दादल्याकडेन मोगाचे चाळे करपी काजारी बायल आनी परदेसांत आशिल्ल्या न्हवऱ्याचेर उपाट मोग करपी आनी गांवांतल्या एका मुसलमानाचे पातकी नदरेक फाफडून उडोवपी दुसरी एक काजारी बायलूय पळोवंक मेळटा. दोग जाण बेठेच झगडपी 'अडाणी' येतात. पयलो दुसऱ्याक जखमी करता आनी पळ काडटा. दुखवल्या अडाण्याचो पून वैजाक हाडटा.

मांय आनी सून येतात. पुतान वांटणी करतना फटींपणा करून पडीक जमीन आपणाक आनी पिकाळ जमीन सुनेक दिली अशें म्हातारेक दिसता सुनेची आवय येवन सासू-सुनेमदलें झगडे पालयता. पूर्तुगेज पाखलेय जागरांत आसतात. ते सावज मारपाक रानांत गेल्यात पुण आपुणूच सावज जाल्यात तांचेभोंवती मोगाचें जाळें उडोवन तांकां फारावपाक राविल्ल्यो दोन तरणाट्योय असतात. अशे तरेन गांवांतलीं कितलींशींचा संवगां types येतात वतात. विगडविगड जाती, धर्म आनी वेवसायाचे प्रतिनिधीत्व करपी. तांच्या येवपा-वचपाक अमुकुच एक क्रम आसना असो ना. सबंद जागराक नक्कीच निश्चित असो कथानकाचो धागोय आसताच अशेंय ना. घमट, कासाळें तासो बी वाद्यांच्या तालार ते येतात, नाचतात आनी वतात. शरीराचो राजेशाही भेस पळावपासारको. कपला चांदीचो तिळो आनी अर्दो विणील्लो पांटलो (खोटलो) घेवन हरिजनूय हजेरी लावन वता. बदललेलो राजवटो आनी समाजीक परिस्थितीक आसपावन घेवन नवीं संवगां नव्या संदर्भाचीं भाशणां आनी पदां सादर करून वतानां आतां पळोवंक मेळटात. आमचो जागर परदेसांत निर्यात जावन फ्रेंच 'खू' चे रुप घेवन परतोय घुवन परतोय मराठी रंगमाचयेर आयला अशेंय कांय जाण म्हणटात, फाटल्या ५० वरसांत जागर मरूंक तेंकला तें मात जाणवता. जागरांत आनी तियात्रांतूय बायलांचीं संवगां अजून चडकरुन दादलेच करतात.

गोंयां शिरदोनालागीं पाळयांत, प्रियोळा, वेलगां, करमळे, चिंबला, खोर्ले, शिवोले बी गांवांनी जागर जाता. गावडे आसात थंय जागर गावता अशी म्हणणी आसा. चड करुन पौषांत जागर करतात.

१८८९ त ज्युआंव आगुस्तीन्य फेर्नांदीश हागी इतालियन भुरगो नावांचो तियात्र मुंबयत दाखयलो. होच कोंकणींतलो पयलो तियात्र अशें मानतात. तियात्रांत नाट्य, संगीत, हांसप रडप, अभिनय बी सगलें आसता एकोडी वा दोट्टी वा ग्रूप कोरसांची कांतारां सायड शोवज म्हणून येतात नियात्रांक बॅंड हें जायच पडटा.

तियात्राचें कथानक कौटुंबीक जिव्हाळो बी म्हणटात तसलें आसता गोंयच्या किरिस्तांव समाजाच्या जिविताच्या सांच्यांत वा फास्केभितर तियात्राचें कथानक घुंवता. तातूंत गोंयचो मोग, घराची ओड, मायभाशेचो अभिमान बी गजाली आसतातुच. आजवेर शेंकड्यांनी तियात्र जावन गेले पुण तांचीं हातबरपां छापपाची पद्धत नाशिल्ल्यान तांची पुस्तकां मेळनात. कला अकादमीन तियात्रांच्यो सर्ती फाटल्या आठ धा वरसांमावन घेवंक सुरवात केल्ल्याक तोमाझिन्य कार्दोझ आनी पा. फेडी द कोश्त ह्या तियात्रिस्तांनी तियात्राची पुस्तकां छापपाची प्रथा सुरू केल्या.

मुंबय शारांत त्या काळांत जावपी जागरांतलें पोजडेंपण सोंसना जावन तातूंत सुदारप करचे नदरेन ज्युआंव आगुस्तीन्यान

तियात्र सुरू केलो अशें सांगतात. १९ व्या शेंकड्याच्या सुरवेच्या दशकामावन हे जागर मुंबयत जाताले. पयल्या तियात्राचें हातवरप आयज हाताक लागना पुण ताची तोखणाय जाताली तें पळयल्यार हो तियात्र बरोच गाजलो अशें दिसता. जागरांतलें पोजडेपण सुदारपाचो प्रयत्न सुरवेच्या तियात्रांनी जालो पुण उपरांत मूळच्या जागरापरसूय चड पोजडेंपण तियात्रांनी दिसूंक लागलें. आयज तियात्र बरोय जाला आनी तातूंतलें मूळचें रांगडेपण फाटीं पडूंक लागलां. भाम बरीचशी अडेची आनी अडेचे धारणेन वापरतात. सायद्शोंत मात सदांची उलोवपांतली. कोंकणी कानार पडटा.

तियात्राक वेवसायीक प्रतिसाद बरो मेळटा नामनेच्या तियात्रिस्तांच्या खेळांक गोंयां आनी गोंयांभायर तशेच भारताभायरुय बरी गर्दी जाता. तियात्राचे प्रयोग गांवागांवानी लेगीत जातात.

१९६१ त गोंय मेकळें जायतसावन तियात्रांत फरक पडलो. चर्चांचो तियात्रांकडेन पळोवपाची नदर बदलली. एका काळार चर्च, पाद्री बी गजालींची टीका तियात्रांनी जाताली. देखून चर्च ह्या नाटचप्रकाराकडेन तिडकीन पळेताले. पुण सुटके उपरांत खुद्द पाद्रींचे पार्ट स्टेजीर जावक लागले, पाद्री तियात्र बरोवन लोकांमुखार दवरुंक लागले.

अशेतरेन तियात्र आनी खेळ तियात्र दाखोवप्यांमदीं सामान्यतायेन तीन प्रकार जातात. वेवसायीक तियात्र जातूंत नावांजते कलाकार आसतात. २. कला अकादमी सर्तीनी प्रयोग दाखोवपी, तियात्राक अविल्ले भारतीय रंगमाचयेचो प्रभाव घेवन सुदारप करूंक मोदपी, तियात्रांची पुस्तकां छापपी आनी ३. गांवांगांवानी फेस्तांच्या निमतान तियात्र करपी थळावे उमेदीचे कलापंगड. एक गजाल मात मतींत धरीसारकी, खंयचेच तरेचो तियात्र खंयींच आसल्यार तो तिकेटींवगर नासता. हाचे उरफाटें गोंयच्या हिंदूंचीं गांवांतली उत्सवा वेळावेलीं मराठी नाटकां, दशावतार, वा काले तशेंच स्पर्धेतलीं हिंदूंची नाटकां आयजूय पटी काडून उबीं करतात आनी चडशीं गांवागांवांनी फुकट दाखयतात. हाकाचलागून जावंये कोंकणी अविल्लें नाटक अजून वेवसायीक मूळ धरुंक पावूंक ना.

सुटकेउपरांत आनीक एक बरी गजाल जाल्या. तियात्र हो आतां पुराय किरिस्तावांचोच उरुंक ना. विशयांचे नदरेनय राजकी उपहास, धार्मिक एकचार, राष्ट्रीक एकचार बी गजाली दिसूंक लागल्यात. हिंदू कलाकारुय तियात्रांनी वांटो घेवंक लागल्यात.

अविल्लें कोंकणी नाटक

हालींच्या कोंकणी नाटकाची बुन्याद शणै गोंयबाबान ५० बरसां पयलीं मुंबयत रावून घाली. ताणी शेक्सपियराच्या बारा नाटकांची कोंकणींत भाशांतरां केलीं पुण ताचे प्रयोग जावंक पावलेनात. पुण तांच्यां 'पोवनाचें तपलें' 'फिलबा राणो', 'मोगाचें लग्न' बी नाटकांनी प्रयोगांवरवीं जैत जोडलें. उपरांत गोंयां राणू नायकान आपणाल्या रुपांतरीत एकांकी खेळांवरवीं कोंकणी रंगभुयेंक थोडेंभोव योगदान दिलें. तांचें सगळ्यांत चड गाजिल्लें नाटकुलें म्हणचे 'चवथीचो चंद्र'

❋ कोंकणी भाशेक उज्ळ फुडार आवडेतात ❋

भोलानाथ
सॉ मिल्स

निरंकाल रोड,
फोंडे–गोंय

फोन : २१९ (घर)
१५१ (ऑफीस)

सगळ्यांनी वाखाणलेली आमची नवी

स्कॉच टेरियर व्हिस्की

संवसारांतल्या खंयच्याय व्हिस्कीपरस बरी
अशी मान्यताय मेळिल्ली

RHEAA DISTILLERIES

NUVEM - SALCETE-GOA

गोंय मेकळें जावंचे पयलीं पुंडीवाव दांडयाळें 'ताची करामत' आपणाली खाशेली सुवात कोंकणी रंगमाचयेर कोरांतूक पावलें. १९५९ च्या अदमासाक मुंबय आंतरमहाविद्यालयीन एकांकी स्पर्धी जावंक लागल्यो आनी तावूंतल्यान कोंकणी एकांकी मराठी एकांकीकेक समांतर प्रवास करूंक लागली. गोंय मेकळें जातकच गोंय, जें कोंकणीचें काळज, तें खऱ्या अर्थान कोंकणीचें केंद्र जावपाचे प्रक्रियेक सुरवात जाली. सुरवेच्या काळांत प्रहसनात्मक हांसोवणे खेळ म्हणजे कोंकणी नाटक अशें समीकरण जालें. बाप्पा हे एका जाप्टेल्या पुडवेकाराच्या सवंगांभोंवतणी घुवपी आनी शाळा-कॉलेज संमेलनानी वा हेर उत्सवानी मनोरंजनाचें साधन म्हूण कोंकणी रंगमाची थोडोकाळ वावुरली. उपरांत १९७५-७६ सावन कोंकणी रंगमाचयेन कूस परतिली. कला अकादमीच्यो स्पर्धा सुरु जाल्यो आनी एकाद्रे मानशेचें दार वा आडांबो कडेक काडटुकुच उदकाचो घोंगो नुस्त्यासयत घसघसून व्हांवचो तसो भौजनसमाज कोंकणी नाटकाच्या प्रवाहांत येवंक लागलो. पुंडलीक नायकान लेखक म्हूण आनी सानमाची हे संस्थेन नाटय निर्मितीच्या वावरांत भरीव बुनियादी वावर केलो. नव्यो संहिता रुपांतरा, दोळे दिपकावणे प्रयोग हाणी फाटल्या धा-बारा वरसांच्या काळांत कोंकणी रंगमाचयेक आकार दिलो. पुंडलीकाचे रंगसांगाती हे संस्थेन चड करुन 'श बै श बै भौजनसमाज सारकिल्या नाटकांवरवीं कोंकणी रंगमाची गोंयच्या खांचीकोनशांनी पावोवन लोकाभिमुख केली. स्पर्धांच्या निमतान गोंयां सगलेतरेचीं कोंकणी नाटकां रंगमाचयेर येवंक पावली. आनी गोंयां तांचे सावार वाठारांनी प्रयोगूय जावंक पावले. नाटककार, दिग्दर्शक, नट, नेपथ्यकार, संगीतकार, उजवाड दिवपी आनी हेर तंत्रीक गजाली सांबाळपी वावुरप्यांची एक पिळगी तयार जाली.

दुर्दैवान फाटल्या चारपांच वरसां सावन स्पर्धेच्या नाटकांकूय फावो तितलो प्रतिसाद मेळना अशी रास्त कागाळ आसा. त्याभायर कोंकणी नाटक स्पर्धेपुरतेंच मर्यादीत उल्लां हेंवूय एक दुःख ह्या मळार वावुरपी कलाकार-कार्यकर्त्यांमदीं दिश्टी पडटा. हें अशें जावप कोंकणी रंगमाचयेक बऱ्याचें न्हय. कोंकणी रंगमाची भरभराटोक येतली जाल्यार तिका वेवसायीक रुप घेवचें पडटलें. केवळ कला अकादमी स्पर्धेंत शिरकून उरनामतना तिका भौसांत रिगुन गांवांगांवांतल्या उत्सवावेळार जावपी सध्याच्या कालबाह्य मराठी नाटकांची सुवात घेवंची पडटली. ते दिकेन आनी नदरेन अजून वावर जाल्लो दिश्टी पडना.

नाटक हें गोंयकारांचें वेसन. कोंकणी भास तर गोंयकारांचो प्राण. नाटकावरवीं कोंकणीचो विकास आनी कोंकणींतल्यान नाटक फुलोवपाचो वावर परिणामकारकपणान जावं येतालो, जावंक जाय आशिल्लो. साबार कारणाक लागून आजवेर तो जावंक पावलो ना. कोंकणी कार्यकर्त्यांचे उणे मनोसबळ आनी ताकाच चळवळीचोय वावर करचो पडिल्ल्यान हें घडलां आसूं येता पुण कोंकणी गोंयची राजभास जावन गोंयचें घटकराज्य जालां आनी आतां रोखडोच गोंयची अस्मिताय कोंकणी रंगमाचयेवरवीं फुलोवपाचो वावर चळवळीच्या पावंडयार करचो पडटलो. भाशेची चळवळीचो वावर आतां फाटीं पडून विधायक पर्वाचो आरंभ जाला. रंगमाचयेवेल्या आमच्या कलाकारांक हें एक आव्हान. मराठी रंगमाची समृद्ध करपाक महाराष्ट्र समर्थ आसा. गोंयकारांनी मराठी रंगमाचये फाटल्यान लागनासतना निजाचें कोंकणी रंगमाचयेची सेवा करपाची गरज आसा.

X X X

संदर्भ

१) भोवे, गोपाळकृष्ण : कलात्म गोमंतक : कलाअकादमी, गोंय

२) गडकरी, माधव : अमा हा गोमंतक : कोहिनूर प्रकाशन मुंबय.

३) सातोस्कर बा. द. : गोमंतक प्रकृती आणि संस्कृति.

४ " : शुभदा सारस्वत, पुणे.

" : गोमंतकीय मराठी साहित्याचे आधुनिक शिल्पकार, सांस्कृतीक संचालनालय, पणजी.

५) सुखठणकार, ज. स. : रुपडी गोमंतकाचें नाटयस्वरुप, गोवा हिंदु असो., मुंबय

६) " : रुपडयांची रुपकथा : गो; हि. अ.

७) कामत, नंदकुमार : प्रादेशीक रंगमाची : कोंकणी ' ८७-८८ को. भा. मं., गोंय

८) पुंडलीक नायकाचीं नाटकां : कांय विचार : 'यंगराज,' २६/१/८५

९) नायक, पुंडलीक : गोंयची कोंकणी रंगमाची : कोंकणी १९८३, को. भाशा मं. गोंय

१०) खेडेकार, विनायक : गोमंतकीय लोककला : सांस्कृतीक संचालनालय, पणजी

११) काळे, प्रमोद : Tiatr (Doctral Thesis) nonpublished

१२) Adya Rangacharya : The Indian Theatre : National Book Trust Delhi.

१३) भेंब्रो, उदय : कोंकणी रंगमाचयेचो फुडार : गोवा कोंकणी अकादमी, कृतिसत्र, १४/११/८७.

१४) कुलकर्णी, मोहन : कोंकणी रंगभूमी : नाटयदर्पण जुलै १९८१

-✱-

प्रोविजीनल

— अभयकुमार

नोटीस बोर्डालागीं गर्दी पडल्या. दर अेकलो दुसऱ्याक धुकलीत ताका कुशीक काडीत आपुण मुखार वच्चेलो यत्न करता. कांय जाण पांय वयर करून दुसऱ्यांच्या तकले वेल्यान पळोवचो यत्न. निकतोच फाटल्या सेमेस्टाराचो रिझल्ट आयलां तो पळोवचेलो आनी आपलें कितें जालां तें जाणून घेवचेलो हुस्को दर अेकाक जाला. पास जाल्ले रोखडेच कळटात. ते एकमेकांक वेंग मारीत तोंडातसून चित्रविचीत्र आवाज काडटात. नापास थंयच्यान ल्हवूच पांय फाटल्यान घेतात आनी मान बागोवन चलूंक लागतात.

'म्हाका सेकंड क्लास मेळचेलो. कितें जालें म्हुण कळना, पास क्लास मेळ्ळो.'

'म्हाका गॅरंटी आसली फर्स्ट क्लासची.'

'म्हाका मात दुबाव आसलो पास जायत काय ना हाचो. जावं बाबा जालो एकदाचो पास.' घोळको करून राविल्ल्याच्या तोंडातसून येवपी हीं आनी असलींच उतरां आयकूंक येतात. आपणाल्या रिझल्टाविशीं उलोवन जाले उपरांत हेरांच्या रिझल्टा-कडेन वता. कोण खंयचे क्लासीन आयला, कोणाक एटीकेटी मेळळचा तर कोण खंयच्या विशयांत नापास जाला, कोण कोणाची कॉपी करून पास जाला हाचीय चर्चा आयकूंक येता.

'ए, वॉट अबाऊट मि. नाईक ?' नायकाचो इंतिरेस आशिल्लो एकलो विचारता.

'फर्स्ट क्लास.' जाप मेळटा.

'हाव जाणा आमलो रे. ताणे पळे कॉपी माल्या, सोलीड. मेळ्ळो ना म्हुण सांग नासल्यार वर्सभर घरा बसचे पडटलें आसलें.'

'ताका डेरींग लागता रे. आमकां न्हय ते कॉपी बी करप. आमीं आग्ले वर्सां मेजीत रावपाचें. ॲक्झामिनराक काकूट आयली तर बरें आसा नासल्यार तींच पुस्तकां, तोच क्लास आनी तेच प्रोफेसर आसाच.'

'आयच्या काळार आनी तातूंत आमचे हे कॉलेजींत पास जातलो जाल्यार एक तर इंफ्लुयस जाय नासल्यार कॉपी करूंक कळूं जाय, ह्यो दोनूच गजाली विद्यार्थ्यांत तारतात आनी कांयच ना. आमचेकडेन तर दोनूय ना. इंफ्लुयस लावपाक बापुय कोण व्हडलो फॅक्टरी मॅनेजर ना वा व्हडलो पयशेकारूय ना. कॉपी करतले म्हळ्यार आमकां तितलें धाडस ना. म्हळ्यार आमचें थरिल्लेंच. नशिबान साथ दिल्यार पास म्हुण मुखार सरपाचें नासल्यार रावपाचें अशें वर्सां मेजीत.'

'मंगल आयलें दिसता भायर. कितें जालां काय ?'

गर्दीतल्यान कशेंतरी आपणांक धुकलीत भायर सरपी मंगलाक पळोवन एकलो म्हण्टा.

'कितें जातलें ? जातलें पास. सगळे प्रोफेसर तागेलेच.' दुसरो म्हण्टा आनी तिसरो ताका तेको दिता.

'हांगा पास जावंक वशिलो आनी पयशांशिवाय आनीक एक गजाल उपयोग पडना पुण ती तरी आमचेकडेन खंय आसा. ? मंगल आपले बरें काम सादोवन घेता. जांगडां दाखयलीं, घेतलें करून काम. बाबडे प्रोफेसर मात लाळ गळयत उरतात.'

'ताणे असले कितले प्रोफेसर गुटलायल्यात कोण जाणा. तें कितें हांचेर थोडेंच आदारून आसा.'

'लालान मात माल्लां ताका. कितेंय मांगात तुमी.' एकलो हड्यार हात मारून सांगता. तसो ताका कोलावंक दुसरो विचारता,

'तूं कितें ताचो पी. ए. बी आशिल्लो काय कितें रे ?'

'पी. ए. कित्याक आसूंक जाय, मारुती देवळाफाटल्या झुडपांनी ती बसतालीं तेन्ना आमी कितें दोळे धांपुन वताले तर थंयच्यान ! जयंताक एक सिगार दिवन राखणेक बसोवन आनी हाणे भोंवडावप ताचेर हात कोणूय आयलो बी तर सिग्नल करूंक जयंत आसाच.'

'ताणें मंगलाचेर कित्याक सगळ्यांचेर भोंवडायला आसतलो हात. तें फॅटी पळेना, सकाळ सांज ताच्या केबीनांत बसून आसतालें.

'मागीर वोगीच खोंटलोभर मार्क मेळटात तर ताका. आमी इतलें बायहार्ट करून आमकां टेस्टांक दिल्या पासींग मार्क आनी हांका मात फूल वीसांतले वीस. तरी बरें, पेपर कोरोच दितात तें आमी पळेतात म्हुण.'

'फाटल्या म्हयन्याक मंगल बरें नासलें म्हुण क्लास अटेंड जालें ना पुण लालान पळे ना ताची अटेंडेंस कशी फूल माल्या ती. बाबडचा वल्लभाक मात अटेंडेंस ना म्हुण एजामीक बसूंक दिलो ना.'

'आरे पुण दितलो कित्याक ? ताचेकडेन आमा कितें ? वोगीच अटेंडेंस म्हुण मेळटा ? ताळी वाजोवंक दोन हात लागतात शाण्या.'

'मगळें जरी खरे आसलें तरी म्हाका तें पटना. मंगलाक जर क्लासीक येनासतना अटेंडेंस मेळटा तर वल्लभाकूय मेळूंक जाय. ताचें वर्स फुकट कित्याक पेडुचार करपाचें ?'

'हें पळे, हांवे येदोळूच म्हळें तुजें जर हांगा कोणेय आयकूंक जाय तर तुजेकडेन कितेंतरी आसूं जाय. एक इंफ्लुयंस, दोन दुडू वा तिसरें...'

'तिसरें म्हणून दोन बोटांची विशिष्ट खूण करता. 'तरूच तुका हांगा कोणय विचारीत नासल्यार तुजें बडबडप म्हळ्यार नळी फुंकली सोनारे. तोंडाची वाफ वगडावंक बडबडपाचें आनी विसरून वचपाचें. कितें म्हण्टा ?'

'हय तर.' ताका सगळ्यांचो तेंको मेळटा. इतल्यान एकलो भुरगो येवन सांगता, 'प्रिंसीस केम.'

आनी सगळे भुरगे प्रिंसीस म्हळ्यार प्रिंसिपल येता म्हुण आयकून बेगीबेगीन कॅंटीनाचे वा जिमखानाचे दिकेन फांफसतात.

० ० ०

'हाय मंगला !' मंगलाक कॅंटीनात आयिल्लेकडेन कोणतरी वीश करता.

'हाय !' मंगला ताका परती जाप दिता.

'पास मगो ?' तो विचारता.

तें कांयच उलयनायतना मान सकयल घाल्ता. तो समजुपाचें तें समजता.

'अशें कशें जालें ?' तो विचारता

'कशें कळटलें ? पेपर तर सोपे गेल्ले. पुण तुजें कितें ?' ताचो परतो प्रस्न.

'तें आनी सांगूंक जाय. तुजें जर अशें तर म्हजें आनी कितें जातलें ? बसली बूच.' तो सांगता. ताका नापास जाल्याचें इतलेंय दुख्ख जालाशें ताच्या उकोवपावेल्यान दिसना.

'मार्क लीस्ट घेतलें ?'

'ना. अजून येवंक नात खय.'

'पुण रवी म्हण, बच्चन सराकडेन आयल्यांत म्हुण तो सांगता खंय मार्क ताका विचारून पळोवंया ?' मंगलाक मार्क जाणून घेवपाची उमळशीक लागल्या म्हणपाचें कळटा.

'तूं जाय तर विचार, हांव येना. ताच्यो आनी जाणवायो कोण आयकतलो ? मार्क सांगपाकें थंयच उरतलें आनी व्हडलीं शांपतां मात आयकुचीं पडटलीं. तुका बरें आपलें, सगळ्यांकडेन इंफ्लुयंस आसा, मेळटले रोखडे मार्क.' तो भीडभाड दवरिनासतना उलयता.

'ए, अशें कितें उलयता रे ! तूं सामको बाकीच्यांवरीच उलोवंक लागलो. म्हजें कसलें इंफ्लुयंस आसतलें ? आनी तशें आसलें तर हांव कितें नापास जावपाचें तर' तें विचारता.

'एजाम बोर्डाची म्हुण, नासल्यार तुजो फर्स्ट क्लास खंयच वचूंक नासलो. सगळे प्रोफेसर तुजेच. सांगची लेगीत गरज ना. तुजें अक्षर पळेलें म्हणजे मार्क आपशींच मुट्टात हातांतले. नासल्यार आमकां कोण विचारता ? कितलेंय बरय, युसलेस.' तो निर्शेल्या स्वरान उलयता.

ह्या उतरांनी मंगलाक राग येवप माहजीक. तें मात्शें तापुनूच म्हण्टा, 'एजाम बोर्डाची जाली तरी पेपर हांगाच तपासल्यात हें नकळो दिसतां तूं.' आनी मात्शें रावन तें उलयता, 'तुमकां म्हजेविशीं वोगीच जेलसी. म्हाका वोगीच मेळना. हांव बरें कश्ट करतां, अभ्यास करता आनी पेपर बरयतां. तेन्नाच मार्क मेळटात म्हाका.'

'मेळटात काय दितात ?' ताचो परतो प्रस्न.

'दिले मुद्दां म्हुण कितें वोगीच दिनात. बरे त्रास काडटां हांव अभ्यासाचेर' ताची जाप.

'तूं त्रास काडटा, कश्ट करता हें मान्य. पुण अभ्यासाचेर हें मानूंक हांव तयार ना. देखून हांवे म्हळें, मार्क मेळनात तर प्रोफेसर तुका मार्क दितात. फकत तुका म्हणून आनी हाकाच लागून कॉलेजीन घेतिल्ल्या परिक्षेंत फर्स्ट येवपी तूं बोर्डाचे परिक्षेंत... आतां खंय गेलो तर तुजो अभ्यास, तुजें कश्ट ?' ताची उतरां मंगलाक तोपतात. तें एक खीणभर ताका संतापान पळेता आनी थंयसून चलूंक लागता.

तो मात जेंतीवंत नदरेन ताका पळेता. मनांतली तिडक, राग उगतो केल्याचें समाधान ताका मेळ्ळां. कितलेंय बरय, कितलोय अभ्यास कर प्रोफेसरांक कितेंय समजलेबगर मार्क मेळनात आनी हाचो परिणाम परिक्षेंत गडो मेळटा. दर वर्साक दोन-दोन वर्सां काडचीं पडटा हाचो राग जायते दीस ताच्या मनांत आसलो ताका आज वाट मेळिल्ली. आपुण उलयलां तें प्रोफेसरामेरेन पावतलें हें तो जाणा आनी ताका तेंच जाय आसता.

जल्माक घालतना देवान आपणाक तकली दिली ना तें बरें आसा पुण एकाद्या दुडवाकारागेर जल्माक कित्याक घालो ना काय ? ह्या विचारांत तो कांय खीण घुस्पता.

'कम ऑन मिस्टर. वॉट यू आर थिंकीग फोर ?' अिश्टाच्या प्रस्नान तो जाग्यार येता आनी 'कांय ना, कांय ना' म्हणत ताचेवांगडा चलूंक लागता.

'पिशा नापास जालो म्हुण इतलो निर्शेता ? जालो तर जालो, गेलें एक वर्स. परतें टर्म भर आनी बस परिक्षेक. ना जाल्यार सोड हें कॉलेज आनी दुसरेकडेन वच. एक मतीत धर हांगा आमचे-सारके सटर फटर लोक पास जावचे नात. हांगा पास जावंक इंफ्लुयंस लागता. ताचेच विचार तो इश्ट ताचेमुखार मांडटा आनी तो आयकता.

सुर्याच्या वोतान आल्तीनोचो सगळो वाटार भाजून गेला. सगळें उजाड मळ आशिल्ल्यान सांवळी म्हण्टा ती खंयच दिसना. कांय भुरगे खोश्येन तर कांय दुखेस्त तोंडान आपापल्या घरा वचूंक

भायर सल्यात. कांय जाण बसिची वाट पळेत उबे. सगळ्यांक वोतान आनी घामान नाका करून सोडल्यात. कांय जाण रिझल्टाच्यो गजाली करीत उबे.

' उदय तुजें कितें ?'– परेरा विचारता.

' पळे मरे, माळगांवकारान दोन मार्कानी उडयलो.' आपले मार्क तो ताचेमुखार मांडटा. परेर, विलास, अजीत हे आयकून कांय वेळ चुरचुरतात. आनी परत एकदां रिझल्टाचेर भासाभास जाता. प्रोफेसरांक गाळी मारून जाता. ताचो आयबाय वयर काडून जाता आनी निमाणें गाडी इफ्लुयंसाचेर येवन थारता. कोणे खंयच्या प्रोफेसराक कितें दिलें, कोणाचे मार्क वाडले, कोणे स्ट्रोंग पार्टी दिली हाच्यो गजाली बऱ्योच रंगतात.

परत एकदां कोणे कॉपी मारून क्लास मेळयला, कोण अभ्यास करूनूय नापास जाला हाचेरूय हात भोंवता आनी इतल्यान सिटीबस येता. सगळचो गजाली थंयच थांबोवन सगळे बसीदारान गर्दी करतात आनी एकमेकांची फकणां मारीत प्रवास सुरू जाता.

सुर्यान अस्तमतेचो कांठ गांठला. सगळीं किर्णां ताणे जमनीर सांडल्यां. सुर्याचे तांबडेंभुंज रूप पळोवन तो आतां धर्तरेक काळखांत उडोवन आपुण उदकांत बुडची तयारी करता म्हणपाचें कळटा.

' आयज वातावरण एकदम विचित्र दिमता न्हय रे?' बसीन बशिल्लो एकलो दुसऱ्याक सांगता.

' हय मरे, एकदम दुखेस्तशें दिसता. कशें म्हुण कळना.' दुसरो म्हणटा.

एकलो नापास जाल्लो चितता, मैम आपल्या दुखांत सामील जालां जावंक जाय. आपुण नापास जालां हाचें ताकाय वायट दिसलां आसुये. तो आपलेंच सांत्वन करचो यत्न करता.

X X X

सकाळचो णव वरांचो वेळ. सगळे जाण आपापल्या कामांक वचूंक भायर सल्यात. मंगला कॉलेजीचो रस्तो चलता.

' मिस मंगला ' उलो आयकून तें फाटल्यान पळेता. प्रोफेसर माळगांवकार ताका उलो मारतालो. तें थंयच उबें रावता. माळगांवकार म्हऱ्यांत येता. माळगांवकार डिपार्टमेंटाचो हेड. अर्थात मंगलाचो हेड. सगळे मार्क बी ताचेकडल्यान मुखार वचपाचे.

' वोट हेपन टू यू ? तोंड बावलां कित्याक;' तो विचारता.

मंगला वोग्गी. जाप दिनासतना ताचेवांगडा चूलूंक लागता.

' तूं नापास जालां म्हुण आयकलां तें खरें?' ताचो दुसरो प्रस्न. मंगला मान सकयल घालून ल्हवू आवाजान जाप दिता, ' हय.'

' कशें जालें अशे?' ताचो फुडलो प्रश्न.

' फाटले कांय पेपर उरिल्ले. आतां एक उल्लो.'

' पेपर बरे वचूंक नासले ?'

' बरे बरयल्ले हावे.'

' म्हणटकूच हें कशें घडलें तर ?'

तें वोग्गी.

दुकळे, भोबे आनी कंपनी

पणजी

✻ प्लायवूड ✻ सनग्लोस

✻ सेनिटरी वेअर आनी ✻ ग्लेझ्ड तिजुले

When you plan bathrooms to last a lifetime beautifully.



मडगांव-शो-रूम

सॅनी-प्लाय सेंटर मडगांव

चंद्रकांत केणी हांगेलीं कांय पुस्तकां

- धर्तरी अजून जियेताली (कथा)
- आशाढ पांवळी (कथा)
- तरेतरेचीं संवंगां
- फुलांचो हात (भुरग्यांखातीर नवलकाणी)
- अळमीं (कथा)
- व्हंकल पावणी (कथा)
- एकलो एकसुरो (कादंबरिका)

कुळागर प्रकाशन

पो. बॉ. नं. ७८, मडगांव–गोंय.

'म्हजेकडेन किय्याक आयलें ना ? मार्कलीस्ट येवंक ना. कितेंय जाता तर आतांच करपाचें.'

'पुण बच्चन मराकडेन मार्कलीस्ट आसा तें '

'तें प्रोविजीनल. अजून प्रिंटेड येवंक ना. ताचोच लाव मेळटा तर घेवपाचो.'

ताच्या उतरानी मंगलाच्या तोंडार खोशी परजळटा.

'केन्ना मेळ सर ?' तें रोखडेंच विचारता.

'आजूच मेळ. वेळ लावन उपकारचो ना. कितें करपाचें तें बेगीन करूंक जाय.'

मंगलाकूय वेळ वगडावन चलपाचें नासलें. तें ताचेवांगडाच ताच्या केबीनांत आयलें.

'सर, कितें करपाचें तें आतांच केल्यार कशें ?'

माळगांवकारान कांय खीण ताका पळेलें आनी वेळ माल्ली. प्यून आयलो.

'हें पळे कोणूय येत तर भितर घाडूं नाका, हांव बिझी आस' म्हुण सांग.' प्यून तकली हालोवन भायर गेलो.

मंगलाक बसोवन घेवन प्रो. माळगांवकारान पयलीं एक लांबलचक लेक्चर दिलें. तातूंत ताणे पास कित्याक जावंक जाय आनी पास जावप कितलें म्हत्वाचें हाचेर सुरवात करून एकदां रिझल्ट लागतकुच कितेंय करप कितलें कठीण तें सांगून ताणे उलोवप सोंपयलें. आनी उपरांत आपल्याच्यान डिपार्टमेंटाचो हेड जाल्ल्यान कितें करूं येता हेंय सांगलें. मंगला ताचें हें लेक्चर आयकूंक येवंक नासलें. पुण कितें करतलें, अडला हरी..... म्हण्टात तशें. सगळें आयकून घेवचेंच पडलें.

'सर, कशेंय करून म्हाका हच्या सेमेस्टरान पास करात. तेखातीर कितेंय करचेली म्हजी तयारी आसा.'

मंगलाच्या उतरांनी तें आपल्या हातांत आयलां म्हणपाचें माळगांवकाराक कळ्ळें आनी ल्हवू आवाजान ताणें मंगलाक कितें करचे पडटलें तें सांगलें. मंगला एकदम उमळ्ळें. 'सर, तुमी म्हाका बापायसमान. तुमी हें .. ...' फुडलीं उतरां ताच्या तोंडातूच उल्लीं आनी ताका माळगांवकारालीं उतरां आयकूंक आयली.

'तें नातें भायर पावनकूच. तुका जर ह्या सेमेस्टराक पास जावन वर्स पदरांत घेवचें आसा तर हांव सांगता तें तुका करचें पडटलें. नासल्यार पास जावपाचें विसर.'

'पुण सर, भुरग्यांक कळ्ळ्यार .. ...'

'लालावांगडा नाचतना भुरग्यांनी पळोवंक ना तुका ? ते कांय उलयना तेविशीं ? काय तुजे कान तेन्ना बंद आसतात ?'

'तशें न्ही सर, पुण...' मंगल सारवासारव करूंक पळेता.

'हें पळे म्हाका वेळ ना. तुका जर पास जावचें आसा तर सांजवेळां सात वरांचेर म्हाका येवन मेळ. हांव फोर्स करी ना. तुका जाय तर.'

आनी माळगांवकार जाग्यावेल्यान उठलो. मंगलान कांय खीण ताका पळेलो आनी कसलो तरी निर्धार करून तें भायर सल्लें.

सगळो दोस कसो गेलो बाबड्या मंगलाकूच खबर सांजवेळचीं म जावन कॉलेज सुटलें तेन्ना तर मंगलाक वर्स जाल्लेवरीच जालें. क्लास सुटलो तशे सगळे क्लासींतल्यान भायर सरून आपल्या वाटेन गेले. सगळे विद्यार्थी तेचवरी प्रोफेसर, लेक्चरर्स बी वाटेक लागिल्ले. प्रो. माळगांवकार मात आपल्या केबीनांत बसून आसलो आनी मंगला क्लासीदारांत घुटमळटालें.

सात जायत आयलीं तरी प्रोफेसर भायर सरना तें पळोवन प्यून कंटाळ्लो. ताका आज बेगीन घरा वचूंक जाय आसलें आनी प्रोफेसर ताका वेळ करतालो. तो दोनदां केबीनाच्या दारांत येवन गेलो. सर कामांत आसा ताका कसो जागोवप हेंच ताका कळना जालें. वाट पळोवन कंटाळ्लो तसो जाता तें जावं ह्या विचारान तो केबीना दारात आयलो आनी दार वाजयलें. प्रोफेसरान भानार आयिल्लेवरी करून घड घाळ पळेली. सात जायत आयिल्लीं. ताणे बेलीर हात दवरून दारांत पळेलें प्यून दारांत उबो आसलो.

'आरे तूं अजून रावला ? वच तूं घरा. म्हाका वेळ जातलो. हांव येतां चावी करून.' वच म्हणचेपयलींच तो भायलें दार गांठता. वतना वेळ केलो म्हुण प्रोफेसराक एक सणसणीत माळ मारूंक तो विसरना.

तो वता आनी इतलोवेळ घुटमळत राविल्लें मंगला ताच्या केबीनांत भितर सरता. माळगांवकार ताचीच वाट पळेत बशिल्लो, तो तें येनाफुडें जनेलांचे पडडे सारके करता. मंगलान मिनी स्कर्ट घाला जांतल्यान जांगडां उठून दिसतात. ताच्या दोळ्यांत एकेतरेचीं तिकतिकमाण मारता. माळगांवकाराक तिसो जावंक वेळ लागना. तो ताच्या म्हज्यांत येता आनी ताका लागीं वोडटा.

वॉचमेन भायल्यान भोंवतना ताका भितर आवाज जाल्लो आयकूंक येता. प्रोफेसराच्या केबीनांत कोण काय म्हुण दुबावान तो पडुच्या खांचीतल्यान नदर लायता आनी एकदम आंग काडून कुशीन सरता. ल्हवूच तो आपणाक कोणें पळोवंक बी ना मूं ह्या दुबावान हेवटेन तेवटेन पळेता. ताका आपणाली नोकरी वगडावची नासता.

X X X

दुसरे दिसा सकळीं नोटीसबोर्डार एक नोटीस दिसता. मंगलाचो रिझल्ट चुकून नापास म्हुण पडिल्लो, तें प्रोविजीनली पास जालां म्हणपाची नोटीस ती.

कांय भुरगे ती नोटीस वाचून उलयतात. 'कोणाक जांगडां दाखयलीं काय हाणे ? बरें केलें, सारकें तरी पास जावपाचें, जालें तेंय बी प्रोविजीनली.'

'आनी एक रात गेली म्हणजे जातलें रे सारकें पास. होय रिझल्ट चुकला म्हणून येत एकाद्रें.' आनीक एकलो.

मंगला म्हज्यांतसून वता. आयकून न आयकल्यावरी करून. कोणूय कितेंय उलयनात थंय. ताचें काम तर जालेंच.

-✿-

आयची शकुंतला

बरोवपी : **आद्यरंगाचार्य**

अणकार : **गोदूबाय केळेकार**

(नाटक सुरू जालें म्हुण सुचोवपी घांट तीन फावट वाजता.)

सूत्रधार : तुमकां सगळ्यांक मायेमोगाचो येवकार. इश्टानों, सगळ्यांत पयलीं हांव तुमचे कडेन (अकस्मात थांबता.) राबात आं... हांव ऐन ते विसल्लों सामकें (उलो मारता) प्रिये,

नटी : (भितल्यान) कोण ?

सूत्रधार : मात्शी भायर येशीत व्हय ?

नटी : (आदल्या भशेनूच पुण मोट्यान) कोण ?... कोण म्हाका प्रिये प्रिये करून उलो मारना...

सूत्रधार : हांव तो. तुगेलो पूत सूत्रधार.

नटी : (भायर येवन) कित्याक उलो मारतालो.

सूत्रधार : हें पळे, कितले–शेंच जाण उमेदीन येवन बसल्यात हांगा .. म्हजे कडल्यान एक नाटक बरोवन घेवपाक...

नटी : कसलें नाटक... खंयचें नाटक.

सूत्रधार : शकुंतलेचें...

नटी : आं... कालिदासान बरयल्लें शकुंतलेच्या मोगाचें...

सूत्रधार : राव राव. हें मोगाचें नाटक खरें... पुणून कालिदासान बरयल्लें न्हय... आनी ही शकुंतलाय कालिदासाची शकुंतला न्हय...

नटी : म्हळ्यार ?

सूत्रधार : म्हळ्यार अशें–शकुंतला हें एके चलयेचें नांव. ती खंयच्याय काळांतली आसूं येता... तसो तिगेलो मोगूय खंयच्याय काळांतलो जांव येता...

नटी : नाटक खंयच्या काळातलें...

सूत्रधार : आयच्या.

नटी : मोग ? (सूत्रधार हांसता) हांसतासो कित्याक ?

सूत्रधार : तुवें मोग म्हूण प्रश्न केलो तेन्ना म्हाका म्हज्या नाटकांतल्या प्रोफेसराचो उगडास जालो...

नटी : आं... म्हणटकच नाटकांत एक प्रोफेसरूय आसा तर...

सूत्रधार : आसा तर... तोवूय संस्कृतचो प्रोफेसर... तो अविज्ञान शाकुंतल शिकयतालो.... ताणे प्रभावित जाल्ले तागेले चार विद्यार्थीय नाटकांत आसात... तांच्यात एक शकुंतलाय आसा...

नटी : कळ्ळें... म्हणटकच प्रोफेसर दुष्यंत जातलो म्हणचें पडलें

सूत्रधार : मात्शी ओगी राव पळोवया. नाटकाची काणी तुका सांगूंक लागलों जाल्यार हे जे नाटक पळोवपाक लोक आयल्यात ते कितें म्हणटले ? चल यो सुरू करूंया....

नटी : सुरू करूंया ? स्टेज बीज उबी करूं नाका ?

सूत्रधार : स्टेजीची बिजीची कांयच गरज ना हें नाटक पळोवपाचें न्हय... फक्त आयकुपाचें... कळ्ळें ? आं...

नटी : आं ... आं ... कितें ? नांदीचो श्लोकूय म्हणून दाखोवचो ना ?

(पडडया फाटल्यानतल्यान गीताचो आवाज येता)

कालिच्या लग्ना पयलीं ।
त्रिपुराच्या संव्हारा पयलीं ।
हरिविरंचीच्याकूय पयलीं ।
उमेच्या लग्ना पयलीं, ताच्याय पयलीं, ताच्याय पयलीं
इश्टा तूं पुरातन हांव ।।

नटी : पुरो पुरो पुरो . . ही रे बाबा कसलो नांदी ?

सूत्रधार : प्रोफेसरानूच शिकयल्ली ती ...

नटी : कसलो तर प्रोफेसर हो ?

सूत्रधार : ह्या नाटकाचो आरंब तोच करपाचो आसा. एक खेपे तो सात आठ म्हयन्याची सुटी घेवन गेल्लो तेन्ना तागेल्या चौग विद्यार्थी भितल्या मनोहरान अनुसुयेकडेन आनी शामान शकुंतलेकडेन लग्न केलें . . दोगायचो हो प्रेमविवाह. देखून प्रोफेसर जेन्ना सुटी सोपोवन परतलो तेन्ना तो आपली प्रियशिष्या शकुंतलेचें अभिनंदन करपाक तिगेल्या घराकडेन गेलो त्याच दिसा जिस्न कालिदासाचे संस्कृत नाटक शकुंतलाचो प्रयोग आशिल्लो. तो पळवपाक चौगांय गेल्ली. . घराकडेन शकुंतलेचो बापुय आशिल्लो. हेवटेनच्यो तेवटेनच्यो खबरी जातकच प्रोफेसरान शकुंतलेच्या बापायक म्हळे ...

(दृश्य परिवर्तन सुचोवपी संगीत)

प्रोफेसर : कितेंय जांव तुमी मोटे भाग्यवान ! ध्रुवेचें लग्न करून दिले तेंवूय ह्या दिसानी. .

बापूय : हावें लग्न करून दिलां. तें जाले. आयच्या काळार धुवेच्या बापायच्या तकलेवेले ओजें ल्हव जालां सामकें.. तुमका खबर आमा आसतली. श्याम आनी शकुंतलेचो हो प्रेम-विवाह म्हणपाची

प्रोफेसर : तुमचें म्हणणें सामकें लटीक न्हय .. हालीसाराक वयावेलो चलो आतो चली एकठाय आयलीं म्हणटकच ती मोग केल्या बगर रावीच ना.

बापय : (लटको हांसो) तुमी सांगतात ताचे वेल्यान हातूत दुसरोय एक अर्थ आसा ... दुसरे कितें कितें आसा अशें दिसता.

प्रोफेसर : दुसरे किते आसतलें आता हे पिरायेर तुमचे आनी म्हजे मुखार कोणेंय एक वयावेली चली हाडून उबी केली जाल्यार किते ती आमच्या मोगांत पडटली ?

बापूय : खरें तुमचें (हांसता) घडये आमी तिच्या मोगात पडूं ती आमचे मोगांत पडत व्हय ?

सूत्रधार : तेंच म्हणटा हांव ... मोगाचो आनी पिरायेचो संबंद खूब म्हत्त्वाचो.

बापूय : अशें म्हणणें तुमचें ? म्हाका दिसताले मोगाचो आनी सौंदर्याचो संबंद ताच्याकूय चड मोटो.

प्रोफेसर : हो तुमच्या काळांतलो सिद्धांत आतां लागू जायना. चलो चली एकामेकाक पसंत पडली म्हणटकच ताका आमी मोग म्हणटात... ते ते पिरायेर (थांबता) सोडात खबर... विधवेन आपणाल्या लग्नाच्या सुरवातीच्या दिसाच्यो यादी काडच्यो तसल्यो गजाली ह्यो आमच्यो. कित्याक करच्यो त्यो... आं... म्हणटकच कितले, स म्हयने जाले तांच्या लग्नाक ? हांव आठ म्हयन्याची सुटी घेवन गेल्लों ...

बापूय : (अजापान) सुटी घेवन गेल्ले तुमी ? (हांसता) अशें तर न्हय ? तुमचेविशीं तुमगेल्या ह्या विद्यार्थ्यांनी कसल्यो कसल्यो खबरी पातळायल्यो, खबर आसा तुमका ?

प्रोफेसर : तांगेलो प्रोफेसर लग्न करूंक गेला ही मू ? (दोगूय हासतात) कितेंय आसूं तुमी सुखी .. बरें येता हांव.

बापूय : आरे... चल्ले तुमी ? शे .. शे... बसात मात्सो वेळ आतां येवपाची जाली तीं

प्रोफेसर : शाकुंतल पळोवपाक गेल्यात मूं... सात आंकी नाटक तें... येदे बेगीन सोंपपाचें ना.... येवपाक कळाव आसा तांकां...

बापूय : संस्कृत भाशेंतूच नाटक करतले खंय ...

प्रोफेसर : तेंच बरें आसा... कोणाक कांय कळपाचें ना (बापूय हांसता) कित्याक कालिदासाच्यो कांय खबरी खंयचेय प्राकृत भाशेंत मेकळेपणान सांगूंक येनात ...

बापूय : तुमच्या आशिर्वादाखातीर श्याम आनी शकुंतला तुमगेर वतलीं अशें म्हणटालीं.

प्रोफेसर : म्हज्या आशिर्वादा खातीर... आं... आं... आं... हांव इतलो जाणटो दिसता तुमकां ?

बापूय : तुमी ब्रह्मचारी... पिरायेचो प्रस्न तुमकां लागू जायना...

प्रोफेसर : म्हाका आतां सत्तेचाळीस जालीं... तुमचे धुवेचे पिराये परस म्हजी दुपेट पिराय ... एक उगडास जालो... विचारूं? शकुंतला तुमगेली धूव... म्हळचार तुमी ल्हानाची व्हड केल्ली तुमगेली पोसकी...

बापूय : ती स म्हयन्याची आशिल्ली तेन्नाच्यान म्हजेच सरीं वाडल्या हय अशेंच हांवें आयकाचें तुमगेल्या

प्रोफेसर : व्हडल्या भावाची धूव न्हय ती लग्न जावचे पयलींच तुमगेलो हो भाव भायर पडलो म्हणटात न्हय ?

बापूय : आरे... कोणे सांगलें तुमकां हें ?

प्रोफेसर : देखून शकुंतलेचे आवयन आत्महत्या केली म्हणटात... खरें हें ?

बापूय : फट... सामकें फट पाडा पडलें ह्या संवसाराचें... हांगा न्याय बी कांय नाच

प्रोफेसर : कसो ना तर ? श्यामान ताचेकडेन लग्न केलें ना ? देखूनूच हांव म्हणटालों तुमी मोटे भाग्यवंत... आवय बाबडी लग्न करचे पयलींच मेली .. पुण धुवेचें लग्न जालेंच... बरें, वचूं मू आता हांव ?

बापूय : मात्शे रावात. म्हाका तुमचेकडेन कितें उलोवपाचें आसा..

प्रोफेसर : (वतां वतां) उलोवया... तातूत कितें ? धुवेचें लग्न करून तुमी हुस्क्या मेकळे जाले आनी हांवूय बायल भुरगीं नाशिल्ल्यान हुस्क्या मेकळो जियेतां सबंद आयुष्य पडलां मुखार जाय तितलें उलोवपाक (हें हें हें हांसता. आवाज पयस वता.)

(अल्प विराम)

बापूय : (एकलोच आपणाकडेन उलयता) हो प्रोफेसर शकुंतलेकडेन लग्न जावंक सोदतालो. देखूनूच ताचें मन इतलें कोडू जालां काय कितें ? शकुंतलेनूय अशें कितें सांगिल्ले-शें दिसता म्हाका . (उस्वास सोडटा) हूं .. (पासयो मारता) म्हणूनूच तो म्हणटालो जावंक जाय... पिरायेवेलो चलो चली एकठांय येतकच मोग केल्या बगर तांकां रावंकूच येना...

(भायलें दार उक्ते जाल्याचो आवाज) मनोहर श्याम अनुसुया उलयत येतात आवाज इल्लो इल्लो लागीं येता. एकामेकाचें आयक नासतना उलयत येतात.)

मनोहर : म्हाका खरें दिसना...

अनुसूया : दादले मनशाचो अहंकार हो ..

श्याम : निखटी कल्पना ही. आवज लागीं येता आनी थांबता...)

(अर्द मिनटा उपरांत)

श्याम : दारांतूच हिरण्यकश्यपूभाशेन उबो कित्याक रावला तूं मनोहर ? भितर यो मरे...

मनोहर : नारे श्याम... उशीर जालो आतां (अनुसूयेक) या मुगो अनु ?

शकुंतला : खंय वता तूं अनुसूये ? काफी घे आनी वच... (बापा-

यक) एकलो एकलो बसून वाज आयलो जातलो न्हय ?

बापूय : (हांसत हांसत) खबर आसा कोण आयिल्लो तो ? आमी एदोवेळ खबरी करीत बशिल्ले ...

शकुंतला : कोण आयिल्लो ?

बापूय : तुगेलो प्रोफेसर ...

अनुसूया : म्हणटकच हांगा घरात बसून शकुंतला नाटक पळेलें जातलें तुमी ...

बापूय : शी : शी ... शकुंतलेची खबरूच येवंक ना ...

मनोहर : अनुसूया किते म्हणटा तें तुमच्या लक्षांत आयलेना ... प्रोफेसराक कालिदासांचीं सगळीं नाटकां तोंडपाठ जाल्यांत ...

श्याय : (भितर वता काफी जायसर दोन कदेला घेवन येता.)

शकुंतला : काफी बेगीन येवची म्हणून बोवाळ हो कदेलांचो ... कळ्ळें अनु ? चल यो भितर वचून काफी घेवन येवया ...

अनुसुया : दादल्यांची जात सगळे कडेन सारकी देवान तांकां घडयना आसतना एकूय आयट वापल्लेली आसूंक जाय ...

मनोहर : (बापायक) तुमी कित्याक हांसतात ते हांव जाणा .. तुमचे मुस्तींत अशें घडनाशिल्लें ...

बापूय : काळ बदल्लो म्हुण सभाव बदल ना .. मनोहर बाब ...

मनोहर : वा अशें म्हणुया कि कदीमकाळासावन चलीत आयिल्लो सभाव सासणाचो तसोच उरता

बापूय : तशें न्हय .. काळ बदल्लो ... बापूय बदल्लो तशी बायल मनीसूय बदल्ली तरूय दोगां मजगतचें अंतर आनी दोगांय मजगतचो संबंद पयली सारकोच उल्ला.

मनोहर : (हांसता) ही एक नवे तरेची रिलेटिव्हीटीची थिअरी दिसता पुण म्हाका दिसता पूर्विल्ले मुस्तींतली लग्नां धार्मिक आसताली देवान घालून दिल्लें कर्तव्य म्हूण लोक लग्न करताले आयची लग्ना ही मोगाची लग्नां लोक आपले इच्छेक धरून लग्ना करतात. तुमच्या काळांर देवाक नाका जायत जाल्यार दादलो बायल वेगळी उरतालीं लग्न मोडटाले ... आज एकठांय रावपाचें मनांत नामत जाल्यार घोव बायलां कुशीक सरतात ... म्हणटकच आता सांगात लग्नसंस्था तिगून कितली उरतली ?

बापूय : तुमीय प्रोफेसरा भाशेन वेगळचो वेगळचो थिअरी रचतात काय कितें ?

मनोहर : (ल्हवू आवाजांत) शी शी ... तुमकां एक गजाल सांगता श्याम जोमेरेन तुमचो जावंय म्हूण उरतलो तोमेरेन प्रोफेसराचें नांव लेगीत घेवं नाका–

बापूय : कित्याक ?

श्याम : हां. घे हाडले कदेल ... आरे तुवें तर तुजो बसपाची व्यवस्था पयलींच केली ....

बापूय : म्हाका नाका तुजें कदेल ... काफीय नाका म्हाका ... हांव फक्त तुमची वाट पळेतालों (वता)

श्याम : कितें जालें ?

मनोहर : (हुस्क्याच्या सुरान) तशें कांय ना .. खंय तरी चूक जाल्या ...

श्याम : कोणाची ... खंय ?

मनोहर : हें पळे शकुंतला आसा .. अनुसया आसा . शकुंतलेचो घोव म्हुण तुवें दुष्यंत जावं येता ... हे चौकडींत हांव खंय फीट बसतां ?

श्याम : (हांसता) तू विदुषक ...

मनोहर : कितें म्हळें ? हांव विदूषक ? पिसो ! आनी पिशाकडेन लग्न करपी अनुसुयाय पिशें ? तुजें हें म्हणणे ? राव ताका येवंदी ... आतांच दाखयतां ...

(गंभीर जावन) हांव सांगता म्हाकाय खरें दिसना ...

श्याम : (अजापान) कितें म्हळें ?

अनूसुया : (येता) तुवें पळेलें ? हांचे खातीर दुसरीं कामा करतात आनी हे सुसेगाद कदेलार बसून रावल्यात ... दादल्यांची दादल्यांची जातूच असली निर्लज सामकी ...

मनोहर : दुष्यंत विसल्लो जातलो हें म्हाका खरे दिसना ...

श्याम : आं ... तूं ह्या संबंदात उलयतालो ? निखटो एक कल्पना ती .... कविची कल्पना ...

अनुसुया : कविक कल्पनाच करपाची आसिल्ली जाल्यार शकुंतले बदला ताणे दुष्यंताक शाप दिवपाचो ... आनी शकुंतलेक आपूण लग्न जाल्या म्हणपाचो विसर पाडपाचो म्हजे कडेन लग्न जा अशें म्हणून पायां पडपी घोवाकूच लग्ना उपरांत म्हाका तुज्या घरांत घे अशें म्हणून बायलेक पायां पडपाचो प्रसंग उबो ताचेर हाडपाचो. हो दादल्यांचो अहंकार आनी कांय न्हय ..

शकुंतला : कोणाकूय विसर पडूं, कथेचें म्हत्त्व उणें जावंचे ना कळ्ळें तुका अनुसुया ?

अनुसुया : हें तुका कोणे सांगलें ?

शकुंतला : कोणे कित्याक सांगूक जाय ... दोघांयनीं एकामेकाचे सम्मतीन लग्न केलें. पूणून हांची परिक्षा घेवंक जाय ... कसवटणेच्या फातरार हांकां घासून पळोवंक जाय अशें कालिदासाक दिसलें जावये म्हुण ताणे लग्नाचो विसर घालो ... उपरांत याद जाली ... याद जाल्या उपरांत एकामेकांक जोडपाची इत्सा जागी जाली होच खोरो मोग ... विसर पडप बरें अशें दिसलें दिसता ... जालें. इतल्यान सोंपलें ...

अनुसुया : सोंपलें म्हळ्यार ? भुरगें जालें ताचें कितें ? (श्याम हांसता.) तू कित्याक हांसता ? भुरग्याचें ओजें बायले माथ्यार चडोवन हांसप हो तुमगेलो दादल्यांचो सभाव ...

श्याम : अशें न्हय अनुसुया ... कशेंय जावं तें (मनोहर हांसता ...) तू कित्याक हांसता मनोहर ?

मनोहर : (अनुसुयेक) सांगू श्यामाक कालिदासाच्या नाटकाचो म्हजेर कसलो परिणाम जाल्लो तो ..

अनुसुया : कसलो परिणाम ? दुष्यंता भाशेन तुवेंय एक मुदी दिल्ली.

श्याम : (हांसता) तशी शकुंतलेक हांवेय मुदी दिल्ली.

शकुंतला : तुवें दिल्ली मुदी केन्ना शेणिल्ली.

श्याम : खऱ्यानीच तो शेणिल्ली आसत जाल्यार हांवय दुष्यंता-भशेन लग्न जाल्याची खबर विसरतलों...

मनोहर : हांवें मुदी दिल्ली तो दुष्यंतामाशेन न्हय. हांवे अनुसुयेक कितें सांगिलें तें विचार ताकाच तूं श्याम, हे मुदयेर जितलीं अक्षरां आसात तितल्या वर्सांनी नोकरी सोडुन...

अनुसुया : मुदये वेल्यान याद जाली (हांसतां) सात–आठ म्हयन्या पयलीं प्रोफेसर सायब मेळिल्लो... (मनोहर खांकता. अनुसुयेक आडावपाचो यत्न करता. खांक वाडत वचूंक जाव... मदींच मनोहर म्हणटा, ' हें पळे मिस अनुसुया. इतल्यान ताच्या हातांतलें काफयेचें चिक्र सकयल पडटा आनी फुट्टा'

श्याम : आरे रे... पायाक बी लागलें ना मूं ?

शकुंतला : चिक्र दितनाच हांव सारकें दिवंक पावलें ना . सारकें धरूंक जाय आशिल्लें हांवें.

अनुसुया : फुडलें आयक प्रोफेसरान कितें म्हळें खबर आसा ? (मनोहर खांकता) तार्ण म्हळे, ' गुरुदक्षणा मेळ्ळ्या म्हाका ' संस्कृतचो प्रोफेसर जालो आनी शकुंतला शिकोवपाक लागलो ' ताचे प्रायश्चित हें (अनुसुया हांसता... मनोहरूय मोटचान हांसता.)

श्याम : (हांसत हांसत) मुदी कसली, भांगराची. रूप्याचो कांय दुर्वेची ? (शकुंतलेक) शकुंतला तूं करू नाका तें काम... चिक्रपिरी सोमरांत व्हरून दवरून येता हांव ..

अनुसूया : अशें ? (मनोहर परतो खांकता.) ती मुदी खऱ्या भांगराची आशिल्ली. ताजेर काळजाची एक आकृतीय (परत मनोहर मोटचान खाकता.)

शकुंतला : राव. हांव दवरून येतां ..

श्याम : तूं कितें दवरतलें ? तुका मादें चिक्र हातांत धरूंक येना... (एकेवटेन श्याम : हांगा दी म्हजेकडेन दी आनी शकुंतला : आसूं रे हांवूच दवरून येता . दोगांय भितर वतात.)

श्याम : तूं रे खंय वता मनोहर ? हांवूय येता ..

(अर्द मिनटाचें मौन

मनोहर : (रागान पुणून दबिल्ल्या आवाजात) ए, इतलो खांकलो आंतकडचो लेगीत हालल्यो म्हज्यो आनी तुज्या लक्षांतूच कांय आयलें ना

अनुसुया : म्हाका खंय खबर ? तूं म्हाका शिटकायतलो म्हुण .. कित्याक शिटकायतालो ?

मनोहर : श्यामामखार प्रोफेसराचें नांव घेव नाका...

अनुसुया : कित्याक ?

मनोहर : तें म्हाका खबर ना... ताका तें नांव सोंसना... असो हालींच म्हाका दुबाव येवपाक लागला... (शकुंतला येता-शें पळोवन) चल, या आमी आतां

शकुंतला : खंय वतात ? वचून कितें करतली ? खबरीच करतली. मू दोगांय ?

मनोहर : दोगांय म्हळ्यार ? आमचो प्रेमविवाह म्हूण खबर ना तुका शकुंतला ?

अनुसुया : (हांसता.) तें हाका सांग. (हाशिल्ल्यान फुडलें उलोवंक पावना)

मनोहर : हांचोय प्रेम विवाहूच.

श्याम : आयच्या काळार दुसरे तरेंची लग्नाच जायना.

मनोहर : हाचें कारण

श्याम : चल्या चलयाचें मेळप आयच्या काळार सोपे जावन पडला

शकुंतला : पुण प्रेम विवाह वेगळो आनी कामविवाह वेगळो.

मनोहर : जालें. अनुसुये या आमी आतां... बायलांच्या तोडांतल्यान अशे कितें भायर सल्लें म्हणटकच ताचो अर्थ .

अनुसुया : ताचो अर्थ एकूच. बायलो आतां स्वतंत्र जाल्यात. चल या आमी आता.

मनोहर : चल, तूं मुखार सर. बायलांनी मुखार चलप हें सुसंस्कृत पणाचें लक्षण.

अनुसुया : (तिडावणेंच्या सुरांत.) अशें ? मुखार काळोख आसल्यारूय ? (श्याम आनी शकुंतला मोटचान हांसतात. मनोहर आनी अनुसुया भायर वतात. पयस पाविल्ल्याचो आवाज उपरांत अर्द मिनिट सगळें शांत.)

श्याम : (हांसत) तूं म्हजी परिक्षा बी घेवक मोदतालें काय कितें शकू ? मुदी शेणली म्हूण कित्याक सांगलें तुवे ?

शकुंतला : इतलो जीव आसा काय कितें मुदयेचेर तुजो ?

श्याम : (हांसतूच पुण ल्हवू) जीव आसा काय विचारता ? आतांच कळ्ळे तुका हें? तुवें जे म्हळे तें हांवे खरे मानिल्ले आनी पिश्याभशेन कितेंय पिशेपण करून बशिल्लों जाल्यार तूं कितें करतले आशिल्ले ?

शकुंतला : कितेंय पिशेपण म्हळ्यार ? धर मुदी शेणली जाल्यार तूं किते करतलो ?

श्याम : आमच्या एकामेकांच्या मोगाचें प्रतिक तें हें जाणा मूं तूं ?

शकुंतला : ना... खरोच मुदी शेणिल्ली .. जाल्यार तूं खरेंच पिशेपण करतलो आशिल्लो ?

श्याम : असलो प्रसंगूच येवचो ना केन्ना. कित्याक बेश्टें येवजुया ? ... (शकुंतला रडपाक लागता.) आरे हें किते जाले शकू ? किते आगळे उणे उलयलो जाल्यार तुवें लावन घेवप मनाक ? (शकू हुंदके दिता) आनी हेवटेन पळे मुगो पापया .. तुवें रडपाक कित्याक जाय... पूर्विल्ले मुस्तींतल्यो चलयो रडटाल्यो... म्हजी कितें चूकबीक जाली व्हयगो ?

शकुंतला : (रडतूच) म्हजीय चूक ना...

श्याम : (हांसून) तूं मेळटा तेन्ना तुजी चूक पळोवपाची इत्साच केन्ना जायना. ओगीच भियेता कित्याक गो तूं ?

शकुंतला : (शांत जावन) मागीर तुवें हे गजालीक म्हत्त्व कित्याक दिलें ?

श्याम : म्हत्त्व कित्याक दिलें... तुका कायच म्हत्त्व ना ह्या गजालिचें ? तो मुदी आमच्या मोगाची कथा सांगता...

ती शेणली अशें तुवें म्हळें नेन्ना ही कथा सोंपली अशें म्हाका दिसलें .. परत केन्ना फकाणानी लेगीत अशें म्हणूं नाका आं...

शकुंतला : (घुटमळचात पडून) फकाणानी ? न्हय फकाणानी न्हय...

श्याम : (धसको लागिल्लेवरी) कितें फकाणानी न्हय म्हळचार खरीच शेणली ? (शकुंतला रडपाक लागता.) मुदी शेणली .. (तिडकीन. आनी अधिकाराच्या सुरान) शेणली काय....

(पॉज. संगीत)

शकुंतला : (काचाबुल जावन) कोण ? बाबा, कितें जाय आशिल्लें ?

बापूय : (म्हऱ्यांत येवन) कांय नाका .. तुवेंच म्हळे न्हय... तुगेले मित्र आज चाक येवपाचे आसात म्हण . म्हण येवजिल्लें मात्शें अशें भायर वचून येवचें म्हुण म्हळचार हो आतां पावस पडूंक लागलो म्हुण आयिल्लों कितें मेगझीन आसा जाल्यार पळोवपाक...

(शेल्फ उस्तीता.)

शकुंतला : भितल्ले कुडींत मॅगेझीना आनी पुस्तकां आसात हाडून दिवं... ?

बापूय : नाका. हांगाच आसा ती पुरो...

शकुंतला : (हांसून) तीं पोन्नीं...

बापूय : पोन्नी जांव नवीं वेळ पासार जावपाक उपकारता ..

शकुंतला : खरें.

बापूय : (अजापन) खरें ?

शकुंतला : (हांसून) हांवूय वेळ पासार करपाक पोन्नेच कितें वाचतां...

बापूय : कितें ना कितें करून वेळ पासार करप हे जाणटेपणाचे लक्षण...

शकू : भुरग्यांचेर वेळ पासार करपाचो प्रसंग येना ?

बापूय : (म्हऱ्यात येवन) पोन्ने म्हळचार गेल्ल्या काळांतलें पैलीचें. आदलें पोन्ने कितेंय वाचप म्हळचार पयलींच्यो यादी काडप .. यादी काडप हें जाणटचाचें काम... म्हाताऱ्यांचें ... वाडट्टचा भुरग्याचें न्हय ..

शकू : (हांसत) हांवूय यादी करीत बशिल्लें...

बापूय : (हांसत) कोणाच्यो ?

शकुंतला : म्हज्या आईच्यो ... कशी आशिल्ली काय ती ?

बापूय : (फटीचो हांसो) हें गो कितें ? केन्नाय आयली ना तिचीशी याद आज अकस्मात आयली...

शकुंतला : याद काडपा सारकी नाशिल्ली व्हय तर ती ? तुवेंय म्हाका केन्ना कांय सांगलें ना... म्हण विचारतां ... म्हजे पसून लिपोवपा सारके कितें आशिल्ले तिच्यांत ?

बापूय : लिपोवन दवरपा सारकें ? कांय ना .. केन्ना प्रसंगूय आयलो ना. तुवें विचाल्लेंच ना .. आनी हांवेंय सांगले ना...

शकुंतला : तरी आसतना लोकां कडल्यान कळळचाबगर रावलें ना.

बापूय : कितें ? कोणे कितें सांगलें तुका ?

शकुंतला : (ल्हवू आवाजान , कोणे म्हाका कितेंच सागूंक ना... तरी आसतना लोक म्हजे कानार पडसारखें उलयले. म्हजी आई खंय लग्न जावचे पयलींच भायर पडिल्ली...

बापूय : शी . कोणाक काय खबर ना...

शकुंतला : म्हणुनच लोक मनांत येता तशें उलयतात . खरें सांग म्हजी आई कशी आशिल्ली ?

बापूय : (गंहिवरून येता.) तुजी आई...

(अर्द मिनिट मौन... शकुंतला हुंदक्यानी रडटा तें आयकूंक येता.)

बापूय : शी... पिश्या, रडूं नाका... तुका सत्य कितें तें जाय मूं ? तर आयक... तें सत्य रडपासारके न्हय... अभिमान धरपा सारकें... तुजी आई देवता आशिल्ली देवता...

शकुंतला : (हुंदक्यानी विचारता.) आनी म्हजो बापूय ? म्हाका बापूय नाशिल्लो

बापूय : (मोटचान हांसता.) पिश्या, खंयचे पिरायेर कसले प्रश्न विचारता गो तूं... (मात्सो थांबून आपणा कडेन उलयल्ले वरी) म्हजो भाव तुगेलो बापुय म्हगेलो धाकलो भ व... तो आनी तुजी आई दोगांय एकामेकांच्या मोगांत पडिल्लीं .. जाणटेल्यांनी तांकां लग्न जावक दिलें ना... तुजी आई म्हज्या भावाची प्रेयसी आशिल्ली... काळजासावन तो तिचेर मोग करतालो . ताणे म्हळें लग्न नाका जाव ती म्हजी प्रेयसीच उरतली... आनी प्रेयसी म्हणुनूच तो तिचे कडेन वागपाक लागलो... तो अखेर मेरेन कोणाकडेन लग्न जालो ना... लग्नाच्या संस्कारा बगर दोगांयनी मोगाची तपश्चर्या केली हे तपश्चर्येचें फळ म्हळचार तूं... (अर्द मिनिट मौन) हें खरें... तुवें जें किते आयकलां ते फट ..

शकुंतला : म्हळचार, हांवें जें कितें सांगलां तें फट ?

बापूय : तुवें सांगलें, कोणाक सांगलें ?

शकुंतला : हाका...

बापूय : (अजापान) कितें श्यामरावाक सागलें आनी किते सांगलें .. लग्न जावचे पयलीं तुका जल्म दिवन ती गेली म्हणून ? हें केन्ना सांगलें लग्ना पयलीं काय मागीर ?

शकुंतला : लग्ना पयली...

बापूय : (उस्वास सोडून) हें खबर आसुनूय ताणे तुजे कडेन लग्न केलें हाचो अर्थ तुज्या आवय बापायची मोगाची तपश्चर्या सफल जाली सार्थक जाली... असोच करचो पडटा.

(भायर कोण आयिल्ल्याचो आवाज)

शकुंतला : कोण आयला–सो दिसता भायर... (उठून वता.) हें गो कितें ? एकलेंच आयलें आनी ह्या पावसान ?

बापूय : कोण आयलां गो ?

शकुंतला : अनुसूया , रेनकोट फाफुट्टा तो आवाज आयकूंक येता.) कितें गो हें... सामकें भिजून चिप्प जाला मुगो हें...

अनुसूया : (लेमान नाक पिळटां... थंडी जाल्या.) कितें म्हळें तुवें?

शकुंतला : भिजून चिप्प जालां म्हळ्ळें हांवें...

अनुसूया : (सकयल पडिल्ली सत्री वयर काडटा.) एक वर्स जालें हे खबरेक ..

शकुंतला : आगो, हांव सांगता कितें आनी तं जाप दिता कितें ?

अनुसूया : एकूण एकूच गो जे दिसा लग्न जालें त्याच दिसा भिजून चिप्प जाल्लें आतां पावसान भिजलें म्हणून अजाप कसलें ?

(बापुय मोटचा मोटचान हांसता.) वयर गडगडटा आनी जोगलावता आनी हांगा सकयल रेबो जाला. जीव वाटा-वपा खातीर पळून वतलें म्हळें तर पांय निसरतात. बरें, थंयच उबें रावतलें म्हळें जाल्यार शियान आंग कुडकुडट्टा. कितें करतलें ! नशिबांत आयलां तें भोगचेंच पडलें. हय, पुण तुका सांगुंक सोदतालें तें विसल्लेंच... तुजे दुष्यंताक पिशे लागलां. मुदयेचेर थिसिस बरोवंक बसला म्हुण आयकल्लें

शकुंतला : पयलीं भितर यो– हात पांय आंग पुसून काड मागीर उलोवपाक बस...

(अर्द मिनटाचें मौन)

बापुय : (भितर चिक्रपिरयांचो आवाज आयकून) भितर चाची तयारी चल्या जावंक जाय हो खंयचो पेपर ? (पेपर हातांत घेता आनी ताचे वयलो धूल्ल फाफूडटा) कसलोय जांव वेळ पासार करपाक उपकारता.

(मेजार चिक्रपिरयो दवल्ल्याचो आवाज आयकूंक येता.)

अनुसुया : तूं कितेंय म्हण... तुगेल्या घरकाराच्या गोमटेर कोण तरी बसला... तेदूस आमी नाटक पळोवन आयिल्ली न्हय तेन्नाच्यान म्हाका एक भास जावपाक लागला कि तो जो थिसिस बरयता म्हणटा ताचो संबद तुमच्या मोगाकडेन आसंक जाय ..

शकुंतला : तुजें म्हणणें कितें, मोगाचे काणयेन मुदयेक म्हत्त्वूच ना ? हनुमंतान सितेक रामाची मुदी दाखयल्ली.. दुष्यंतानूय शकुंतलेक मुदी दिल्ली... असल्यो आनीकूय जायत्यो काणयो मेळटल्यो... 'मोगांत मुदयेची सुवात' हो विषय घेवन थिसिस बरोवंक येवचो ना म्हणटा तूं ?

अनुसुया : बरो येत.. पुणून मुदयेर थिसीस बरोवपाक तुगेलो घोव आदले जल्मांत शेट आशिल्लो व्हय ?

शकुंतला : (ल्हवू आवाजान) खरें सागूं अनू ? त्या दिसा हांवे म्हळें न्हय मुदी शेणली म्हूण . ती खंय दवल्ली ती म्हाका यादूच जायना पुणून ती नाशी पळोवन ताका म्हजो दुबाव येवपाक लागला.

अनुसुया : तुजो दुबाव येवपाक लागला ? तर तुवें आनंदान नाचूंक जाय शकू... घोवाक बायलेचो मोग नापसंत जाल्यार तो बायलेचो दुबाव बिबाव घेवपाच्या भानगडेंत पडना .. आनीक एक खबर सांगतां... म्हज्या अणभवाची... एक दीस कितें जालें आमी दोगांय सिनेमाक गेल्लीं मात्यें आयक मोगाची काणी .. तिवूय बी... आमी थेटरांत पावलीं तेन्ना तो म्हणपाक लागलो . नूं हांगा उबें राव हांव तिकेट काडून येतां... तुका खबर आसा .. जेन्ना एक बायल मनीस एकलीच आसना तेन्ना भोवतणचे दादले तिका तुकू तुकू करून पळोवपाक लागतात. आपणाक आवय भयण आसा म्हणपाचे लेगीत ते विसरतात इतले निर्लज्ज जावन ते पळोवपाक लागतात... असल्या प्रसंगार तूं जर भियेलें वा लजलें आनी नजर चुकोवन सकल पळोवपाक लागलें जाल्यार जालें .. सोंपलें तुजें.. हें हांव जाणा आशिल्लें म्हूण हांवें कितें केलें हांवूय एकल्याक तुकू तुकू करून पळेत रावले... इतल्यान तिकेट घेवन हो आयलो .. चल या अशें म्हणून तो म्हाका भितर घेवन गेलो .. ताका म्हजी तिडक मारिल्ली... ताची वाचाय धरिल्ली... आमी म्हज्यांत बसलीं. सिनेमा पळेलो... घरा परतलीं... ते मेरेन हाका उतर फुटूंक नाशिल्लें... घरा मात पावल्यात म्हजेर उसळ्ळो... तुकू तुकू करून कोणाक पळेतालें ? हांव जाप दिनाशी पळोवन आनीकूय तापलो करतां करतां ताणे म्हजेर हात उबाल्लो... दादल्यांचो सभावूच हो मात कितें जाल्यार पुरो उबाल्लोच हात ताणे ताणे हात उबाल्लो पुणून हांव जाणा आशिल्लें तो म्हाका मारचो ना... हांवें कितें केलें... हांवूय तिडकलें. आनी म्हळें जो बायलेक पातयेना जाचो तिचेर विश्वास ना... ताणें घरदारबी घेवन कित्याक बसूंक जाय ? हांव रावचेंना हांगा... हांव चल्लें... अशें म्हणून खऱ्यानीच हांव भायर सल्लें... जाल्यार हाणे कितें केलें खबर आसा ? दांत ओंठ चाबून म्हज्या म्हऱ्यांत आयलो... म्हजो हात घट्ट धल्लो आनी म्हणंक लागलें ऐ, खंय वता ? हात उबारप हें मोगाचें लक्षण... घोवाचो मोग बायलेचेर आसा हेंच तो दाखोवन दिता.' हें आयकतकूच हांवे म्हळें बायलांचो घोवावेलो मोग दाखोवपाची म्हजेकडेनूय एक तरा आसा. चाबकानी धरून बडोवन काडूंक जाय घोवाक... (शकुंतला हांसता.) फुडें कितें जाले आयक.. म्हजी जी ताका तिडक मारिल्ली ती म्हज्या पातिव्रत्याचो दुबाव आयिल्लो म्हूण न्हय .. तिकेट काडपाक तो कावंटराचेर उबो राविल्लो तेन्ना भोंवतणच्या दादल्या भशेन तोय म्हाका तुकूतुकू करून पळेतालो. तातूत बुकींग क्लारका कडल्यान उरिल्ले पयशे घेवंक तो विसल्लो... (दोगांय हांसतात.)

शकुंतला : (थोडोवेळ थांबून) हाचो दुबाव खूब मुखार गेलो...

अनुसुया : तशें जाल्यार आफय सगळ्यांक हांव सगळ्यांक एक कथा सांगतां

शकुंतला : कसली !

अनुसुया : वनवासांत आसतना एक दीस कृष्ण द्रौपदी आनी पांडूय

पांडव एका रूखा सावळेंत बसून खबरी करताले. इतल्यान वयल्यान हरवें फळ सकयल पडलें... तें पळोवन कृष्णान म्हळें- फळ पिकलें म्हणटकूच तें गळून पडटा... हें अजून हरवेंच आसा... पिकचे पयलींच पडलें .. अन्याय हो .. आतां पळोवया आमच्यांतलो कोण आपणाल्या पुण्यायेच्या नेटान ताका परतें देठाक दसयता तो... तेन्ना द्रौपदेन म्हळें पातिव्रत्याच्या पुण्या परम व्हडलें पुण्य दुसरें कसलें आसुं-येता... तेन्ना कृष्णान म्हळें बरें आसा... तूं तुजे पुण्यायेन दसोवन दाखय... द्रौपदेन दोळे धांपले, देवाक उलो माल्लो आनी म्हळें. कायेन वाचेन आनी मनान हे पांच घोवांचेर सोडून हांवें दुसऱ्या खंयच्याय दादल्याचेर नदर घालूंक ना हें खरें आसत जाल्यार हें फळ परतें देठांक वचून दस्... अशें म्हणून तिणे दोळे उगडले जाल्यार तें फळ पडिल्ले थंयच आशिल्लें... हें पळोवन पांडव कितें उलोवचे पयलींच कृष्णान म्हळें स्वयंवरा वेळार एक खिणापुरतो जायना कर्णाक पळोवन द्रौपदेन ताका वेचून काडिल्लो

शकुंतला : मुखार कितें जालें ?

अनुसुया : आनी कितें जातलें ? काणी हांगा मोंपली...

मनोहर : (भायल्यान येता.) आयकलें सर... तुवेंय पळेलें मरे श्याम... आमी हांगां पावसान भिजतात आनी हीं हांगा एकमेकांक काणयो सांगतात.

शकुंतला : चल हाकां चा घेवन येवया. अनु .

प्रोफेसर : कसली कथा चलिल्ली ?

अनुसुया : द्रौपदेची... तुमकां दादल्यांक नीतिचो पाठ शिकोवपाक बरी...

प्रोफेसर : (हांसता) तशें जाल्यार आमकांय सांग पळोवता...

अनुसूया : नवें अशें कांय ना तातूंत... द्रौपदेक आपल्या पतिव्रत्याचो अभिमान आशिल्लो... कृष्णान तो निवळायलो...

प्रोफेसर : कसो ?

अनुसुया : लग्ना पयलीं द्रौपदेन कर्णाक पळेल्लो आनी खिणा पुरतो जांव ताच्या गळ्यांत माळ घालपाचो विचार तिच्या मनांत आयिल्लो...

श्याम : (तिरस्कारान) म्हाका दिसता... वायलांचो हो जल्मस्थ गुण...

प्रोफेसर : श्याम म्हणटा तें खरें न्हय...

मनोहर : कितें खरें न्हय ?

प्रोफेसर : सृष्टीत प्रकृतिचो एक नेम आसा ! पाठ शिकोवपाची तिची एक तरा आसा...

मनोहर : सर रागार जांव नाकात आ... तुमचो विद्यार्थी आशिल्लों तेन्ना पाठच पुस्तक मुखार आसून लेगीत तुमी कितें म्हणटात तें म्हाका समज नाशिल्लें... आतां तर खंयच्या विशयाक धरून तुमी सांगतात तेंय समजना.

प्रोफेसर : प्रकृतीचो एक नेम आसा (थांबून ,तुवे किते विचारिल्लें मनोहर ?

मनोहर : आताचो विशय खंयचो ? हें विचारिल्लें.

प्रोफेसर : अनुसुया द्रौपदेची काणी सांगतालें न्हय. लग्नपयली खंय द्रौपदेन कर्णाक वेचून काडिल्लो.

शकुंतला : कितलीय जाल्यार काणीच न्हय ती एक ...

श्याम : हय पुण सराचें म्हणणें हे काणयेंतूय एक पॉइंट आसा...

प्रोफेसर : तुवे जो पोइंट दाखयलो तो सारको न्हय हेच हांव सांगूक सोदतालो

मनोहर : (समजूंक नाशिल्ले वरी) म्हळचार' तातूंत पॉइंट आसा पुणून तो सारको सांगलो ना.. होच मू पॉइंट तुमचो ?

प्रोफेसर : अशे न्हय.. श्यामान म्हळे न्हय, घोवा भायर दुसऱ्या दादल्याची ओड दिसप हो बायलांचो जल्मस्थ गूण म्हुण.

मनोहर : ताणें तशें म्हळ्ळें आसत जाल्यार तें चुकलां...

प्रोफेसर : ना... तो चुकूंक ना...

मनोहर : चुकूंक ना ? तुमी तर निकतेच म्हणटाले...

प्रोफेसर : ना. हांवें तशें म्हणूंक ना .. एक खरें बायल दुसऱ्या दादल्या कडेन पळेना पुण तिचो तो जल्मस्थ गूण ह्या म्हणण्या फाटल्यान जो एक सूर लिपिल्लो आसा तो म्हजे नदरेन खरो न्हय... आतां हेंच पळे माजर आपणाल्या पिलांक हुंदीर कशे धरचे हें शिकयता... पळेलां व्हय तुमी हें केन्ना ?

मनोहर : आमचीच गत हुंदरावरी जाल्या... पळेतले कितें कपल !

शकुंतला : ही चा तुमची न्हीवली... आनी हें खाण हाडून दवल्लां तें खावपाकूय तुमी विसल्ले...

प्रोफेसर : मांजर कितें करता जाणा ? एक तिरांटो मुखार दवरता आनी तो हुंदीर धरून पिलाक हुंदीर कसो धरचो तें शिकयता.. हे भशेन प्रकृतिय दादल्या बायलांक लग्ना पयलीं एकामेकांक कशो आकर्शीत करची हें शिकयता... एक फावट ती विद्या हातांत आयली म्हणटकूच मागीर माजराची पिलां खरे हुंदीर धरूंक लागतात...

मनोहर : (समजल्या वरी उत्साहान) म्हळचार बायल दादल्याक धरता...करेक्ट न्हय हे सर ? (अनुसुयेक. ; कळ्ळें मूं अनू ? हाव तुगेलो खरेलो हुंदीर आनी दुसरो दादलो तिरांटो... (प्रोफेसर हांसता.)

श्याम : तर तुमचे म्हणणे कितें सर... लग्ना पयली बायल मनशेन कितल्याय दादल्यांकेण मोग करचो तांतूत चूक कांयच ना ..

अनुसुया : (व्यंगान) ना. ना. ना. हे तरेचो मोग करपाचो अधिकार दादल्याचोच...

शकुंतला : पुण तो मोगूच न्हय अशें सराचे म्हणणे

पोफेसर : (खुशाल भरीत जावन) करेक्ट. द पॉइंट हेज बीन वेल टेकन... हें खरें उत्तर .. तो मोगूच न्हय जाल्यार मागीर तो कितें... (श्यामाचो मानसिक संघर्ष सुचोवपी शांत संगीत.)

प्रोफेसर : हांव म्हजीच एक गजाल सांगतां.

शकुंतला : तुमकां कोणाक आनीक चा जाय व्हय ? नाय जाल्यार

भितल्यान वुल भरून हाडटां...

प्रोफेसर : एक खेपे कितें जालें... (याद येतकच ताका हांसो येता.)

श्याम : तुमी तुमची गजाल सांगताले न्हय सर,

प्रोफेसर : हय. तिचो उगडास जावन हांसो आयलो. (हांसता.)

अनुसूया : हूं म्हाकाय उगडास जालो ...

मनोहर : (उगडास जाल्ले वरी) हय, लक्षात आयले म्हज्या आतां... कळ्ळें म्हाका... (हांसता)

श्याम : (तिडक आळाबंदा हाडपाचो यत्न करता) तुमची गजाल इतली हासपा सारकी आसत हें खबर नाशिल्लें म्हाका...

मनोहर : खबर नाशिल्ली कित्याक ? तुकाय खबर आसा...त्या दिसा तूंय आशिल्लो. तुजेच घरांत तर सांगिल्ली सरान ती (सराक) तीच मूं सर ? कोणे तुमकां मुदी दिल्ल्याची खबर...

श्याम : (तिडकीन) तेंच तर हांव विचारता... कसली खबर काय म्हुण...

अनुसूया : हाका चा हाडपाक इतलो वेळ कित्याक लागलो... पळोवन येतां मात्शें...

प्रोफेसर : कांय गजाली खूब नाजूक आसतात...

श्याम : दोगीय भितर गेल्यात... आमीच हांगा आसात. दोगीय येवचे पयलींच सांगून कित्याक उडयना सर...

प्रोफेसर : (कुवाडेच्या भाशेन) तुमचे म्हजे भितरच हां... एक खेपे कितें जालें जाणा... हांव क्लास सोपोवन भायर आयिल्लों इतल्यान सर, सर म्हणीत एक चली म्हज्या फाटल्यान धावत आयली... आतां हांव जे सुवातेर असल्यो गजाली जायते खेपो घडटात... तसो एक सादो दाखलो म्हुण घेवपाचो हो...

श्याम : आमचे वळखिची व्हय तर ती चली...

प्रोफेसर : (रागार जावन) वळख देखीक कसले म्हत्त्व आसा ? एक गजाल समजावन सांगपाखातीर दाखलो दिता हांव... खंयचेच चलये आड कागाळी सांगपाखातीर उलयना हांव...

श्याम : सॉरी सर...

मनोहर : हां, मागीर... एक चली फाटल्यान धांवत आयली... फुडें कितें जालें ?

प्रोफेसर : हय, आयली... तिणे एक प्रस्न विचाल्लो.. दुसऱ्याय दिसा आयली... दुसऱ्याय दिसा तिका हांवें समजावन सांगलें... मागीर म्हाका दुबाव आयलो... म्हळें, इतली शाणी चली ही भौन भौन एकच प्रस्न कितें विचारता... (हांसता) मागीर लक्षात आयलें... ती प्रस्न विचारपाक येनाशिल्ली... (कुवाडचाच्या भाशेन) कित्याक येताली कळ्ळें आतां ?

मनोहर : तुमच्या मोगांत पडिल्ली दिसता... (हासता)

प्रोफेसर : नॉनसेन्स्.. मोग ब्रिग कित्याक म्हणटात ते बावडेक खबरूच नाशिल्लें... निमाणे एकदीस येवन तिणे म्हाका म्हळें, सर, हांव तुमका केन्ना विसरपाचे ना... तुमी मात विसरतले... ह्या उतराक हांवे म्हळें... ए : कितें उलयता गो तूं... तुजेसारके हुशार चलयेक कसो विसरतलो हांव ? त्या उतराक तिणे म्हळें : तशें जाल्यार क्षमा करात म्हाका सर. म्हजी याद तुमकां उरची म्हुण म्हजी ही खूण तुमकां दितां... गुरदक्षणा. अशें म्हणून तिणे आपल्या बोटांतली मुदी काडून म्हज्या बोटाक घाली आनी पळ्ळी...

श्याम : मुदी कसलीशी आशिल्ली ?

प्रोफेसर : ती कोणे पळेल्या ? कांय दिसा उपरांत हांवें तिका ती परती दिली...

अनुसूया : चला... या आतां आमी... तुमचे कडेन उलोवपा सारके म्हत्त्वाचें कितेंच ना...

प्रोफेसर : अशें म्हणूं नाका अनुसूया... खऱ्यानीच म्हत्त्वाचो विशय हो...

मनोहर : कालिदास शिकयताना तुमी अशेच म्हणटाले...

प्रोफेसर : आजून तेंच सांगतां... मदांच सांगीत आयलां.. प्रेम, मोग एक अशी शक्ती कि जो सृष्ट निर्माण जावचे आदींच आशिल्ली 'आशिलीं' म्हणटा हांव... निर्माण जाल्ली म्हणी ना हांव.. कित्याक कळ्ळें ?

शकुंतला : ती अनादि म्हुण .. जें अनादि ताका जल्म ना...

प्रोफेसर : जिस्त सांगलें तुवें... तूं हुशार चली ..

श्याम : आं ! (दुबावान) म्हणटकूच हीच ती हुशार चली आशिल्ली जावंक जाय...

प्रोफेसर : हांवें सांगले न्हय, नाटकांत बायलेचें वर्णन करून दादलो प्रभावित जाता आनी तिचेकडेन लग्न जाता. तो मोग न्हय म्हूण... मोग आनी लग्न हांचो कांय संबंद ना. मोग म्हळचार तादात्म्य... दोन जीव एकामेकांक एकरुप एक जीव जावप... दोन कुडी एक काळीज .. बमवेश्वरान कितें म्हळां खबर आसा ?

कालिच्या लग्ना पयली
त्रिपुराच्या संहारा पयलीं
उमेच्या लग्ना पयलीं
ताच्याय पयलीं ताच्याय पयलीं
आदि आनी अंता पयलीं
इश्टा तूं आनी पुरातन हांव
दोगय

मनोहर : वा ! सुंदर ! (प्रोफेसराची नक्कल करता...) हाच्याय पयली... ताच्याय पपलीं... ताच्याय पयलीं... ताच्याय पयलीं– (जांबय घेत) पावस बंद जालोसो दिसता...

अनुसूया : हय. पुण तुमचीं तोंडां खंय बंद जाल्यांत.

प्रोफेसर : (हांसता) लटीक न्हय... आतां या आमी ..

शकुंतला : (हांसून) ताणे तुमकां म्हणूंक ना...

श्याम : (रागाच्या सुरांत) तांकां इतलेंय समजना ?

(शकुंतलेचो हांसो श्यामाच्या रागान एकदम थांबता. सत्री खंय कोट खंय अशें एकामेकांक विचारीत

प्रोफसर मनोहर आनी अनुविता दार धाड करून बंद केल्याचो आवाज येता. अर्द मिनटाच्या मौना उपरांत)

श्याम : (रागान आनी तिरस्कारान) तूं तूंच मूतो हुशार चलो ?

शकुंतला : तो प्रोफेसर कॉलेजींतलो... ताचेंर इतलो राग कित्याक ?

श्याम : (अधिकाराच्या सुरान) हांव विचारतां तुका शकू.... मुदी तुवें कोणाक दिली ?

(पृष्ठभूमि संगीत ल्हवू ल्हवू करून वाडत वता.)

शकुंतला : शेणली म्हूण सांगली न्हय ...'

श्याम : (तिडकून) फट सामकें फट ..

शकुंतला : (वतांवतां) म्हाका खबर ना.

श्याम : (तिडकून) ए खंय वता ? ये थंय पयस उबें राव.... म्हज्या म्हऱ्यांत येवं नाका मुदी तुवें सराक दिली. हय काय न्हय ?

शकुंतला : घर, दिली तातूंत कितें जालें ?

श्याम : त्या म्हाताऱ्याचेर तुजो मोग ? आनी वयल्यान तातूंत किते जालें म्हूण विचारपाक तुका मातूय लज दिसना गो ?

शकुंतला : तुज्या तोडांतल्याय जें भायर सल्लें तेंच तूं खरें मानतलो काय दुसऱ्यांचेय आयकतलो...

श्याम : आयकुपाचें आनी कितें उल्लां ? त्या म्हाताऱ्याचेर तूं प्रेम करता काय ना ? निर्लज्ज चालचलणूक आसुनूय तुका लज दिसना ?

शकुंतला : म्हाका म्हजी लज दिसना. तुजीच काकुळट दिसता... हांवें जर तुका सांगलें कि तूं सोडून हांव कोण्णाचेर प्रेम करिना म्हूण... तर तूं तें खरें मानतलो व्हय ?

श्याम : ना...

शकुंतला : मागीर हांव कितें करूं ? हांव सांगतां तें सगळें फट अशें तुवें पयलीच थारायलें आमत जाल्यार

श्याम : एक फट तर तुजी उक्ती पडलीच काय ना ?

शकुंतला : खंयची ?

श्याम : मुदी शेणली म्हणपाची...

शकुंतला : कितें केल्यार तुजो म्हजेर विश्वास बसतलो ?

(श्यामाचो आवाज वाडत वता– तशेंच संगीताचो आवाज वाडटा)

श्याम : विश्वास आतां कसोच बसपाचो ना. कसोच विश्वास बसपाचो ना... कोणाचेरूच विश्वास बसचो ना असो तुवें म्हाका करून उडयला . तूं आनी हांव आतां एकठांय रावप आतां शक्यूच ना. ना. आता एकठांय रावप शक्यूच ना तूं मुखार आमतकच म्हाका म्हज्या पौरुषाचें प्रेत मुखार आशिल्ले वरी दिसता...

(संगीत वयर आयिल्लें ल्हवू ल्हवू शांत जाता. आनी मागीर उदास जाता. सामान बांदून आपटिल्ल्याचो आवाज.

बापूय : (काम सोपोवन पुरो जाल्या भशेन उस्वास सोडटा) बरें तर आमी चल्लीं आतां शामराव. । जापेची वाट पळेता पुण जाप मेळना जाल्ल्यान मात्सें मोटचान) आय-कलें ? आमी चल्लीं आतां... (यात्रनेच्या सुरान) नवें नवें भानीक कांय सांगपाचें ना. तरी आसतना धुवेच्या सुखाचो विचार करून जें सांगलें तेंच परतें सांगतां.

श्याम : कांयच सांगपाची गरज ना.

बापूय : तें हांव बरे भशेन जाणा... कोणाक कितें सांगपाचो प्रस्नूच येना. कोणाक विचारून तुमी लग्न जावंक नाशिल्लीं.

श्याम : आतांय कोणाक विचारपाची गरज ना.

बापूय : बरें आमा– तुमी एकामेकांच्या सम्मतीन लग्न जाल्लीं आतांय एकामेकांकडेन उलोवन मात्सें....

श्याम : उलोवपाचें आता कांयच उरूंक ना... सगळें उलोवन जालें...

बापूय : (हासुन) अशें कशें जातलें श्यामराव ? लग्नापयलीं कितलेशेंच म्हैने विचार केलो आतां चार दिसांनी तो सोपलो. अशे कशें जावंये ?

श्याम : (तिडकीन) तुमचें कितें म्हणणें ? आमी सद्दां उठून ह्याच प्रश्नाचेर उलोवन झगडत रावचें ?

बापूय : अशें न्हय .. तुमी दोगांय बुदवंत शिकिल्लीं संवरल्लेलीं... स्वतंत्र विचाराची. काळ बदल्लो पुणून दादल्याचो जो अधिकार तातूंत बदल घडून आयलो ना... दादलो पयलीं आशिल्लो तसोच उल्ला. घोवपण गाजोवपी. म्हूण म्हणटा थोडो विचार करून पळे. मागीर पश्चात्ताप करपाक नाका–

श्याम : (अजापान) पश्चात्ताप ! (खंची सुरान) ताणे स्पष्टच सांगलें न्हय, आपणे ताका वेचून काडलो खरो पुण आपले प्रेम ना म्हूण हाचो अर्थ कितें ?

बापूय : (हांसून) म्हाका कितें विचारता ? हांव पुर्विल्ले मुस्तींतलो मनीस. तुमी आयचे भुरगे... तुका ताचो अर्थ कळूंक जाय आशिल्लो... हांव इतलेंच म्हणीन असली चली मेळपाक नशीब लागता...

श्याम : (उपहासान) हय तर ! दुसऱ्याक मन दिवपी बायल मेळपाक नशीबूच जाय.

बापूय : न्हय. तशें न्हय. ताणे दुसऱ्याक मन दिवंक नाशिल्ले... आपणे दुसऱ्याक पसंत केल्लो पुण तें प्रेम नाशिल्लें... अशें मेकळेपणान सांगपी बायल मेळपी नशीब जाय म्हळां हांवें...

श्याम : (वाद सोपोवपाचे सुरान) असले मेळ नाशिल्ले विचार कित्याक आतां ?

बापूय : (मान्सो हट्टान) मेळ नाशिल्ले विचार कोणाचे ? म्हजे कांय तुजे ? बायल मनीस स्वतंत्र जावंक जाय अशें तूं म्हणटा. आयचे काळार गरज पडल्यार लग्न मोडपूय गरजेचें .. अशेंच म्हणटा आनी तेच वरोबर बायल पतिव्रता आसूंक जाय हो पोन्नो विचारूय तूं मानता... म्हुण म्हणटां मात्सो भिनर वच आनी एक फावट मेकळे-पणान उलय... हय, पुणून एक सांगतां घोवाच्या नात्यान

न्हय... तूं घराचो मालक... एक जबाबदार मनीस ह्या नात्यान उलय...

श्याम : तुमचें म्हणणे म्हाका कळूंक ना.

बापूय : भितर वचून उलयतकच मागीर कळटलें... घर तुजेंच भंय कोणाचो ?

श्याम : (तिडकीन पांय आपटिता आनी वता) शीं :

बापूय : (एक लांब उस्कार सोडटा इतल्यान एक कोण आयिल्ल्याचो आवाज आयकूंक येता) कोण ? तुमी ? हांगा ह्या वेळार ? (सत्री सकयल पडिल्ल्याचो आवाज) आसुनी पडूनी ती थंय...

प्रोफेसर : घरांत कोण ना काय कितें ?

बापूय : (खंतीच्या सुरात) घरच उरूंक ना मागीर भितर आसतलो कोण ? येयात बसात... ताकतीक आसा व्हय तुमकां वचपाची ?

प्रोफेसर : ताकतीक कसलीच ना... सगळें सोपलें...हांवे सोडचीट दिली म्हज्या कामाची...हें सांगपाक आयिल्लों.

बापूय : कोणाक ?

प्रोफेसर : श्यामाक आनी शकुंतलेक.

बापूय : तिंवूय एकमेकांक सोडचीट दिवन मेकळीं जाली...

प्रोफेसर : अशें ? अशे जालें ? ते चली कोण तें...हय अनुसूया ताणे म्हळळें हांवे कितें तरी पिशेपणा केली म्हुण... देखून अशें कितें जायत ह्या भयान ती आडावपाक आयिल्लों...

बापूय : आपणे पिशेपणा केलीं अशें समजुनाका तुमी... लग्न जावपाची इ:सा आसुनूय लग्न जावपाचें काळीज नाशिल्ले ब्रह्मचारी असलीं पिशेपणा सदांच करीत आयल्यात

प्रोफेसर : कितें म्हळें तुमी ? (तिडकीन) हांव बेजबाबदार मनीस ? बाकिच्या भल्ल्यान म्हाका तुमी अविवेकी मानतात ?

बापूय : (व्यंगान) तुमकां इतलो स्वाभिमान आसा जाल्यार बाकिच्या सारके न्हय, सामान्या भायले अविवेकी अशें मानन...

प्रोफेसर : तुमी कोणाक अविवेकी म्हणटात खबर आसा मूं तुमकां ? शे ..असल्या लोकां कडेन उलोवपांत कांय अर्थ ना... बरें हांव चल्लों... तांकां मात सांगात आं..हां सोडचीट दिवन हो गांवूय सोडून वता म्हुण..

बापूय : तुमकांच विसरपाचो प्रस्न जय उप्रामला थंय तुमी गांव सोडून चल्ले म्हूण सांगपाचो प्रस्न खंय येता ?.

प्रोफेसर : हांव हांव शी : (तिडक दाबून) बरें तर चल्लो हांव, नमस्कार (नमस्कार करपाक हातार हाता मारिल्ल्याचो आवाज)

बापूय : (एक उस्वास सोडून) गेलो पुणन सत्री विसरून गेलो... परतो येतलो... (परतो उस्वास सोडटा) आता भितर कितें चल्लां तें पळोवया...

(भितर वता. अर्द मिनिट मौन मनोहर अनुसूया येता.)

मनोहर : (व्हवू .. फुनफुनून) भितर वचप बरोबर न्हय... केन्ना पसून तुका हांव हें सांगतां... अरे, सत्री... तो आयला काय कितें गो ?

अनुसूया : (सदच्या आवाजांत) कोण ?

मनोहर : शू: मोटचान उलोवं नाका... दुर्वासाचो सत्री... ही ती पळे त्या कोनशाक.

अनुसूया : (दांत ओठ चावून) तो दुर्वास न्हय... दुर्वासाचो श्राप तो श्राप... कित्याक येवचो ना ? आयिल्लो आसल्यार बरेंच जालें... आयजूच मोक्षमोक्ष लावन बचूंया...

मनोहर : (आदल्या परस व्हवू आवाजांत) तूं एक... आपणालो हट सोडचें ना. घाय जालो म्हणटकच ताका मलम लायतात आनी वयर पट्टी बांदतात . घाय पेखतकच पट्टी काडून कोयरांत उडयतान... तांच्या दोगांयचे घायाक आमी पट्टे मारकीं .. काडून भायर उडयतलीं... शीत रोम एक जातकच दोगो भायर उडयना त्या भाशेन

अनुसूया : (रागान) पुरो पुरो... खूब जालो तुगेलो वेदांत...

मनोहर : शूऽ .. हो तो पळे शकुंतलेचो बापूय येता...

बापूय : आरेच्या केन्ना आयलीं तुमी ? बसात सांगून येतां शकुंतलेक... (खानावेली एक जड वस्त सकयल दवल्लेल्याचो आवाज)

मनोहर : हें कितें ? बॅग कित्याक ? खंय भायर वचपाचे येवजिलां काय कितें ?

बापूय : (हासून) कसल्याय प्रसंगाक सदांच तयार रावप हें जाणटेपणाचें लक्षण...

मनोहर : (फटीचो हांसो हांसून) हें लटीक न्हय . श्याम आसा भितर ?

बापूय : हय सांगून येतां...

मनोहर : हांवूच भितर वेतां.

(अर्द मिनिट मौन. अनुसूया दु:ख सोसूं नज जावन हुंदक्यानीं रडूंक लागता.)

शकुंतला : केन्ना आयलें तूं अन् !

अनुसया : (रडें थांबोवपाचो यत्न करीत) निकतेंच (परतें हुंदक्यानी रडटा.)

शकुंतला : (पुरो जाल्लेवरी सुरांत) हांव वनकच तूं रडटलें अशें म्हाका दिशिल्लें पुणून म्हजी वचपाची तयारी पळोवनूच तूं रडपाक लागलें... अशें उबें कित्याक ? यो बस.

अनुसुया : (आपणाक सावरून) शकू, म्हाका कांयच लिपोवं नाका... कितें कितें घडला तें सांग... तुज्या वचपाच्या बेतांत हांव आडखळ हाडपाचें ना..

शकुंतला : तूं म्हजी प्राणापरसूय प्रिय मैत्रीण... हांव तुका दु:खांत उडयनशें दिसता ?

अनुसुया : म्हाका कांयच दु:ख जावपाचें ना शकू... तुजे दु:ख हांव पयस करूंक पावलें जाल्यार म्हाका सुख भोगतलें... साग

श्यामरावान तुजेर आरोप केल्यात न्हय ?

शकुंतला : ना. हावेंच सगळें कबूल केलां...

अनुसुया : ताणे लायिल्ले आरोपूय कबूल केल्यात ?

शकुंतला : आरोप न्हय. आरोप म्हळचार बदनामी... हांवे कुबूल केल्यात ती बदनामी न्हय तर सत्याची जापसालदारकी–

अनुसुया : खंयचें सत्य ?

शकुंतला : हें पळे... म्हाका सांग मनोहराचो तुजेर मोग आसा काय ना ?

अनुसुया : (रागान) ना म्हणूनी ताका पळोवया ...

शकुंतला : पुणून हय म्हुण तुज्यान सांगूं येता ?

अनुसुया : म्हळचार ?

शकुंतला : सट्ट करून जाप दिवंक येवचां ना... मनोहराचो तुजेर मोग आसा हें तूं मानतलें ते मेरेन सगळें बरे भाशेन चलतलें... पुणन एक फावट दुबाव येवंदी मागीर मोगाचें साम्राज्य सोंपलेंच म्हुण समज. कित्याक मनोहराच्या काळजांत कितें आसा तें ताकाच खबर आसतली.

अनुसुया : ऊं हूं... म्हाका पटना... हांव तुका एक प्रश्न विचारूं ?

शकुंतला : हय. विचार...

अनुसुया : आतां तुजे बरोबर रावप म्हाका शक्य ना अशें श्यामान तुका सांगलें हें खरें ?

शकुंतला : हय. आतां तो ताच्या घरा... हांव म्हज्या घरा...

अनुसुया : म्हळचार तुजेर फटिचो आरोप करून तो...

शकुंतला : तरी तेंच ! पिश्या ताचे नदरेन आरोप फट न्हय... सत्य... (आवाज ल्हवू करून) भिनर यो... आतांच कळटलें... (इतल्यान श्याम भितल्यान येता)

श्याम : आरोप फट न्हय खरो हें तुज्याच कानानी आयकलें मूं मनोहर ? आनी कमलो पुरावो जाय ?

अनुसुया : ताचो अर्थ तुका वा तुजेसारकिल्याक कळपाचो ना... शकुसारकें उदार काळीज तुका आशिल्लें जाल्यार...

श्याम : अनुसुये, मोगांत काळीज ल्हानूच बरें.

अनुसुया : अशी तुजा इत्सा आसत... पुण बायलांक आपणाभायर दुसरे जिवा खातीर रक्त आनी मास दिवचें पडटा... (मनोहर ल्हवू खांकता.)

श्याम : तुका खबर ना. अनुसुया.

अनुसुया : म्हाका सगळें खबर आसा... तुजे ते मुदयेक कितें मोल आसा ? ते चकचकीत धातूच्या कुडक्याक लागून मोगाचो एक जीव ना करप ? राव गो शकू .. म्हाका खंय ओडून व्हरता ?

श्याम : मुदयेक व्हडले–शें मोल ना गो... ती खऱ्यानींच शेणिल्ली जाल्यार म्हाका वायट दिसचें नाशिल्लें... पुण आतां ती मुदी एका संकटाची निशाणी जाल्या.

मनोहर : हो चुकिचो समज श्याम–

अनुसुया : चुकिचोच न्हय दुश्ट... (उलयतां उलयतां तिचें तोंड कोण धांपता. पयमल्यान...) तुका स्पश्ट मांगतां तुजो हो समज चुकिचोच न्हय तर घातमारो.. (शकुंतला अनुसुयेक ओडून भितर व्हरता.)

(थोडोवेळ थांबून.)

मनोहर : सोड श्याम... अनुसुयेचो सभाव तूं जाणा...

श्याम : (आपणाच कडेन) दुश्ट, घातमारो...

मनोहर : सायबा, विसर तें सगळें...

श्याम : बिसर म्हुण सांगप सोपें. जे खिणाक तो दुबाव तकलेंत भितर रिगलो ते खिणापसून म्हजी विसरपाची शक्तीच ना जावन गेली... कितें करूं ? म्हजी गत्तूच अशी जाल्या कि हांव कितेंच विसरूंक पावना.

श्याम : जे पयली विसल्लेलों तेंय आतां व्हडलें रूप घेवन मुखार उबे रावता... म्हाका विसरूंक आयिल्लें जाल्यार कितलों सुखी जातलो आशिल्लों मनोहर !

मनोहर : शो... दुबाव करीत कितें बडबडट्टारे तूं... फाल्या जेन्ना तुज्यांतलो हो दुबाव ना जातलो तेन्ना तुकाच दिसतलें येदे–शे ल्हान गजालीक आपणे केदें व्हडलें रूप दिले तें...

श्याम : गजाल ल्हान आसू वा व्हड आसूं...दुबाब तो दुबाव... बोट कापिल्लें आसूं वा हात, दोनायची दुखो सारकीच. ती दुखी आनी दुबावाची दुखीं एकूय.

मनोहर : तुका एक गजाल विचारूं ? सारकी जाप दिनलो मूं ? खऱ्यानींच तुका शकुंतला व्यभिचारिणी दिसता ?

श्याम : (घुटमळटा) ना. पुगून...

मनोहर : राव प्रोफेसर धर मूर्ख... तो तुका फटींग दिसता ?

श्याम : ना.

मनोहर : मागीर तुज्या दुबावाक कारण कितें ?

श्याम : ताणे म्हळें न्हय ..

मनोहर : कितें म्हळें ?

श्याम : तें फट उलयल्लें जाल्यारूय म्हाका वायट दिसचे नाशिल्लें

मनोहर : हय रे, पुण ताणे कितें म्हळ्लें तें सांग मरे ..

श्याम : (घुटमळट्टा) ताचो प्रोफेराचेर मोग आशिल्लो.

मनोहर : ऊं... (मात्सो येवजिता) असो हागा यो श्याम... हांगा. हें पळे,

श्याम : कितें आसा थंय पळोवपा सारकें . एक शेल्फ ताचेर वयर...

मनोहर : इंग्लीश भाशेंतलीं काय नेमाळीं . असो हांगा बस हांव दाखयता.

श्याम : कितें सांगूंक सोदना ?

मनोहर : बाबा बस मात्सो मागीर सांगतां हांव शिकतालो तेन्ना लोक म्हाका मूर्ख म्हणटाले. पुण हांव मूर्ख नाशिल्लों... हांव म्हजी बुदद वापरिनाशिल्लों. ताका लागून बुद्धीचें म्हजें भांडवल सोंपूंक पावलें ना. :

म्हजेकडेन ते अजुनूय उल्लां. हीं इंग्लीश नेमाळीं, इंग्लीश पुस्तकां इंग्लीश साहित्य हें वाचून आमची वाड जाल्या हें एक... दुसरेवटेन आमचो सनातन धर्म, पूर्विल्ली

संस्कृताय हानूंत आमचो जल्म जाला. राव इंग्लीश पुस्तकांनी बायल मनीस स्वतंत्र, दादल्या इतलेच समान अधिकार तिका आसूंक जाय म्हणपाचें तुवें वाचलां... तुवें तें मानलां... हे वटेन बायलांचो पांवडो उणाक... ताणो पतिव्रताच जावन रावंक जाय तेंय तुवें मानलां... हां मूर्ख रे... म्हाका कांयच कळ ना. तूंच सांग दो भितल्लें कोणाचें खरें? (आवाज मात्सो वाडयता.) सांग मरे. कांय हांवूच दिवं जाप... तुजे वतीन... आमगेली पूर्विल्ली संस्कृताय तुगेल्या रक्तांत भितर घोळटा आनी हें जें तुवें इंग्लीशीतल्यान वाचलां तें तुगेल्या ह्या कपड्याभशेन बयल्यान ओल्लां. हे कपडे तुका सोबनात देखून (आवाज आनीकूय वाडयता) सभाग्या, हे कपडे अशें (पुस्तकां आनी नेमाळी मोखून मारता) अशे काडून मोखून मार (टण करून मुदी मोखून पडटा.)

श्याम : आरे! ही पळे मेळ्ळी! मेळ्ळी! (मुदय फाटल्यान धांवता.)

मनोहर : (एक उस्वास सोडून) कितें मेळ्ळें?

शकुंतला : हे कितें? पुस्तकां नेमाळीं हेवटेन तेवटेन कित्याक मोखून माल्ल्यांत...

श्याम : (खुशाभरीत जावन मेळ्ळी .. निमाणे मुदी मेळ्ळी ..

बापूय : निमाणे मुदी मेळ्ळी पळेलें अनुसुये! पश्चात्ताप करपाचो प्रसंग आयलोच म्हणपाचो ..

अनुसुया : पश्चात्ताप करपाचो न्हय प्रायश्चित घेवपाचो ... असल्या मनशांक सात जल्म पयशे दिवनूय बायल मेंळपाची ना कळ्ळें?

मनोहर : अे... चल या आमी आतां. तूं उलोवपाक लागलें जाल्यार थांबपाचें ना... आतां आमचे हांगा कांयच काम ना...

शकुंतला : खंय वतात? इतले वेळ बसली आनीक मात्शी बसात.

श्याम : शकुंतला...

शकुंतला : कितें?

अनुसुया : अशीं तुकतुकू करून आमचेकडेन कितें पळेता? नाक घश्टी पायांकडेन ताच्या ..

मनोहर : आयकलें तुवें? चुकलो म्हण आनी नाक घश्टी...

अनुसुया : इतल्यान भागना– परतून केन्ना असल्या पिशेपणाचो दुबाव घेंवचो ना... अशें म्हण.

मनोहर : आतां मन साफ जालें म्हरे...

अनुसुया : तूं सांगशीत तें हांव करतलों अशें उतर दी–

मनोहर : मनोहरासारके बरे मित्र सांगतात तें आयकतलों अशें म्हण.

अनुसुया : कान धर आनी तीन प्रदक्षणा काड.

बापूय : आतां मात्शें श्यामरावाक उलोवंक दियात मुगो.

(थोडो वेळ कोण कांय उलयनात.)

श्याम : शकुंतले,

शकुंतला : राव मात्सो...

श्याम : (विनंतीचे सुरांत) हांव परत केन्ना...

शकुंतला : पश्चातापान कितेंय उलोवन परत पश्चाताप करपाचो प्रसंग येंवक जायना...

श्याम : अशें म्हणूं नाका गो... तुजे बगर म्हजे जिवीताक अर्थच ना

शकुंतला : म्हज्याय काळजांत तुजे शिवाय आनी कोणाक सुवात ना.

श्याम : म्हजेय काळजांत तुजेशिवाय आनी कोणाक सुवात ना...

शकुंतला : हांव जाणा... पुणून...

श्याम : पुणून कितें?

शकुंतला : तुज्या मन त मोग आमा आनी सभावांत दुबावूच आसा.

श्याम : हांव चुकलो म्हुण तुका सांगलें न्हय...

शकुंतला : चूक तुजोच एकल्याची न्हय... पुराय पुरूस जातिची– तुमचो दादल्यांचो सभावूच हो... एक फावट एकल्याचेर मोग करतले. आनी मोग.

–अ–

With Best Compliments From :

ONLY THE BEST MAKE HISTORY

HERSONS

(THE FIRST NAME IN SPRINGS)

Herson is known for quality, Thear of reliability has been by making product which meets The Sringent Standard of Original Equipment Automobile Manufacturers.

When You Need Springs Ask For Hersons.

Hersons (India) Steel Industries

OFFICE :
Nandanvan Apartments,
Luis de Miranda Road,
Margao–Goa.

FACTORY :
Shed No D2-26,
St. Jose de Arael,
Margao Industrial Estate,
Margao-Goa.

HERSONS Telex : 196-205
Phone : 2<975 21246

कविता : उत्पत्ती आनी तिचें प्रयोजन

– राम बाळकृष्ण प्रभु चोडणेकार

मनशाक जगताना या संवसारांत आयिल्ले अणभव आनी हें मनशालें जीवन, निसर्गांतली आनी भूगोलांतलो परिसर, ताचें सांस्कृतिक जीणेंचे आसप हीं सगळीं ललीत वाङ्मयाची सामुग्री म्हणची पडटा. कवी आपल्या अणभवांतल्यात कलेचें विश्व निर्मिता, दरदिसाच्या जीणेंत आमी ज्या भाशेंत उलयतात तातूंतय काव्याची रूपां दिसून येतात. मनीस गद्य उलवच्या पयलीं काव्यांत उलयतालो अशें कायजण मानपी आसात. काव्य हें भाशेचे मूळरूप आनी गद्य हें मागीर निर्माण जालें आसा अशें मत्त विचारवंत मांडटात. शब्दाच्या उच्चारांतल्यान आनी त्या शब्दांच्या अर्थांच्या माडणेंन काव्य निर्माण जाता. उच्चाराक नाद आसता. वाचप्याक कविता वाचताना कवीक जाणवल्ले अर्थ उकते जातात आनी हे अर्थ तें काव्य वाचताना कवील्या मनातल्या अर्थांच्याकय प्रभावी आसूंक शकतात. कवी शिवाय जरीय कवितेची निर्मणी जायना, तरीय वाचपी आसल्याशिवाय ताच्या कवितेची रूच घेवप, त्या बरपाक 'कविता' म्हणपाची मान्यताय दिवप हें शक्य जायना. कवितेचो वाचप्याचेर कितें, आनी कसलो परिणाम जाता हें पळोवनच तिचें स्वरूप आनी मोल थरता. दुसऱ्या ललीत लेखकांच्यापरस कवील्या अणभवाक जावे वरवी म्हत्व मेळटा शा प्रेरणाचे मीलन तो सादता. हातूंत कांय विरोधी प्रेरणाय ताच्या मनात येवन तो एक सुंदर रचना तयार करता. कवीले शब्द वाचप्याल्या मनात त्या प्रेरणाचो मूर्तिमंत आकार उबो करता. कवीक त्या रचनेमंबंधो आयिल्लो अणभव म्हळ्यारच कविता.

भावनेची जाण लय, अर्थ आशिल्लो आशय मेळनच कविता जल्मता. भाशेंतल्या वेगवेगळ्या शब्दांकं अणभवांचे आकार दिल्ले आसतात; कांय शब्दांतल्या अणभवाचे आकार अनेक अर्थांत आसतात असल्या नाजूक शब्दांत कवितेंत आनी साहित्यांत म्हत्व आसता. ताच्या मागीर वाक्यां परिणाम थारायतात एकेक अणभवांचो आकार दुसऱ्या अणभवाक कारण आसता आनी अशा रितीन तर्काक बादा दिनाशिल्ली रचना करतगर ती कविता जाता. तांतूंत विविक्षीततरेन संवाद, विरोध आनी तोल हाचो लय साधन हे अणभवाचे आकार मांडटगर एक ललीत कृती तयार जाता, तीत छंद, उपमा, रूपकां, प्रतिमा असले अलंकार तशेंच वेगळ्या तरेची भाशा, पद्धती गरज आसता. हे सगळे प्रकार कवितेच्या आशयांक संबंधीत आसताच अशें ना. कविता ही बरी आनी दुसरी वायट हें थरोवंक मेळना. या कलेंत कवितेची समीक्षा करताना एकात लय बरो जमला दुसरींत तो तितलो ना हाची फोडणीशो करपाची कसोटी या कलेच्या समीक्षाशास्त्रांत बसना. या खातीर कवीनच आपल्या कवितेचें रसग्रहण बरोवन दवरूंक जाय. दुसऱ्या कलांच्या मळार ती निवड करपांक त्या त्या रुलांत रंग, सूर, दाटाय, प्रमाण असले घटक आसतात तसे काव्यांत नासतात. शिवाय सगळ्याच्योय रूची वेगवेगळ्यो आसतात जण एक कलाकृतीत तीची स्वताचींच अशी रूपाची वेगळेपणां आसतात. या रूपांक नियमांनी बांदल्यार कवितेची रूच घेवप हें ज्ञानाच्या वाढीक बांध घालील्ल्या परी जातलें.

जीण जगताना मनशाक जे अणभव येतात तातूंतल्यान तो घडणूकांचो आनी मनशाच्या चाल-चलणूकेचो संबंध समजुन घेत आसता हातूंतल्यानच तो आपणाल्या आनी दुसऱ्याच्या चित्तवृतीचे अंदाज, अनुमान करीत आसता. ह्या स्थीर चित्तवृतीकच आमी स्वभाव नातर स्थायीभाव म्हणटात अशे वेगवेगळे स्वभाव सगळ्या मनशांक आसतात.

प्रेम करप, रागार जावप भिवप, आपणाली आवडटी वस्त ना जातर शोक करप, जाय ते मेळोवपाक पोटतिडकेन यत्न करीत रावप हें मगळ्या रसिकाक पळोवंक मेळटा. काव्यांत त्यो ह्योच गोष्टी कोणा एकटाच्ययो नासतात, त्यो मगळ्या जनाच्यो जाल्यो आसतात. या खातीरच वाचपी तातूंतलो जावन वता. काव्यांतलें शोकाचे वर्णन, भव्यतेचे आनी भयाचें पवित्रता आनी हीनवृतीचें दर्शनान बाचप्याक चितपाक पडटा, कारण तीच्यात कविता म्हणून वेगळे अशें कितेंनरी गांगिलें आसता. वाचप्यांच्या वेलेवयर जाणपाच्या शक्तीच्या भायर रवताचे अशें कवितेक रुप आशिल्ल्यान तिचो वेगवेगळो अर्थअन्वय ते लावंक शकतात आनी तो अर्थ वेगवेगळ्या रुपांत दाखयतात कविता करप हें आपणाक जाय तेन्ना घडोवपाची वस्तू न्हय .कवितेंत जर अशें, तर तशें कित्याकजालें ना, आनी तर्काचें प्रमाण सोदूंक मेळना· काव्यांतल्यान अतृप्त उरिल्ल्या इत्सांची तृप्ती घडटा. कवी कवितेंतल्यान पात्रां निर्माण करून ताच्या सपनांक तो वेगळो वेश दिता आनी व्यक्तीचो संबंध पयस करता. रसिकांच्यो इत्सा भागयता आनी काव्याची तांत्रीक आंगांचे उक्तावण करून दोट्टी आनंद दिता. शब्द तयार जावन मनांतल्यान प्रतिमा स्फुरूंक लागतात, कवीच्या भितल्या अंतस्कर्णात हें शिजप चलना आनी ती कविता घडटा. काव्यरूप नदरेमुखार येवप हें मपनातल्या दृश्यासारखेच घडिल्यान ते विश्वाचें वस्तुनिष्ठ रूप आसता- इंद्रियाक ज्यो संवेदना जातात ताच्यो यादी म्हळ्यारच प्रतिमा काव्यांतली प्रतिकांनीं कवीच्या मनांतल्या प्रेरणाचो थाव घेवंक मेळटा. स्फूर्तीच्या वेळार असो प्रतिमांनी भरिल्लो प्रत्यय येतगर कवी ताका शब्द रूप दिवपाक कुमकुसता, आनी कल्पना शक्तीच्या मेकळ्या वातावरणांत कवींक तो निर्मणी करपाक शक्य जाता. ही क्रीया तो जाग्रत पणाक बुद्धीच्या आनी तर्काच्या योगान संगती जुळवन तें काव्यरूपाचो आकार घेता.

काव्य हे सर्व काळाचें प्रतिनिधीत्व करता. ते एका व्यक्तीचें उरना तर मगळ्या उच्च आनी उदात्त इच्छांतल्यान निर्माण जाता. मनशाच्या तळाच्या भागांत तें मनातल्यान एकमेकाविशी महानुभूती राखता. कवितेतली उक्तायिल्ली भावना कवीच्या नियंत्रणान दामील्ली आसता आनी ती प्रतिकांनी व्यक्त केल्ली आसता. खरें म्हळ्यार, काव्य हें दामील्ल्या भावनाचें दर्शन घडोवन मनाचेर वखद–विसंत करपाचो एक सैमीक उपाय आसा. मनशाले भितलें दुसरे मन भविश्यांत पळोवंक शकता म्हणूनच कवितेंतल्यान मनशालें भविश्य दिसूंक येता. कवी आपणालो मनाचो तोल सुटचो न्हय, मनाक विसव मेळचो म्हणूनच कविता करना आनी वाचपीय तातूत रमून ती वाचता. या खातीर काव्य हें मनोसजातीक मनाच्या रोगांपसून वाटायता. काव्य हें वाचप्यांकडल्यान आयच्या आनी फायच्या जीणेची संथा घेता या खातीर ताचे मोल करूंक नजो. असलें साक्षात्कारी साहित्य हें वंशाची आनी समाजाची निर्मणी तसल्या मनांतल्यान घडयता. आमच्या संस्कृतायेची फांतोड धरून आयज मेरेन भनशाल्या सांघिक अबोध मनाक, मानवी जिणेक संकटांतल्यान वाटावपांत एकाद्या शाण्या मनशाची मूर्त लिपिल्ली आसा. जेन्ना मनशाची जीण विस्कळीत आशिल्ली आनी जेन्ना मोठ्यो चुको घडपाक लागतात तेन्ना या शाण्या प्रतिमेची गरज पडल्या. या शाण्या प्रतिमेन साहित्याच्या सपनानी फुडार पारखुप्याच्या साक्षात्कारान योग्य मार्ग घेवन त्यो चुको निस्तारल्यात आनी मनशाल्या जिणेक वांचयल्या.

(२)

भाशेच्या वरवी भावना आनी जाणिवो हांची जाल्ली घडणूक म्हणजे काव्य. आयिल्ल्या अणभवाक ते अणभव म्हणून ध्यान दीवन रूपका घडयीत रावप हें कवील्या मनात सदाच चलीलें उरता. ताच्या काव्यातल्यान ताव मन तो कसो ते कळूंक येता. ही ध्यान दिवन संवेदना घेत रावपाची क्रीया थांबतगर ताच्या बरपांतली कलेची वृत्ती ना जाता. कविता हें भाशेचें रुप आशिल्ल्यान, ती शब्दाची वेगळ्या अशा ध्वनी चिन्हांनी कळपाच्या अर्थांची एक माळ आसता. ती एकाच तरेच्या मनाच्या अवस्थेत चेपणान शब्दांनी तांचे अर्थ घेवन जल्माक येता. एकाच कवितेन दोन वाचकांक कळीलें आस्वाद सुसंगत आसूंक शकतात.

कविता मनशा कणकणी बदलता तशी काळाप्रमाणय बदलता· काळा बरोबर समाजय बदलत आसता. ताची संस्कृती तागेली श्रद्धा तसेंच श्रद्धा जांचेर दवरिल्ली तीं स्थानाय बदलतात. अणभव घेवपाच्यो तराय बदलत आसतात. समाज जी आशा वापरता तीवय बदलना; तिच्यांतली कांय रूपका बदलतात काय नवी तयार जातात, शब्दांचे अर्थ बदलतात. याखातीर एकावेळावेल्या समाजाक एका वेळावेली कविता अर्थ–पुर्ण दिसताली तशी ती आज दिसतच अशें न्हय, आनी त्यावेळार ज्या बरपाक कविता म्हणून मानलां तशें आजय मानीतच म्हणून सांगूंक येना. जेन्ना कवीन आपल्या काव्यात एकादी भावना ज्या रितीन वर्णिल्यां त्या स्वरूपात ती भावना वास्तवात मेळटा काय कसे, चितपाक लावपाची कविता आसल्यार तींतले विचार, आनी भाव कविता जाल्यार तींतलो आशय वेगळावन नातर तातलो अर्थ सोदपाचो यत्न करतात तेन्ना आमी त्या कवितेची रूच घेनात अशें म्हणूक जाय. कवितेकडेन वाचप्याचें मन दुसरेकडेन घुस्पावन तिका आपल्या अर्थावरवी जे वेगळें काम करून घेवपाचें आसता आनी ती वाचतल्याक जें सोडून काडूंक जाय आसता तेंच कवी कुशीक दवरपाचें आसता. कवितेंत एका फाटल्यान येतल्या शब्दांक तीच्या लयेक आनी एकंदरीत त्या कवितेच्या घटकांक ते बदलूंक जावनये इतले घट्ट स्थान आसता. कवितेंतले वेगळ्या तरेचे विचार आनी भावना वेगळ्या अशा कल्पनांनी अलंकारांनी आनी वेगळ्याच युक्तीच्या मांडणेन कवीन ती कविता पोसवत व्हेल्या ती पसवण तो युक्तीवाद आनी तातलीं भावना योग्य तरेन वर्णिल्या काय कशें हें पारखूनच कविता बरी-वायट थरवचेलें आसता.

कवी खयचोय नवो विचार अथवा भावना निर्मवपाक शकना. भावना ह्यो मुदलाच्योच आमतात. विचार निर्माण करप हें तत्ह-

(पान ३७ पळयात)

सोद

– शशांक सीताराम

मिलितांव, भेंडो आनी गोविंद हे सामके जीवश्च–कंठश्च अश्ट. तिगांलीय नदर अेक. तिगांलीय आवड अेक. साहित्य, कला हातूंत रस घेवपी हे तिगूय. म्हुणूच ' मनशामदीं खंयतरी–खाची कोनशांत जायना कित्याक– अेक कलाकार आमप हें मनशाचे अेक व्हड भाग्य. साहित्यिक म्हुण, नट म्हुण चित्रकार वो संगीतकार म्हुण. असो मनीस भोंवता–फिरतना, बसता–अुट्टना ल्हानसान गजालींत लेगीत सौंदर्य सोदता, अेक परमळीन आनंद अणभवता ' ह्या विचाराचेर तांचे पूर्ण अेकमत आमलें. तिगानय अेकठांय बसून ड्रिंक घेवप ही तांची आनी अेक कॉमन आवड.

तेवेळार ते अशेच बशिल्ले. व्हिस्की पीत गोविन्दाल्या रुमार. तिगांल्याय पोटांत अेक–देड पेग गेल्लो. गोविन्दान आपणे बरयिल्या अेका नव्या कथेचेर चर्चा करूंक तांका मुद्दम आकवन हाडिल्लें. गोविन्दान शेवट– अेण्ड वाचनास्तना कथा वाचप, अेण्ड–शेवट कसो आसचो हें भेंडचान आनी मिलितांवान थारावप अशें ठरिल्लें.

गोविन्द कथा वाचंक लागलो.

अेक–

अशें कितेंय नदरेक पडूचें न्हय म्हूण तर हांव फुडल्या शिटार येवन बशिल्लो, पुणून चुकलें ना. कुशीच्याच शिटार हें होंवर येवन कित्याक बसूंक जाय आमलें ? अशें कितेंय दोळ्यांमुकार दिसलें म्हुण्टरेच म्हाका सामकें फुगमांव जाता ... देवा, तुवें अितले कित्याक दोळे धापून घेतले ? तुजेंकडेन चड कांय मागूंक नाशिल्लें, प्रेम दिवपी–करपी मनीस मागिल्लो .. लग्नाअपरान्त पयल्यान पयलीं हांव तुका मेळूंक गेल्लें. मनासान तुका सांगून घेतिल्लें. ल्हानपणासान तुजोचें आदार आशिल्लो म्हाका. तुवें अशें करप ? अितलो कित्याक निश्ठूर जालो तूं ?

हें होंवर... पळवचें ना म्हळें तरी नदर वताच. अेकमेकांक आदार कशीं दिसतात. केसांर धवमाण चडटरेच लेगीत घोदाल्या खांद्याचो आदार घेवन झेमपाचें भाग्य ! खरेंच भाग्यवान ! सुख भोगपाचेंय नशीबांत आमचें पडटां ! अशोकान मागणी घालतरेच खरेंच म्हाका दिशिल्लें. स्वर्गसुख म्हळ्यार हाज्या व्हड कितें आमत? होच स्वर्ग ! आअीदादाक पळयिल्लें लेगीत म्हाका यांद ना. मामा-गेरच दाडिल्लें. खंयतरी काळजांत घुसमट आशिल्ली. अुमामपुनवेक अुबस वाडटा खंय. म्हाकाय केन्ना केन्नाय तशेंच जातालें. अशोकान मन अुक्तें केलें आनी दिसलें, आतां दुख्ख सोंपलें. घुसमट सोपली. म्हाका आपलो असो कोणीतरी आतां मेळ्ळो, जो म्हजे दुख्खांत वांटेकार जातलो जाच्या दुख्खांत हांव वांटेकार जातलें ... आनी आमचें दोगांचेंय दुख्ख अेकूच आसले. ताकाय आवयबापुय नाशिल्लो. आत्यान ताका व्हड केल्लो.

लग्न. आमच्या दोगांच्याय जीणेंन ह्या मीलनाक अेक वेगळो अर्थ आशिल्लो लग्ना उपरान्तचें वर्स- रेडवर्स ! प्रत्येक दीस नवी अुमेद घेवन येतालो. आपलेपण वाडातालो. ऑफिसांतल्यान दोगानीय येवप केन्नाकाळ अेकमेकांक मेळटळीं ह्या वडीन–तो ८–९ तासाचो विरह लेगीन आमकां असह्य जातालो. अेक वर्स! कशें गेलें कळ्ळेंच ना. उटी म्हैसूर. गोंय! कितली फिल्लीं ! आंजुदीव लेगीन गेलीं. कित्याक ? अितलें कितें आमा म्हुण थंय ? कितें आसा आनी कितें ना हो प्रस्नच नाशिल्लो. आनी आशिल्लीं आमी दोगाय. आमी जंय थंय स्वर्ग. होडेंतल्यान वतना– केदीं ती ल्हारां- केन्नां होडी ल्हाराच्या तेगशेर तर केन्ना खोलखोल ... सक्कला. तक-लेवल्यान ल्हार वेतलें काय दिसताले ... पुणून तरीय तेन्ना भिरांत दिसली ना. दोगांत अेंकठांय आशिल्ली. भिरांत नी नाशिल्लीच. सगळेच गोड सगळेच सुदंर. थंय वचून कितें केलें आनी कितें केलें ना. ल्हान भुरग्याच्याकय पाय्ट जावन भिजलीं नाचलीं.

– जेवणखाणाचें भान नासतना आता कित्याक येतात ह्यो यादी वोंड फुडून वाय्यार हुबिल्लो सांवरी कापूस हो आतां... वर्साबराचेंच हें सगलें सपन आमल्यार देवान दिलेंच कित्यांक ? अेकिडेंटान म्हाकाय व्हरपाची–वांगडाच तर आशिल्ली .. याद म्हुण पोटाक अेक फळ तरी दिवपाचें–ताजेर मन घालून दीस सारतां आशिल्लें ... दितल्याक देव सगलें दिता. नाशिल्याक कांयच ना.

देवा हांवे तुजें कांयच वायट केलें नाशिल्लें. कोणाचेंच वायट चितलें लेगीत नाशिल्लें. मागीर ही ख्यास्त म्हाका कित्याक? वर्साभराचोच स्वर्ग जाल्यार तुवें तो दाखयलोच कित्याक?

ह्या जन्मावर, ह्या जगण्यावर शतदां प्रेम करावे!

कोणाचेर प्रेम करूं...प्रेम करपाचो मनीमच तुवें व्हेलो.

० ० ०

दोन–

सुख–आनंद म्हळ्यार कितें असो प्रस्न केल्यार हांव ह्या घवबायलेकडेन बोट दाखयीन. ह्या अुतारपिरायेंत लेगीत आपल्या वाटचांतलें, अिल्लेशें–आपलें म्हुण घवान बायलेक दिवप आनी बायलेन घवान दिवप खरें सहचर्य हांच्या लग्नाक– लागी येवगंत खरो अर्थ आयला. खऱ्या अर्थान सुखी जीण. जाल्यार आमचीजीण... पयर अमिता मारीली मुलाखत वाचिल्ली. '.. हो लेगीत जीणेचो अेक खेळ आसत. जीणेची अेक परिक्षा आसत. जांव म्हज्या आयुष्याक मेळिल्लो अेक दुश्ट शाप आसत. अमुकच घडणूक आपल्या आयुश्यांत केन्नाच घडची ना अशें म्हणपाचें धाडस कोणेय करचें न्हय. आमच्या जीणेच्या प्रवासाचो आरंभ खंय जाता? वचपाचें आसता खंय आनी पावतात खंय? व्यक्तिस्वांतत्र्याच्यो आमी कितल्योय बढायो माल्यो तरी जीवनाच्या रंगमाचेर, त्या सर्वेसर्वा दिग्दर्शकाच्या मनाआड वचून ल्हानमान हालचाल करपाचे लेगीत स्वातंत्र्य आमकां आसना? म्हज्याच मनातलें अुलयलीशी दिसलें.

पैसो, गाडी म्हळ्यार सुख ह्या विचारांचें हांवुय आसू जाय आशिल्लें. आज खरें सुख भोगता आशिल्ले. अशो अस्वस्थता येना आशिल्ली. नाजाल्यार आमच्या हांका पळयात. तांका पैसो म्हळ्यार जालें. मागीर तो कसोय येंव... आमच्या दोगांल्याय प्रगारान व्यवस्थित चलताले न्हय? मागीर कित्याक जाय ते फटिगपणाचे धंदे? ना! Standard of living! आमकां गाडयेन भोंवक जाय. व्हडव्हड लोकांवांगडा मिरवंक जाय. पार्टो करूंक जाय. आनी म्हुण पैसो जाय... हांव भिकमागणे तांच्या फुटक्या नशिबान तांका मेळ्ळें! आनी खंयचीय बायल आसल्यार केदो अभिमान धरता आशिल्लो आपल्या घवाचो. अभिमान!' 'हागेलोच तो घव हां, दक्षणा पडले बगर हांगचो पेपर हांगा हालचना? ऑफिसान गेल्लेकडेन हें आयकूक कितलें बरें दिसता! नोकरी सोडटा म्हळ्यारूय जायना. म्हयन्याक आयते येतात ते दोन–अडेच हजार फुकट कित्याक अुडवचे?

पैशे! कित्याक ते? अेकूच केलें दोगांनूय वांटून खांवक जें सुख असा ते सुख हे पैशे दीत? ऑफिसांतल्यान येतना मुद्दाम बायलेक म्हुण मोग न हाडिल्ल्या फुलां–फातेंतलें सुख मेळत? भांगर–शिगर नाका आशिल्लें म्हाका, गाडी नाका आशिल्ली. म्हजेखातीर तू तूजेखातीर हांव अितलेंच सुख घवाकडसून मेळ्ळचार पुरो आशिल्लें. ऑफिसांतल्यान हाडिल्ली फुलांफाती व्हडलें अैश्वर्य म्हुण माळटां आशिल्लें. बायल भुरग्यां सांगातान संजेचो च्या घेत T. V. पळवंक जी मजा आशिल्ली ती गाडयेंत बावल्यावरी भोंवतना म्हाका मेळ्ळी ना. व्हडव्हड पाटर्यांनी शोभेची वस्त्र कशी फिरतना मेळ्ळी ना. अुलट वीट येतालो... केन्नाकेन्नाय म्हाका 'असावे घरटें अपुलें छान' म्हणपी 'तो मी नव्हेच' मदल्या फय्याजाची याद येता.

... लग्नाचो पयलोच वाढदीस आशिल्लो तो. खरें तर ते दीस सुटीच घेतिल्ली हांवे. पुणून हाणेच तशें मूचवचेशें दिसतालें म्हाका. पळयल्यार हो सकाळीच अर्जंट काम आसा म्हुण घराभायर. कितें करतलें? सुटी घेवनय निडकीन ऑफिसांत गेलें ऑफिसांतल्यान येवन अुमेदीन किसमीस काजू घालून मावुदाण्याची खीर आनी पुऱ्यो केल्ल्यो. तशो अुल्ल्यो. हो आयलोच तो आपले फ्रेंड आनी तांच्या बायलांक वांगडा घेवन. येतनाच हॉटेलांतल्यान तंदूरी, चिकन घेवन आयिल्लो. मगळे गाडी घेवन भोंवपी फ्रेंड हाजे. घातलें गाडयांत, हाडलें. साडेबारा–अेकमेरेन पियेत बशिल्ले. तांचेवांगडां ताच्यो बायलोय, बियरीचे ग्लास घेवन. म्हाकाय बसपाचो फोर्स केन्नाच असलें पळयलें नाशिल्लें. अुमेदीचो करपून कोळसो जालो. खीर–पुऱ्यो सगळे दुसरे दीस वावराडेन व्हेलें. आजूनय काल घडिल्ल्यावरी येवजता सगलें.

० ० ०

तीन–

म्हाका अेक कळना, लोक बशींत लेगीत, कित्याक वेंग मारून बसतात म्हुण. खांदचार तकली दवरून झेमप! तुमकां घरां ना? घरां करात तुमी तुमचे खेळ आनी रंग. आमचे दोळेमुकार कित्याक? पिक्चरांत गेल्यारूय तेच. वेंगावन नाचप, लोळप. पिक्चरां लेगीत पळवपाची सोडिल्ली हांवे. पुणून तरीय चुकना. खंय ना खंय अशें नदरेक पडटाच.

आता हें तुमकां अेकमेकांचेर पडून न्हिदूंक घर ना? बशींत कित्याक हें प्रदर्शन? तुमी सुखी– मगलें सुख पिवन तुमी तृप्त जाल्यात म्हुणच म्हातारपणात लेगीत तुमचें तारूण्य दिसता. तुमच्या सुखाचे प्रदर्शन आमच्यासारक्यामुकार तुमी कित्याक करतात? तुमकां कितें अधिकार? थुकी गिळून तान भागवपा सारकी आमची थिती आनी तुमी- तुमी अेअर कंडिशण्ड रूमात बसून मजा म्हुण ड्रिंक घेतात.

बशींत सदीच म्हजे पिरायेची अेक तरी चली आकवार दिसता काय म्हुण हांव सोदतां. आतां म्हजो सदाचोच खेळ जाला हो. चलयांक पळवप. तांचे पिरायेचो अंदाज घेवप. मंगळसुत्र सोदप.

ही पळय. म्हजाकय पिरायेन ल्हान आमतली... काकुळट. अितल्या ल्हान पिरायेचेर वैधव्य येवप न्हय... पुणून तरीय कांय प्रमाणात सुखी. म्हजाकय. लग्न म्हळ्यार कितें तें पळयलें. जिणेक पूर्णत्व आयले. खजिनो मेळ्ळो नासत, पोसोबर तरी पूर्ण जीण मेळ्ळी. नाजाल्यार म्हजी जीण... खंयूय गेल्लेकडेन अेकूच प्रस्न– ह्या वर्सा तरी कितेंय आसा म्हगो? वेठेच नकली हांसप तोंडार काकडून किते तरी अुलोवचें पडटा. मिण्टामिण्टाक तोंडार रूपडें चडवप आनी रातच्या काळखंत तें पिदून अुडवन काळखांच्याच साक्षीन दुकां गळवप. ही म्हजो जीण. रडपाक कित्याक जाय!

विचारव सोपें आओ-बाबय समजवणी दितात. अेकतीस बत्तीस वर्सांच्या चलेक ह्या समजवणेतले खरे-खोटेपण कळना ?

आता आता तर लग्न जावन आपल्याच तंद्रेत वचपी खंयचेय जोडपे पळयल्यार म्हाका सामकी तिडक मारता. म्हजो राग हावे दुसऱ्यांचेर कित्याक काडप ? कळटा म्हाका. पुणून घडटा हें अशें. वयात येतमान लग्नाची सपना पळयलीं. आता सपना पळयतल्यांचीच तिडक येता.

देवा, रोकडेच दोळे अुगड रे !

० ० ०

चार-

वेदोळसान ही अजेयाकडेन पळयीत आसा. कितें जाला काय ? जिणे हिका खरे अर्थान पळवपाचे ती मात्र पळयना आसतना सोडून गेली. तीवूय बायलच आनी हीय अेक बायलच. पळय थोडचांक भुरग्यांचे कितलें आसता. नाजाल्यार ती आता अजेयाक कित्याक आपल्या हातांतलें केळे दिता आवयन करपाचे सगळे लाड... हांका अजेयामदीं अितलें कितें दिसलें काय ? ती तर परती परती पळयता. आसल्यार होंवर असलें आसचे. म्हातारपणात लेगीत म्हातारी दिसनात. अजेयाविशी आपलेमदी ती कितें अुलयतात काय ? हें पळयात... हो अेक म्हजे अितलोच दुर्दैवी जीव --- हावूय ताजो आता आवय आनी बापूय... आसतान अशे अेकअेकल्याचे भोग. तुमचे पळय, म्हातारपणान लेगीत तुमका अेकमेकांचो सांगात मेळ्ळा, म्हातारपणात लेगीत तुमची मना म्हातारी जालीं ना. अेकाद्रे तुमचे दोगांचेय विचार-मतां अेकूच आसुयेत. नाजाल्यार.... हे पळय. हांव अेक पिसोच ! म्हजे जिणेत घडले म्हुण सगल्यांच्याच जिणेत घडटां ?..... तें सुंदर आसलें. आवय बापायची लाडाची नोकरचाकरांकडसून काम करून घेवचे. दिसभर व्हिडिओ फिल्म पळवची. नाजाल्यार खंय पासयेक वच्चें. घराकडेन अशेंच चलतालें ताज्या. अितलेंच जीवन ताका कळिल्लें. ताका तें म्हजेकडेन मेळ्ळें ना. केन्ना केन्ना तोंडाक तोंड लागतालें. अशेंच अेक दीस लागलें. रागान कुळारा गेलें अजेयाक सोडून. रोकडेंच परततलें अशें दिशिल्लें. पुणून आयलेंच ना. ताका हांवे कुळारा वचून आफवन हाडूंक जाय आशिल्लें खंय हांव गेलोच ना. भुरग्याक सोडून वचपी आवयक हांव सन्मानान कसो आफवन हाडूं ? जालें. आमचें बंधन सोंपलें. कायदचान.

म्हण म्हण्टा, सगळ्यांकच तुमचेवरी जीण मेळना अेकेक फावटीं दिसता नशीब - जन्मगाठी म्हण्टात ते खोटे नासये.

० ० ०

गोविन्द वाचपाचो थांबलो. ताणे कागत मकल दनल्ले. ग्लास अुकलून अेक व्हड घोट घेतलो ते अुलयात आतां ताणे शिगार पेटयले.

'तू अुलय रे भेंड्यां' ग्लासांतली व्हिस्की मिलितांवान ताळ्यात रकयली. परतो ग्लासांत देडेक पेग ओतलो. सोडान ग्लास भल्लो.

फिल्टर लासतामेरेन भेंड्यान दम माल्लो. अेकदोन मिण्टा ताणे गंभीर जावन चितलें.

गोविन्दान भेंड्यालो ग्लास आपणाकडेन घेतलो व्हिस्की -सोडान भरुन तो परतो भेंड्याकडेन सरकिलो.

'हागाच तुज्या कथेचो अेण्ड जांव येता. होच. हांगाच. जण-अेकटो आपापल्याक दुखीं समजता. दुसऱ्यापरस... नाजाल्यार-' भेण्ड्यान ग्लास अुकलून तोंडाक लायलो. 'नाजाल्यार तें होंवर खरें होंवर न्हयच. ती अेकमेकालीं घवबायलां न्हयच अशे कितेंय तरी अेण्डाक दाखवपाचें, भेण्ड्यान शिगार तोडात धल्लें.

मिलितांवालो ग्लास अर्दावयर सरिल्लो. तो दोळे धापून. न्हिादल्ल्यावरी ओलतेरांत सुस्त पडिल्लो.

'मिलितांव अुलय म्हरे. आता तुजें आयकवया' गोविन्द आयकवपाचे तयारेन व्यवस्थित बसलो.

मिलितांवान ग्लास तोंडाक लायलो. रितो करून दवल्लो 'गोविन्द भर तो' मिलितांब अधिकारान अुलयलो.

'अेण्ड कोसो आसचो ते तुका सांगना हांव, तुवें कोसो केला तो सांगता. चोय तुवें तीं दोगांय घव-बायलांच दाखयलात. पूणून तेंच्याय जिणेत व्होड दुख येयिल्ल्यान तीं दोगांय अेकमेकांक सांबाळून घेतात.'

'Exactly. सारके' गोविंदाल्या तोंडावेली तरतरसाण व्हिस्केच्या किकेवरीच आशिल्ली.

मिलितांव दोळे धापून मंद हांसलो. 'अेक मिनूट राव. हांव अुलोयतां. सोपूक ना माजें, तुजे कथा हांवें वाचलाय. तूं कोसो बोरोयता तेंवुय जाणा हांव. पुण अेक- हो मुजो अण्ड नू' मिलितांवान ग्लास तोंडाक लायलो.

'पुणून कसो आसा ?' गोविन्द.

'It is predictable' मिलितांव.

'जांव, तसो आसू येता.' तू 'लोहित किनारे' पळयता. तांतुतलो अेण्ड-

- तुगे फुडें वाच तू. चोयां तोरी.'

बरें आयक.

अेक व्हड घोट गिळून मिलितांव दोळे धापून थंड बसलो. कदेलाक तेकून.

बस थाल्ली, फुडल्या शिटावेलें म्हातारें होंवर देंवलें. बस फुडें गेली. दोगूय- हातांतली सुटकेस सांबाळत, नाकामुकार पळयीत हॉटेलावटेन चलूंक लागलीं. गांवचें हॉटेल तें. गिरायक तसलेंच. हॉटेल मालक हात पांगरून येतल्या गिरायकांची वाट पळयीत गल्ल्यार बशिल्लो. तो त्या दोगांकूय पयसल्यानूच वळखलो. तीन वर्सांफाटीं जात्रेक आयिल्लेवेळार तांगेले १८-२० वर्सांचे द गूय चले पेंवक गेल्लेकडेन बुडून मेल्ले.

हॉटेल मालकाक तांका तोंड दाखवंक गुन्यावकारी जाल्ल्यावरी जालें.

गोविन्दान कथा वाचून सोंपयली.

' बोरें आता मूजें आयक.'

– बस अेका ओलतार घाटांत लंवडता. दोगचार जाण मोत्तात. तेमदीं ते सुखी होंवरांतली ती बायलुय आहा कथेंतल्या हेर लोकांक– कॅरेक्टर्सांकूय मार लागला. पुणून हुस्को करी अितलो न्हू. मेल्यांपासत सगलींच चुरचुरतात. हे कथेंतले कॅरेक्टर्सूय हेर लोकांवांगडा त्या बायलेखातीरय चुरचुरतात.

– घवाची काकुट गो बाये कसो वेंग मारून बसला चोय. नाका रे देवा !

– अशें घोडचें आशिल्ले म्हुण आपलें अर्द केळें वेदोळ घवाल्या तोंडात घातिल्लें काय ?

– पोयरूच लग्न जाल्लेवरी देकतालीं.

– तिका तेकून बोसलेली बोडकी म्हतारी वांटावली.

– ती म्हातारी मोरून तोरी ही वाटावंक जाय आसलेली.

– कोणाक मर्ण कोशें येत म्हुण सांगूक जायना चोय.

– हे चार–पांच जाण मोरून आमी वाटावची आशिल्लीं. आनी कांय नू !

ती बायल मेली म्हुण जण अेकटे चुरचुरता. पुण तिजे बोदला आपल्याक लेगीन मर्ण आयल्यार अुपकरता आशिल्लें, खुंयच्याय रितीन ती वांचूक जाय आशिल्ली अशें मात कोणाकूच दिसना. जेगे घोव लग्ना अुपरान्त रोकडोच– वर्सां पोयलींच भायर पोडिल्लो तेका लेगीत दिसना. अुरफाटे घुरी घालून येयिल्या मर्णांतुल्यान वांचले म्हुण जण अेकटो देवाचे अुपकार आठयता.' मिलितांव काळजांतल्यान अुलयिल्यातरी अुलयलो.

गोविन्दाल्या दोळ्यांत अुमेद जगलला. ताजी मान धोल्लीं.

' मानलो तुका '

कांय वर्सां पयलीं जागेली बायल अशीच अेक्सिडेंटांत सोंपिल्ली त्या मिलितांवाल्या झिगेल्या दोळ्यांत तो मिलितांवांक सोदू लागलो.

पार्टेच्या अुपरान्त, मिलितांव, भेंडो आपआपल्या रूमार फाफसतरेच गोविंद आपल्यो प्रकाशित कथा घेवन बरोच वेळ मेरेन बशिल्लो. आपल्या कथांत आपल्याक सोदत.

–※–

कविता : उत्पती आनी तिचें प्रयोजन

पान ३३ वेल्यान)

ज्ञाचें काम; या खातीर नवो आशय तयार करप हें अशक्य आसा कवितेंत तंत्र म्हणून जरीय तें आसलें तरीय ताचोच एक भाग आसता. आशय वेगळावन ती मांडूंक मेळना. शब्दांच्या उचारांक लागपाच्या दुसऱ्या आवृतीक लेय अशें म्हणटात. तशेंच यमक, अनुप्रास हेवय अमूकच काळांत तींच ती अक्षरा उच्चारताना लागपाचो वेळ शब्दांचे साद कठोर आनी मृदू आमतात. हें सगळे लय या अर्थानच घेवंक जाय. कविता कसलीय आसूं ती जिवंत इंद्रियांची प्रतिमांनी बांधून एकरूप जाल्ली, अर्थांची वस्तू आसा. ती भाषिक संघटना जाल्यान तिचें दुसऱ्या भाशेंत दुसऱ्या शब्दांनी रूपातर करूंक येना. तिका मोटवी नातर व्हड करूंकय मेळना. तिची रूच घेतले प्रत्येक वेळार ज्या शब्दांनी ती घडल्या त्या शब्दांतच ती घेवची पडटा. कवितेंतले उकते शब्द रूपकां घडोवपाखातीर येतात आनी त्या शब्दांचें वर्णन करतात. कवितेची भाशा वेगळी आसता, गावगऱ्या भाशेंत पसूस शब्दांचे अर्थांची पुरवण वाढोवन आनी व्हावती भाशा तयार करूनय कविता घडयतात. कविता रचपाक लागपाचो रूपकां भाशेंतल्यानच तयार जातात. कवी आपल्या कवितेंत कितें करूंक पळयता हें तो ज्या प्रतिमाची ती कविता बनल्या तें सोदतगर आपणाक तें सूत्र कळपाक लागता.

कविता वास्तव आसची लागता. शब्दांच्या फाटल्या भायले वास्तवाचे संदर्भ, ताचे खरे अर्थ आनी तांका सांबाळून घेवपी संस्कृतीचे संदर्भ हाजे करून ती तशी जाता. एका आकृतीक खूबशे अर्थ आसचे. वेगळे वेगळ्या थरांनी ती दिसची, तशी कविता ही शब्दांच्या खऱ्या अर्थाची, प्रतिमानी युक्त अशी रचना आसा. जेन्ना दोन वस्तूंतल्या सारखेपण आनी वेगळेपण दाखोवपाच्या गरजेक आमी त्यो वस्तू दुसऱ्या वस्तूंकडेन तुलना करून, एक अणभव दुसऱ्या अणभवाकडेन रूपांतर करून, नातें दाखोवन मनाचेर उदेल्ले चित्र म्हळ्यार प्रतिमा हें कवितेंत चड गरजेचें आसता. कवीक जेन्ना स्फूर्त येता तेन्ना त्या वेळार तो फक्त प्रतिमाच पळोवंक शकता. म्हणून प्रतिमा हीच कवितेची भास म्हणची पडटा. वाचप्या दोळ्यामुखार कवितेतल्यान कवीक जो देखावो दाखोवपाचो आसता तो प्रतिमामुखार दवरून साध्य करता. कविता ही प्रतिमाची संघटना आसता. रूपका, उपमां असले अलंकार; प्रतिका हीवय मुळच्या कवितेंत प्रतिमा म्हणूनच उपयोगाक येत आसतात. वाङ्मय ही संस्कृतायेची निर्मणी आसता म्हणून प्रत्येक भाशेक स्वताची अशी परंपरा आसता. एका संस्कृतीत निर्माण जाल्ल्या वाङ्मयाचे दुसऱ्या संस्कृतायेच्या वाचप्याक पडून वतलेंच अशें ना. एका मनशाचें अनुभव विश्व आनी ताणें आपले जमयिल्लें स्थान दुसऱ्या प्रांताच्या कवीक आनी मनशाक ताचे भूगोलाचे आनी सस्कृतायेचे संबंध निराळे जाल्ल्यान ते वेगळे आसतात. बरोवप्याली लेखन सामग्री ही म्हणजे भुगोलाची ताची स्वताची त्या प्रदेशाची जवळीक आनी सांस्कृतीक संबंध भायलो परिसर आनी त्या बरोवप्याले जन्मजात स्वभाव गुण हाणे ताच्या संवेदन प्रकृतीक या जिणेबद्दल जी एक वेगळी जाग निर्माण जाल्लो आसता ताच्या चेपणानच जें कितें उत्स्फूर्त शब्दांनी भायर सरता तीच एक ललीत कृती आसता.

–※–

A

WELL

WISHER

क्षयरोगाला सामना द्या

१. दोन आठवड्यापेक्षा अधिक काळापासून तुम्हाला सतत खोकला येत असेल किंवा थुकीमधे तुम्हाला रक्त आढळून आले तर तुम्हाला फुप्फुसाचा क्षयरोग झालेला असू शकतो.

२. तुम्ही जवळचे प्राथमिक आरोग्य केंद्र, औषधालय किंवा क्षयरोग केंद्रामधे स्वतःला तपासून घ्या विशेषत तुमची थुकी तपासून घ्या.

३. [illegible]लेले औषध नेमून दिलेल्या [illegible]ळामधे नियमित घेतले तर क्षयरोग बरा होऊ[illegible]कतो.

४. रोग झाल्यानंतर तो बरा करण्यापेक्षा आधीच त्याला आळा घातलेला अधिक चांगले म्हणूनच तुमच्या बाळाला बी.सी.जी. लस टोचून घ्या.

सेंट्रल हेल्थ एज्युकेशन ब्यूरो (डी.जी.एच.एस.)
आरोग्य आणि कुटुंब कल्याण मंत्रालय
कोटला रोड, न्यू दिल्ली - 110002

davp 88/729 MAR